चित्रापूर वैभव

लेखक

[illegible]रकुंद अण्णाजीराव
पांडुरंग तलगेरी

परिवर्धक


प्रभाकर मुदूर


166
Dr: Dev
Sur

कॅनरा सारस्वत ॲसोसिएशन

To
Shri Basti
Vaman Shenoy


Konkani
Konkani in Devanagari
Script-
A-Novel
L: B01 - R02 (Dev.)




विश्व कोंकणी ग्रंथालय
WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
134

13n

चित्रापूर वैभव

WORLD KONKANI LIBRARY

Accn No: 000166

'चित्रापूर वैभवा'च्या लेखक-त्रयींगेली इतर ग्रंथरचना

पांडुरंग सीताराम तलगेरी

नाटकं

दिसतं तसं नसतं (मराठी)
नटीचा नखरा (मराठी)
वचनमुक्त (कोंकणी)
स वर्सा नंतर (कोंकणी)
पवित्र पाप (कोंकणी)
सहा वर्षानंतर (मराठी)

मुरकुंद अण्णाजीराव

नाटकं

कर्णिक देवप्पय्या

यक्षगान

दुःशासन वध
सुधन्वार्जुन
रामाश्वमेध
ब्रह्मदत्त मल्लिकार्जुन (हिंदी)

काव्य

चित्रापूर चरित्र (पोवाडा)
गीत परिज्ञान
बरांतुलि गोडी
गुरुवचनके युगेयुगे (कन्नड)

प्रभाकर मुदूर

नाटकं

मंगळसूत्र
ब्रह्मगांठि
दत्त जन्म
गौरंग
वल्लो चॅडॉ (एकांकि)
भक्त ध्रुव
भक्त प्रह्लाद
संत अप्पया
चेतन
भ्रांति
मुक्ति
नहुष

यक्षगान


कृष्ण मेनन-कृपलानी युद्ध
हिंदुस्थान-पाकिस्तान युद्ध
गोवा भविष्य

चित्रापूर सारस्वत ग्रंथमाला क्रमांक : १५

चित्रापूर वैभव

(नवीन परिवर्धित रंगमंच आवृत्ति)

लेखक
सुरकुंद अण्णाजीराव
आनी
पांडुरंग सीताराम तलगेरी
परिवर्धक
प्रभाकर मुदूर



कॅनरा सारस्वत ऐसोसिएशन
१९८७

चित्रापूर वैभव
३ अंकी कोंकणी नाटक
—सुरकुंद अण्णाजीराव
पांडुरंग सीताराम तलगेरी
प्रभाकर मुदूर

Chitrapur Vaibhav
Konkani Drama in 3 acts
—Surkund Annajirao
Pandurang Sitaram Talgeri
Prabhakar Mudur

A, SUR 'N87

ह्या नाट्यकृतीचें सर्व हक्क सुरक्षित

पयली आवृत्ती : जानेवारी १९४९
दुसरी आवृत्ती : जून १९४९
परिवर्धित तिसरी आवृत्ती : डिसेंबर १९८७.

मॉल : पंदरा रुप्पयो

मांडणी–मुद्रण व्यवस्था : कृष्णा करवार

मुद्रक :
श्री. वि. लिमये
इंडिया प्रिन्टींग वर्क्स
९ नगीनदास मास्तर मार्ग
फोर्ट
मुंबय ४०० ०२३

प्रकाशक :
रवीन्द्र उद्यावर
कॅ. सा. एसोसिएशन
१३/१-२ तालमकीवाडी
जावजी दादाजी मार्ग
मुंबय ४०० ००७

५८१
166

भामगेल्या जातीच्या इतिहासाची ही

पयली नाट्यकृती

"चित्रापूर वैभव"

परमपुज्य

श्रीमत् आनंदाश्रम

सद्गुरूंगेल्या

चरणांक अर्पण

नम्र शिष्य

लेखक

ह्या नाटकाच्या संदर्भांतु....

'कॅनरा सारस्वत' ह्या मासिकाचो संपादकु श्री. कृष्णा करवार हागेल्या विनंति प्रमाणॅ, हँ सानशँ प्रास्ताविक, प्रसिद्ध कोंकणी नाटक 'चित्रापूर वैभव' तिसॅर वेळा प्रकाशनाक हाडच्या शुभ प्रसंगारि बरयितां.

हें नाटक प्रथम श्री. अण्णाजीराव मुरकुंद हान्ने 'सारस्वत वैभव' ह्या शीर्षकारि बरयिलें. नाटकाच्या प्रसंग आनि चरित्रानुसार 'सारस्वत वैभव' हें नांवंचि योग्य आशिल्लें. कारण 'चित्रापूर', चित्रापूर मठ आनि चित्रापूर सारस्वत हीं तिन्नींयि नांव, श्रीमत् शंकराश्रम स्वामि (प्रथम), हांगेल्या कालांतु अस्तित्वाक आयल्यांति अशि 'गुरु परंपरा चरित्रा'वेल्याने दिसूनु येत्ता. आसो !

प्रस्तुत ह्या नाटकाचो प्रथम प्रयोगु, 'सरस्वती ॲमेच्यूर्स' ह्या संस्थेने, परमपूज्य श्रीमत् आनंदाश्रम स्वामिजींगेल्या सान्निध्यांतु केल्लो. त्या प्रसंगारि रंगभूमिच्या सजावटेक समजायशि श्री. पांडुरंग तलगेरिने पुनर्रचना कोर्नु बरयिलें. आनि समग्र सारस्वतांक विदित जायशि 'चित्रापूर वैभव' ह्या शीर्षकाने प्रसिद्ध जाल्लें. श्री. पांडुरंग तलगेरि महाराष्ट्रांतुंचि आशिल्लो निमित्त कर्नाटकांतु प्रचलित आशिल्या कोंकणी शब्दांचो अभावु दिसुनु येत्ता, त्यानंता मराठी शब्दांचो प्रभावु चडावत जावनु दिसूनु येत्ता. ह्या नाटकाचें दिग्दर्शन श्री. पांडुरंग तलगेरिनेचि केल्लेलें. आनि हाज्जो प्रथम प्रयोगु आदित्यवार ता. ९–१–१९४९ ह्या दिवसु रात्रि ९ घंटयारि ताळमक्किवाडितु यशस्वी जाल्लो.

ह्या नाटकाचो दुसरो प्रयोगु 'श्रीमत् आनंदाश्रम गोल्डन जुबिली स्कॉलरशिप' निधि खातिर १९६४ ह्या वर्षे रवींद्र नाटय मंदिरांतु जाल्लो. दुसऱ्या प्रयोगाचें दिग्दर्शन श्री. वेंकटराव तलगेरिने केल्लेलें. ह्या प्रसंगारि श्री. वेंकटरावाने माक्का सुचयिलें की 'चित्रापूर वैभव' नाटकांतु हास्यप्रद प्रसंग नाति, शिवायि रंगभूमि दृश्यं बदलसुंवच्याक अवकाशु मेळशि, थोडीं नवीं दृश्यं बरोंवका अशि. तागेल्या सूचनेप्रमाणे 'रमणय्या', 'खळय्या' अशि दोनि काल्पनिक पात्रं घेवनु नाटकांतु थोडे प्रमाणारि हास्य प्रसंग हाडैलें.

ह्या नाटकाचे ताज्जे उपरांते अनेक प्रयोग जाल्ले; आनि 'कॅनरा सारस्वत एसोशिएशन' ह्या संस्थेच्या अमृत महोत्सव निधिखातिर श्री. सदानंद भटकळ हान्ने पुढाकार घेवनु तीनि अत्यंत यशस्वी प्रयोग मुंबयिंतु करैले. आनि चौथो प्रयोगु पुणें शहरांतु करयिलो. हे सर्व प्रयोग १९८७ ह्या एका वर्सांतु जाल्ले. तशि जावनु ह्या नाटकाक विशेष प्रशस्ति मेळ्ळि.

कोंकणी नाटक तिसरे वेळा प्रकाशाक येत्तां, हें चित्रापुर सारस्वतांक अत्यंत अभिमानास्पद जावनु आस. कोंकणी भाषेंतु अनेक नाटकं आस्सति. जाल्यारि 'चित्रापुर वैभव' नाटकाक मेळ्ळेलि तितलि प्रसिद्धि इतर नाटकांक मेळ्ळेलि दिस्सना.

ह्या नाटकाच्या यशस्वी प्रयोगांखातिर अनेकांनि अविरत श्रम घेतल्याति. विशेषतः दिग्दर्शक श्री. मधु भट, संगीत दिग्दर्शक श्री. मुर्लिधर गंगोळ्ळि, सूत्रधार श्री. मुर्लिधर हट्टंगडि, सहदिग्दर्शक श्री. गोपाळ माविनकुर्वे आनि सर्व कलाकार, हांगेलिं कार्यं प्रशंसनीय जावनु आस्सति.

ह्या नाटकाच्या तिसऱ्या आवृत्ति खातिर सर्वश्री. सदानंद भटकळ आनि कृष्णा करवार हान्नि विशेष परिश्रम घेतल्याति.

प्रभाकर आनंदराव मुदूर

मुंबयि
२२-७-१९८७

"चित्रापूर वैभव" नाटकाचॉ पयलॉ प्रयोगू आदित्यवार ता. ९ जानेवारी १९४९ रात्ती ८–३० घंट्यारी ताळमक्की वाडींतू परमपूज्य **श्रीमत् आनंदाश्रम** सद्गुरूंगेल्या सान्निध्यांतू सरस्वती ॲमॅचुअर्स ह्या नाट्य संस्थेनँ कोनूं दाकयलॉ, तावळी सहकार्य केलेल्यांगेलीं **नांवं:—**

राजा बस्वेश्वर	...	भास्कर कोडीकल
नारायणय्या	...	वेंकट तलगेरी
मंजुनाथय्या	....	गणेश नाडकर्णी
अनंतय्या	...	रामचंद्र बेळ्ळारे
रामचंद्रय्या	...	शंकर बल्से
नंजुंडा	...	मुर्लीधर नाडकर्णी
मुक्कण्णा	...	कृष्णानंद हॅम्माडी
पारपत्यगार	...	सदानंद नाडकर्णी
शंभूभट्ट	...	रघुविर नाडकर्णी
रामाचार	...	रामकृष्ण उळ्ळाळ
आप्पू	...	सतीश गंगोळी
लक्ष्मी	...	विवेकानंद पुत्तुर
कावू	...	श्रीधर बॅनेगल
चलियॉ	...	सुमन हेबळे, भवानी हेबळे शामला करवार, कुमुदीनी मल्लापूर प्रमिळा विणेकर.
इतर	...	चंद्रकांत हॉन्नावर, सुरेश हॉन्नावर सुरेश नाडकर्णी

दिग्दर्शक **पद्यरचना**	पांडुरंग तलगेरी
संगीत दिग्दर्शक	चिदानंद नगरकर यू. मोहनराव
तबला	एच्. तारानाथ
वायोलीन	एल. आर. कामत
फ्लयूट	सिध्दानंद गुलवाडी
रंगमंच व्यवस्था	गंगाधर मासकेरी, कृष्णा करवार, दयानंद बलजेकर, शंकर नाडकर्णी, भास्कर तलगेरी

'चित्रापूर वैभव' या नाटकाचो कॅनरा सारस्वत अॅसोसिएशन (कला विभाग) ह्या संस्थेच्या अमृतमहोत्सवी वर्सा (१९८६–८७) नव्या स्वरुपांतु पयलॉ प्रयोगु आयतार ता. ८ मार्च १९८७ ह्या दिसा सकाळी ९–०० घंटयारि झवेरभाई पटेल सभागृह, कर्नाटक संघ, न्यू मोगल लेन, मुंबय ४०० ०१६ हांगा कोर्नु दाकयलॉ. तावळी सहकार्य केल्लेल्यांगेलीं नांवं :

राजा बसवेश्वर : अविनाश त्रासी
नारायणपय्या : मधू भट
मंजुनाथय्या : वसंत नाडकर्णी
अनंतय्या : मुरलीधर गंगोळी
रामचंद्रय्या : एकनाथ हट्टंगडी
नंजुंडा : आनंद नाडकर्णी
मुकण्णा : विनय राव
पारिपत्यगार : कृष्णा चंदावर
शंभूभट : रामचंद्र बेल्लारे
रामाचार : हरीश चंदावर
रमणु : सुधीर बळवल्ळी
रखऊ : गौरंग बळवल्ळी
आप्पू : अतुल सबूर
लक्ष्मी : कांचन होन्नावर
कावू : श्यामला हालाडी
इतर : अतुल्य कागाल, शशांक होन्नावर, सोनाली होन्नावर
दिग्दर्शक : मधू भट
दिग्दर्शन मार्गदर्शन : गोपाळ माविनकुर्वे
संगीत दिग्दर्शक : मुरलीधर गंगोळी
पद्यरचना : मुरलीधर गंगोळी
नेपथ्य : रामदास गुलवाडी
प्रकाश योजना : चंदर होन्नावर
वाद्यवृंद : गुरुदत्त हेब्बळेकर, नरहरी कार्नाड, वसंत शिरोडकर
रंगमंच व्यवस्था : देवराय शानभाग, कृष्णा हरिटे
ध्वनिसंयोजन : गोपाळ माविनकुर्वे, जयपाल मल्लापूर, विनय गंगावळी
सूत्रधार : प्रभाकर मुड्डू
निर्मिति प्रमुख : मुरलीधर हट्टंगडी

चित्रापूर वैभव

अंकु पयलॉ

प्रवेशु पयलॉ

स्थळः— ईश्वरा देवस्थानाचँ पटांगण

[सारस्वत स्वयंसेवक दॅवळासुतवाचॉ शृंगारू करत आस्सती.
भित्तरी ईशस्तवन चलतची आस्स]

॥ नांदी ॥

[रागः यमनी बिलावल. तालः ध्रुपद]

शंभो शिव हर हर हर
नीळकंठ गंगाधर
रुन्डमाळ गळाहार
नित्य म्हणत ॐकार ॥ धृ० ॥

चित्रापूर वैभवपर
नाट्यकृती करी सादर
यश तयासी दी शिवहर
प्रार्थित तव हा नटवर ॥ १ ॥

सारस्वत धन्य धन्य
अखिल नगर श्रेष्ठ मान्य
श्रेष्ठपण उरो अमर
श्री भवानीशंकर हर ॥ २ ॥

मंजुनाथः—"सारस्वत धन्य धन्य, अखिल नगर श्रेष्ठ मान्य"! सत्य! सत्य!! त्रिवार सत्य!!! पन्नास वर्सांमाक्षी ह्या नगर संस्थानांतू निराश्रित परस्थ म्होणोवनु घॅतलॅ आम्मी सारस्वत आजी ह्याची नगरांतू प्रतीएक सरकारी खात्यांतू व्हॉड व्हॉड हुद्यारी पावल्याती आनी पावत आस्सती, तावळी आम्मी सारस्वतांनीं मात्र न्हंई इतर जातीनँसुदांई अत्याभिमानानँ इत्या म्होणयँ की " सारस्वत धन्य धन्य अखिल नगर श्रेष्ठ मान्य"!

अनंतः—मंजुनाथय्या, "सारस्वत धन्य धन्य, अखिल नगर श्रेष्ठ मान्य" अश्शी म्हणतना आमकांची इतलॉ अभिमानु दिसता, तावळी नारायण-पय्यागेल्या आवसुबापसूनीं आजी वांचुनू वरल्यारी तांका कितलॉ अभिमानू दिस्सूक फाव आशिल्लॉ हँ कल्पना कोनूंई कळशना.

मंजुनाथः—खरेंची! कल्पना कोनूंई कळशना! अनंतय्या, ह्या नगर संस्थानांतुलँ आमगेल्या सारस्वतांगेलँ वैभव पोळोंवच्याक आजी आमगेलॅ म्हालगडॅ कॉणई नाती हँ पळयनाफुडॅ मात्र नाका म्हळेलतरके मनांतू यॅत्ता की मनुष्या म्हणकेचो दॅवागेल्या घरांतू सुदांई अन्याय जात्ता म्होणू.

अनंतः—तँ कश्शी?

मंजुनाथः—तँ कश्शी? अनंतय्या, ह्या चाळीस पन्नास वर्सांमाक्षीं ह्याची नगरांतू आमचीगेल्यांगेली कसली परिस्थीतीशिली? रात्ती हांतुळारी आड सर्तची सकांळीची काळजी, आनी सकांळी जॅवण जात्तची रांदपाची मात्येची दोनी आयदानं धास्तना धोनूं रात्ती पॉट्टांतू दोनी घास कश्शी पडतीद हाज्जॉ ध्यासू! असल्या परिस्थीतींतू सुदांई स्वतःची काळजी कर्नास्तना चेल्डवांक सुखारी वरँ जांवका म्होणू वांट काण्णू म्हालगड्यांनी आमकां न्यायनितीचँ योग्य शिक्षण दिल्लँ. त्या शिक्षणाचॉ फायदॉ आजी कसलॉ? चाळीस पंचेचाळीस वर्सांमाक्षीं खाकयांतू झोळ्ळी घेवन् "ॐ भवती भिक्षां देही" म्हणतची घरोनघर भॉंवतालॉ सारस्वतांगेलॉ ब्रम्हचारी "नाण्णा," म्हालगड्यांनी दाकोवनू दिलेल्या न्यायनिती मार्गानँ चोलनू "राजरत्न नारायणपय्या" म्होणू ह्याची नगरांतू आजी महामंत्रीपदारी

बस्तलॉ, आनी हँ पोळोंवच्याक नारायणपय्यागेल्या म्हालगड्यांक दॅवानँ ह्या जगांतु दवरनँ! तावळी हाक्का दॅवानँ कोरचॉ अन्याय म्होण्णयँ जाल्यारी आनी कस्लँ म्होणका?

अनंत:—प्रालब्ध! हाज्ञानंता तुगेल्या प्रश्नाक दुसरँ उत्तरची ना! आमचिगेल्यांनीं आजीथाई भोग्गिलँ कष्ट आनीं दुर्बळपणं प्रालब्धामितींची, आनीं तांतुल्यानँ आमगेली मुक्तता जावनूं आजी आम्मी हॉड़पणाक पावल्याती हँ सुदांई प्रालब्धामितींची.

मंजुनाथ—आस्सॉ! त्याची प्रालब्धानँ आमकां हाज्याकई हॉडपणाक पावोंका इतलेंची आम्मी त्या परमात्मालागी मागूनू घेवंचँ, जाल्यारी......!

अनंत:—मंजुनाथय्या, तुगेल्या "जाल्यारी" ह्या शब्दाक अक्षर तिन्नीचीं, अर्थू मात्र भरपूर दिसता.

मंजुनाथ:—वॉचॉ! हावँ तश्शी म्होणयॅशिर्ळें!

अनंत:—तुवँ म्होणयॅशिर्ळें जाल्यारी म्होणणू चुकला; आनी तुवँ अर्दकुर्द म्हळेलँ पुराई म्हणतल्यारी मगेल्या मनाक मात्र ती एकि खतींचीशी जातली. तावळी "जाल्यारी" ह्या शब्दाचॉ अर्थू तुवँ सांगका पडतलोची.

मंजुनाथ:—सांगता! कॉणालागींई म्होणका! माक्का दिसत आशिर्ळें क्षणिक सॉप्पनई आसुक फाव आस्स. आजी राजा बस्वेश्वरागेल्या दरबारांतू नारायणपय्याक महामंत्रीपदारी बसयतची तागेलँ अभिनंदन कोरच्या तयारी खातीर उमेदीरी ईश्वरादेवस्थानाच्या ह्या सुतवांतू आयलाँ खरँ, जाल्यारी आत्तं एकाएकीची मनांतू नाकनाक्का जालेलॅ विचार यॅवच्या लागल्याती.

अनंत:—आनी कारण?

मंजुनाथ:—कारण कस्लँ तँची कळनाशी जाल्यां! अश्शी एकाएकींची यॅतलॅ वायट विचार, आनी ताज्यावयंर्री त्या रामचंद्रय्यागेल्या टोळींतुल्यांनीं दूर थावनू आम्मी कस्लँ कर्ताती हॅ चोर्नूं पोळोंवचँ आनी तश्शीची निंपुनू

वोचँ! ह्या सगळ्याचॉ विचार कॅल्यारी आयचॉ दिवसू कश्शी म्होणू काळजी दिसता.

अनंतः—मंजुनाथप्पा, नारायणपय्यागेल्या तालमींतू वाडिलॅ आम्मी, अश्शी कल्पनेनँ निर्माण कॅलेल्या संकटांक भिवनू चलशाना.

मंजुनाथः—कल्पनेनँ निर्माण केलेलीं संकटं? अनंतप्पा, राजदरबारांतू व्हॉड व्हॉड लोकांलागी मात्र संमंदु यॅतल्या नारायणपय्याक आनी कॅर्नाई ताज्यालागी राबुनू तागॅली महत्वा कामं कर्तल्या तुक्का हँ सगळँ कळशाना, जाल्यारी ह्या नगरांतुलॅ बाकी ब्राम्हण आमचेरी कितलॅ जळताती आनी आमका नामोहरम कोरची कितली खटपट कर्ताती हँ कौतूक, रातीदीस सरकारी कामाखात्तीर तांच्यांतू मेळनू आस्तलॉ मज्जअसलॉची जांवका! इतल्या दिवसांचॅ कस्ल्याक? काली जालेलॅंची सांगता...........

अनंतः—राव, आत्तं कस्लॅई उलोवनक्का! प्रती सॉमारा सकाळीं ईश्वरा देवळांतू दर्शनाक यॅवचो नारायणपय्यागॅलॉ नेमू. आनी त्या नॅमाक समजावनू नारायणपय्या आनी तागॅली बायल लक्ष्मूमाक्का हांगा यॅत्त आस्सती. नारायणपय्या राजदरबारांतू निर्डलेलोची, जाल्यारी लक्ष्मूमाक्का मात्र तुगेलॅ शब्द आयकल्यारी मनाक लावनू घेतली.

नारायणपय्याः—[लक्ष्मी सांगाती प्रवेशू कोर्नू] शिव शंकर! शिव शंकर!! शिव शंकर!!! ओहो! मंजुनाथप्पा नी अनंतू! तुम्मींई ईश्वरागेल्या दर्शनाक आयल्याती? आनंदू—आनंदू जाल्लॉ माक्का! अां? हॉ शृंगारु कस्लॉ चल्ला? [लक्ष्मी दॅवळांतू वत्ता.]

मंजुनाथः—आमगेल्या कार्यक्रमाचँ तुगेल्या कान्नारी आम्मी कस्लॅई यॅवच्या दीनॅ हाजी क्षमा कोरका. आजी रात्ती तुगॅलँ अभिनंदन कॉरची तयारी चल्ल्या!

[ना]रायणपय्याः—कस्ल्याक तुम्मी हँ आडावनू घॅतलँ?

[मं]जुनाथः—नारायणपय्या, दुसऱ्यांचेरी कॅलेल्या उपकारांक कर्तव्य म्होणू

लैंकतल्या तुगेल्या उदार बुद्धीक तश्शी दिसचँ सहजची, जाल्यारी आमगेल्या दृष्टीनँ थॉडॉ विचार कॅल्यारी आम्मी तुगेलँ अभिनंदन कोरचँ आमगेलँ आद्य कर्तव्य अश्शी तुक्काची दिस्तलँ.

नारायणपय्या:—मज्जेरी आशिली तुमगेली प्रिती आनी आदरूची तुमकां तश्शी लेकुक लायता. हांव विस्तार वाडोवनू सांगतां अश्शी तुमकां दिस्सुक फाव आस्स, जाल्यारी पन्नास वर्सांमाक्षीं सारस्वतांक गॉयँ सोडूक लायिलँ प्रसंग आनी धर्मरक्षणेखात्तीर ह्या नगरांतू येंवनं आमगेल्या पाय्यारी आम्मी उब्रोवोवरेकँ आम्मी भोगिलँ दुःख नी कष्ट कॉणँ पळयल्यां की, तांका हावँ म्हळेल्याक दुसऱ्या साक्षीची जरूरीची पडशना. शिव शिव शिव! आमगेल्या कष्टांचॉ उगडासू जाल्लॉ, की हांव अजुनिके दॅवाक प्रार्थना करतां की "दॅवा, आमकां नर्कू भोगूक लाईल्या त्या पोर्चूगिजांक सुदांई असलँ कष्ट भोगूक लावनका."

मंजुनाथ:—हांव ह्या नगरांतूची उबजलॉमिती माक्का ताजॉ अनभवूची ना.

नारायणपय्या:—तुमगेलँ नशीब हॉड, तुमगेलॉ तावळी जल्मूची जायनेशिल्लॉ! त्या वॅळाची आमगेली ती स्थीती! शिव शिव! यवनांगेल्या धार्मिक जुलमाक भिवनू काश्मिरांतू थावनु गॉयेंतु यॅनाफुडॅ आमगेलॅ कष्टा दिवस जाल्ले अश्शी आमगेल्या पुर्वजांनी लेकिल्लँ! जाल्यारी ना! आमगेल्या सारस्वतांगेली सत्त्वपरिक्षा पूरा पोळोवनू जायनेशिल्ली. हरिश्चंद्रागेली सत्त्वपरिक्षा पळयतना विश्वामित्रानँ अखेरीक सर्पारूप धारण कॅलेल्लँ, तश्शी यवनांनीं पोर्चूगिजांगेलँ रूप धारण कॅलेलँ आस्काज! गॉयेंतु तान्नी धार्मिक जुल्मू सुरु केल्लॉ, आनी आमकां खिस्त धर्मांतु बळजबरीनँ बाटोवच्याक लागलॅ. आमगेल्या म्हाल-म्हालगड्यांक धर्मरक्षणेखात्तीर काश्मिर सोण्णू गॉयें येंवका पळ्ळँ जाल्यारी आमकां त्या धर्मरक्षणेखात्तीर गॉयें सोणणू आमगेल्या धर्मांची विटंबना जांवच्या फाव नातिल्या हिंदु राष्ट्रांतू पोळणू वोचका पळ्ळँ. ह्या नगर संस्थानाविना लाग्गी दुसरँ हिंदु राष्ट्र ना, तावळी बायलचेल्डवांक घेवनूं दिवसाची राती आनी रात्तीचॉ दिवसू

कर्तेची भायर सलेल्या कितल्याकी दीसांनी ह्या नगरांतू येवनू पावलॅ. हांव तावळी आट थां वर्साचॉशिलॉं, जाल्यारी अजुनिके तॉ प्रसंगू कालीची जालेलम्हणकॅ दॉळयां इदूर दिसता. ह्या नगरांतु पांवका जाल्यारी वाट्टेरी जालेलॅ हाल हाल,–शीं, तान, भूक हांच्यामिती वाट्टेरी आमकां कितलॅकी पेट्टी कोर्का पळेली स्मशान यात्रा...........ज़ाल्यारी नाक्का! आयच्या शुत्रप्रसंगावॅळारी ताज्जो उगडासूसुदांई नाक्का, तावळी उच्चारपुणी कस्ल्याक? नगराधिशानॅं कॅलेलॅ उपकार फिटोंवचॅं, ताण्णॅ आमचेरी दवरलल्या विश्वासाचॅं योग्य समर्थन कोरचॅं आनी आमगेल्या पुर्वजांनी भोगिल्या कष्टाचॅं सार्थक कोरचॅं हॅं कांई मज्या अॅकळ्यामितींची जांवचॅं काम न्हईशिलॅं.

मंजुनाथः—जाल्यारी, नारायणपय्या, ह्या नगर संस्थानाचॉ महामंत्री जावचॅं भाग्य कांई सर्वांगेल्या वांट्याक यॅना.

नारायणपय्याः—तॉ मात्र नशीबाचॉ खेळू! दॅवानॅं दाकयली दया, पुर्वजांनी जॉळेलॅं पुण्य आनी म्हालगड्यांनी दिलेलॅं योग्य शिक्षण, ह्या सर्वांमिती आम्मी न्यायारी आनी सत्यारी दिवस काळ्ळॅ, हाज्जी मर्याद म्होणू आमच्यापैकीं कॉणाकपुणी हॉ मानू मेळकाजचीशिल्लॉ आनी तॉ मानू माक्का मॅळ्ळॉ इतलॅंची. आजी हांव महामंत्रीपदारी बस्तलॉं खरॅं, जाल्यारी तॅं जालॅंतरी सारस्वतांगेलॉ प्रतिनीधी म्होणू.

मंजुनाथः—तावळी आजी रात्ती सारस्वतांगेलॉ प्रतिनीधी म्होणूची अभिनंदन कोर्नू घॅना इत्याक?

नारायणपय्याः—मंजुनाथय्या, सारस्वतांगेलॉ प्रतिनीधी म्होणू सारस्वतां-कोरोंवनूची अभिनंदन कोर्नू घेवचॅं म्हळ्यारी आमकां आम्मीची आरती दाकोवनू घेतिलम्हणके जायना?

मंजुनाथः—आस्सुक फाव आस्स, जाल्यारी, नारायणपय्या, तूं म्हालगडॉ मनुष्यू, तावळी आमच्या सान्नांगेल्या समाधानेखात्तीर आजी रात्ती हांगा यॅवची कृपा कोरका.

नारायणपय्याः—जायद तरी! हांव जरुर यॅत्तां, जाल्यारी तँ बहुमान घेंवच्याखात्तीर न्हंई, आमगेल्या चेल्डवंबाळांक अशीची न्यायारी नी सत्यारी चोलचँ उत्तेजन दिवच्या खात्तीर म्होणू यॅत्तां.

मंजुनाथः—जायद!

नारायणपय्याः—यॅत्तां तरी हांव [वत्ता]

अनंतः—बरँ, मंजुनाथय्या, आजी रात्तीचॉ समारंभू हँ आमगेलँ खासगी काम, जाल्यारी ताज्यामिती आमगेल्या सरकारी कामा कर्तव्यांतू व्यत्ययू यॅवच्या नज्ज! वच्यां! [वत्ताती]

प्रवेश दुसरॉ

स्थळ : रस्तॉ (नगर)

रामचंद्रय्याः—[नंजुंडा नी मुक्कणा सांगाती प्रवेश कोर्नू] सरकारी कामा कर्तव्य, सत्यारी चोलचँ आनी न्यायारी दिबस काडचँ! हं! "अहो रूपं अहो ध्वनी" अश्शी हागेली शिपारशी तॉ करता, आनी तागेली स्तूती हॉ करता, आनी ह्या सारस्वतांगेलीं स्तुती कोर्नू आम्मी कॉणेंई हांका आरती दाकईनाती म्होणू दिवलेसुत् तॉड घुंवडानू हँ स्वताक आरती दाकोवनू घॅत्ताती.

नंजुंडाः—आनी तँवई आमगेल्या दॅवळा सुतवांतू!

मुक्कण्णाः— आजी दॅवळा सुतवांतू आनी आम्मी हांका अशीची सॉळ्यारी फाल्या आमगेल्या घरासुतवांतू रिग्गूनू आमकांची भायर घालूक कम्मी करीशनाती हँ सारस्वत.

रामचंद्रय्याः—हँ कस्लेंई कोरूक फाव आस्सती! तांगेलॉ सोक्कू आत्तं तळारीची ना! ह्या नारायणपय्यागेलॉ नशिबा गॅरॉ नीटू आस्स म्होणू हॉ आजी महामंत्री जातलॉ, तावळी तॉ एक होड्ड मनुष्यू म्होणयां, जाल्यारी तागेलँ उष्टँ वाटँ लॅवतलॉ हॉ अनंतय्या, हॉ सुदांई सरकारी कामा कर्तव्या

खबरीं उलयता? पळयल्यारी सरकारी कांम ह्या सरस्वतांमिती करनू आयल्यांती आनी आम्मी सगळॆ मॆल्याती.

नंजुंडाः—कस्लेंई आशिल्तरके आजी तान्नी तँ खरॅ कोर्नू दाकयल्या न्हंई वॅ?

रामचंद्रय्याः—कबूल कोरूक लाज दिसता, जाल्यारी तश्शी खरँ कोर्नू दाकइल्या आनी ताक्कासुदांई आग्मीची कारण जालमिती तोंड दाकोंवच्या सुदांई लाज दिसता?

मुक्कणाः—आम्मीची कारण?

रामचंद्रय्याः—तश्शी म्होणयेद! बापसुनॆं कॅलेल्या चुकीची शिक्षा चेल्डवांनी भोगका पडता खंई, तश्शी आमगेल्या म्हालगड्यांनी ह्या सर्पाक आश्रय दिव्नु दूद पिव्रयलॆं ताज्जॆं दुष्परिणाम आम्मी भोगका पळ्याती. बॉट दाकयल्यारी हातूची गिळतलॆं हॆं सारस्वत आमगेल्या घरांतूची रिग्गुनु वरिष्ठ जाल्याती आनी आम्मी तांगेलॆं कनिष्ठ जाल्याती. नंजुडा, तळपायां उज्जों मस्तकांतू वत्ता, जाल्यारी आमगेलेंची दांत आनी आमगेलेंची वट, चाबल्यारी आमगेल्याची वट्टांतूथावनू रगत भयार पडता. आमकां कनिष्ठ कोरूक आमगेलॉ रायूची कारण जाल्ला त्यामिती हुम्मूसू काणास्तना गुद्यामारु सहन कोरका पळ्ळा. खंचोंई सरकारी खातों घॅ, अधिकारु ह्या सारस्वतांगेलॉ! कंदाया खात्यांतू हॆं सारस्वत, न्यायखात्यांतू हॆं सारस्वत, विद्याखात्यांतू हॆं सारस्वत. आजीथाईं हॉ महामंत्री जागो आमगेल्या हात्तांतू आशिल्लॉ, तॉ सुदांई आजी धोर्नू ह्या सारस्वतांगेल्या हात्तांतू! खंई पळॆ थंई हॆं सारस्वत! जॅवणा बसल्यारी शित्ता घासांतू सुंदाई हॆं सारस्वत येत्तिद की म्होणू भय्य दिसता. छॆ छॆ छॆ छॆ! आम्मी वापस मातॅ वयरी कोरची मगेली आशातेमे पूरा नष्ट जावनू गेल्या! आत्तं ह्या अमात्यपदाक कायमचॉ नमस्कारू कोर्नू "हरी हरी" म्हणतची रानांतू रावचँ योग्य दिसता.

नंजुंडाः—रामचंद्रय्या, आंमगेलॉ पुढारी जावनू आशिल्या तुवँची अशी धैर्य सॉळयारी आम्मी कॉणागेलॅं तोंड पोळोवनूं हांगा दीस काडचे?

खंच्याईपुणी उपायानँ रायागेलँ मन कलुषित कोर्नू ह्या सारस्वतांक नगरा-भायर धांवडायनातल्यारी ह्या कर्नाटकांतू आमगेल्या चेल्डवंबाळांनी मुखारी सुलभ जीवन कोरचँ असाध्य जातलँ.

रामचंद्रय्या:—तश्शी कोरचँ इतलँ सुसार आसल्यारी आजी हांव कपालारी कस्ल्याक हात धाडावनू घॅतची बस्तलॉंशिल्लौं! सारस्वत आनी तांगेली बुध्दीमता म्हळयारी आमगेल्या बस्वेश्वर रायाक इतलथाई भक्ती की ॲका सारस्वत पॉरानँ "हॉं" कोर्नू रळयारी "वा: वा: कितलँ सुरांतू रडता" अश्शी म्होणू तॉ शिपारशी करता. "आमगेल्या नगर संस्थानाची वृध्दी कोरुक हॅ सारस्वत ब्राम्हणची कारण" अश्शी तॉ तॉंडानँ स्पष्ट म्हणता.

मुक्कण्णा:—सारस्वत ब्राम्हण? जाल्यारी हॅ सारस्वत ब्राम्हणपुणी खंच्यावेल्यानँ!

रामचंद्रय्या:—कस्लँ म्हणालॉ?

मुक्कण्णा:—ह्या सारस्वतांक ब्राम्हण म्होणूक आधार खंच्चॉ!

रामचंद्रय्या:—इत्या?

मुक्कणा:—प्रत्येक जातीक धर्मगुरु आस्ताती आनी धर्मकेंद्र म्होणू मठू आस्ता.

रामचंद्रय्या:—धर्मगुरु आस्ताती आनी मठू आस्ता?

मुक्कण्णा:—नि:संशय! आमकां शृंगेरीचँ जगद्गुरु आस्सती आनी शृंगेरी मठू आस्स. ह्या सारस्वतांक दोन्नीई नाती. तावळी गुरु नातिल्यांक उच्च वर्णाचँ म्होणू कश्शी म्होणचँ आनी उच्च वर्णाचँ न्हई तावळी ब्राम्हणत्वा असलॉ पवित्र मानपुणी कश्शी दिंवचॉ?

नंजुंडा:—जाल्यारी जातीचॉ आनी दरबाराचॉ संमंदू कस्लॉ?

मुक्कण्णा:—नगर संस्थानाच्या परंपरेचॉ आनी रुढाचाराचॉ! गुरु नातिल्यांक जाती ना, आनी जाती नातिल्यांक समाजांतू जागॉ ना! आत्तं समाजांतूची जागॉ ना तावळी राजदरबारांतू जागॉ कश्शी दिंवचॉ?

रामचंद्रय्याः—बस्स! पुरो! मुकुण्णा, आनी सांगू नाका! ह्या तुगेल्या युक्तीनँ महाभारतांतुल्या शकूनीकसुदांई तुवँ निर्बुद्ध ठरयलॉ, आनी पिश्शांतू वतल्या माका वापस बुध्दीवतांतू हाळ्ळॉ! दरबार भोरुक आनी थॉडो वेळू आस्स, तितल्या भित्तरि, दरबारांतु कशि उलोंवचँ, हँ तुमकां शिकांवचँ अवश्य आस्स. यय्या. [तेंगई वत्ताति.]

[ह्या भाषणा उपरांते रमणय्या गडबडेरि येत्ता. ताजा माक्षियान्तु ताका आवैतचि खळय्या येत्ता].

खळु :—रमणय्या, रमणु, रावरे चिकेचि. खंयिं वत्ता?

रमणु :—जाल्लँयॅ? ह्या खळय्यागॅलँ केद्नायि अपशकुन भास्सचि.

खळु :—अपशकूनु? म्हळयारि कस्लँ तँ?

रमणु :—कॉल्लो आड गॅल्यारि म्हणताति न्हयि, तँ! आनी तुगेलॉ मुसुडु पळैल्यारि जात्ता न्हयि, हँ?

खळु :—कोल्याक आनी माका कस्लि सऽरि कर्ता?

रमणु :—मुण्याक—म्होगच्चेंयॅ? आरे, कॉणेयि खयीं वत्ना, 'खंयिं वत्ता' अशि विचार्नये. गॅल्लेँ काम जाय्ना.

खळु :—कष्ट जाल्लमरॅ! वतल्याक 'खंयिं वत्ता' म्हण्णांस्तना 'खंयिं यॅत्ता' म्होणकावॅ?

रमणु :— तशी म्हळयरी बॉड सम ना म्हणतीद मरॅ!

खळु :—बॉड गीड म्होण्णाका. मात्तँ म्होणु गॉमटॉ शब्दु आस्स.

रमणु :—शब्दु गॉमटॉ आस्स व्हयि. तश्शीचि मात्तँ गॉमटँचि आस्का न्हयिवॅ खळु? आरे, हांव दरबाराक भायरसर्लो.

खळु :—कॉणागेल्या?

रमणु :—आत्तं कस्लँ सांगका जाल्लँ तुका? हो प्रश्नु दुस्ले कोणाकयि बाल्यारि, तॉ खंडित म्हणता की मार्चँ म्हळ्ळेलॉ शब्दु तुका शोभ्भना म्होणु. हँ पळँ, दरबार म्हळयारि, रायागेलँ मात्र आस्ता खंयिं.

खळु :—आस्ता खंयिं? म्हळयारि तुकायि खात्रीनॅ गोत्तुना.

रमणु :—माका कशि कोळचेंयॅ! हांवॅ आय्कलँ मात्र.

खलु :—आस्सॉ. मगेल्या बॉडांतु आनीं तुगेल्या मात्त्यांतु विशेष फरकु ना. बरॅं. आजि दरबारांतुं विशेष कस्लॅं आस्स ?

रमणु :—सान्न चेडांकथायि गोत्तु आस्स; आनी तुका मात्र गोत्ना ? आरे, आजि नाराणपय्याक महामंत्रि कर्तांति !

खलु :—हांवॅं नाका म्हळ्ळॅंवे ? ताका महामंत्रि कर्तांति; आनी तो तुमचिगेलॉ हॅंवंयि माका गोत्तास्स. जाल्यारि दरबाराक कस्लॉ संबंधु ?

रमणु :—खलु, खलु, महामंत्रि कोर्चे दरबारांतु; धर्मशाळेंतुं न्हयिं.

खलु :—हॅंवेयिं आय्कल्लें की ? तुका गोत्तु आस्स ? देवळा सुत्वांतुं आस्तलॅं म्होणु हांवॅं लेक्किलॅं. थंयिं शृंगारु चल्ला. नारायणपय्यागेलॅं सत्कार्य कर्तांति खंयिं.

रमणु :—सत्कार्य न्हयिरे, सत्कारु ! खलु आजि नारायणप्पय्या उल्लैवलॉ आस्स खंयिं.

खलु :—कॉणाक ?

रमणु :—उल्लैवलॉ म्हळ्यारि, तरिश न्हयि...कस्लॅं म्हणतातिरॅं ताका ?...

खलु :—कोणाक ?

रमणु :—ताळ्यांतु आस्स, जिब्बेरि यॅना. एकळ्यानेचि उब्रोनु उल्लोंचॅं आस्ता. ताका गॉमटॉ शब्दु आस्स पळे....

खलु :—मात्तॅं ?

रमणु :—खंवंसु तुका. माका विचारु कोरूक सोडि. तरिश उल्लोंचाक एकु शब्दु आस्स पळे.

खलु :—एकु इत्या, चारि शब्द सांग.

रमणु :—चुप् !! समारंभु !! छॅ ! छॅ !! न्हयि. हांऽ ! भाषण ! नारायणपय्यागेलॅं भाषण !

खलु :—आनी आम्मि उल्लोंचाक ?

रमणु :—घोषण !

खलु :—'गो' म्हळ्यारि गायि !

रमणु :—गायि न्हयि म्हैशि. यॅत्ता न्हैवॅ तूं त्या समारंभाक ?

रवळु :—तुमगेल्या सारस्वतां मद्दें हांवें कस्लॅं कोचें !

रमणु :—हांवं कस्लॅं कर्तो, तेंचि तूं करि.

रवळु :—भाषणा नेंता आनी कस्लें अस्सकी ?

रमणु :—गायन.

रवळु :—हांवें गायन म्होणका थंयिं ?

रमणु :—नाक्का. तसलो उपकारु कोर्नाक्का. खंच्या दिवसु, द्ॉळयां पात्यां-म्हणकेंचि, कान्नाकयि एक धांकणॅं देवु निर्माण कर्ताकी, त्या दिवसु तूं गायन करि. यॉ आत्तं, वेळु जाल्लॉ. दरबाराक वच्यां.

रवळु :—थंयि वचून कस्लॅं कोचें ?

रमणु :—सर्वां सांगाति बोसचें. तान्नि उटार्ॅॅलॅं की उटांच्चें. भायर सर्लें की सरुत घारा वचें. यॉ वच्यां, रायाक तरी पोळोवयां.

रवळु :—व्हयि, करिश आस्स तॉ पोळोवयां. [वत्ताति.]

प्रवेशु तिसरॉ

स्थळः—राजा बस्वेश्वरागेलॅं दरबार

रामचंद्रय्याः—"यथा राजा तथा प्रजा" हॉ जगाचोची न्यायू ! आमगेलॅं नशीब इतलॅं बलवान की न्यायशील, धर्मशील आनी सत्यशील अधीपतिचॉ आमकां लाभू जाल्लॉ, त्यामिती आमगेली प्रजा न्यायू, धर्मू आनी सत्य ह्या तिन्नीकई अनुसरून चोलूक लागलॅ, आनी ह्या सर्वांक ह्या तिन्नीचॉ पुरस्कार करतल्या सारस्वतांगेली जोडी मेळी. हॉची त्रिवेणी संगमू आमगेल्या नगर राष्ट्राच्या भरभराटीक कारण जाल्लो हें जाहिर कर्तना आजी माक्का अत्यानंद जात्ता मात्र न्हई, अत्याभिमानूई दिसता. ह्यामिती कॉणाकई आनंदू जातलोची आनी अभिमानूई दिस्तलोची, जाल्यारी आजी आनी आत्तं तश्शी दिसच्याक विशेष कारण आस्स, आनी तें कारण म्हळ्यारी, आमगेल्या नगर संस्थानाचॉ भूषण जावनू आशिल्लॉ राजरत्न नारायणपय्या हाक्का आयच्या शुभमुहूर्ताचेरी महामंत्री-पद दिंवच्यांतू येंवचें आस्स. आमगेलॉ भावी महामंत्री नारायणपय्या

ज्या अत्यंत बुध्दीमान जातीचॉ मुखंड्ड पुढारी, त्या सारस्वत ज्ञातीचॉ ह्या नगर संस्थानांतुलॉ ईतिहासू लक्षांतू घॅतल्यारी, आयच्या दरबारांतुल्या कार्यक्रमाचँ विशेष महत्त्व कॉणाकई दिस्सुनू यॅतलँ. पन्नास वर्सांमाक्षीं ही सारस्वत जाती परधर्मियांगेल्या जुलमामिती धर्मरक्षणेखात्तीर ह्या नगर संस्थानांतू अनेक थरा कष्ट भोग्गुनू निराधार म्होणू आयिली. राबूक आश्रय ना आनी प्रपंचाक आधार ना, असल्या परिस्थीतींतू आमगेल्या म्हालगड्यांक तांच्याविषयांतू करूण आयलँ. धर्मरक्षणेखातीर नर्कूथाई भोगुक तयार आशिलॅ हॅ सारस्वत दयेक पात्र अश्शी तांका दिसलँ, आनी आधार नातिल्या ह्या सारस्वतांक आश्रय दीवनूं प्रपंचा मार्गूई कोर्नूं दिल्लॉ. जाल्यारी ह्या निराश्रीत सारस्वतांतू नारायणपय्या असलँ पंडीत, मंजुनाथय्या असलॅ तर्कशास्त्री, देवपय्या असलॅ वीणाप्रवीण, आनी अनेक शास्त्रीपंडीत नी कलाकार आसतीद हँ आमगेल्या म्हालगड्यांनी त्यावॅळारी सॉपनांतूथाई लॅकनॅशिल्लँ. जाल्यारी ह्या बुध्दीमान सारस्वतांनी न्यायू, धर्मु आनी सत्य ह्या तिन्नीचेंई योग्य पालन कोर्नूं सॉपनांतू दिस्सनातिलँथाई प्रत्यक्षांतू खरँ कोर्नूं दाकईलँ, खॅल्लेल्या अन्नाक जागृत जाल्लॅ आनी आश्रय दिवनू आपणागेल्या धर्माक शाश्वती दितल्या नगराधिपतीगेलॅ उपकार योग्य रीतीनँ फिटोंवच्याक, इमानानँ सॅवा कोर्नूं नगर संस्थान भरभराटीक हाळ्ळँ! उपकार फिटोंवच्याक ईमानानॅ सॅवा कोरची हॉ कश्शी एक गुणू की, तश्शीची त्या सेवेचँ मॉल कोर्नूं शब्दांनी मात्र न्हई कृतीनेंई ताज्जी शिपारशीं कोरची हॉवई एक गुणूची, आनी हॉ सद्गुणू आमगेलॅ अन्नदाता आत्तं व्यक्त कोर्नूं दाकयतलॅ हँ विशेष. हाजेरी अन्नदातांक कस्लँ सांगचँ आस्स तँ आत्तं अन्नदातांगेल्या मुखांतुल्यानँ निवेदन जातलेंची, जाल्यारी प्रजे तर्फेनँ सारस्वतांक, आनी विशेषतः नारायणपय्याक, हांव आत्तं इतलेंची आश्वासन दित्तां की हॅ जरी ह्या नगरसंस्थानांतू ॲकळाक परस्थ म्होणू आयिलॅ, तरी आत्तं तॅ आमगेलॅ घरचेची जाल्याती, तावळी तांच्याबद्दल खंचेथराचँ वैमनस्य मनांतू हाणास्तना, तांगेल्या

कार्यांतू आमच्यालागीथावनू तांका पूर्ण सहानुभूती आनी सहाय्यूची मॅळतलॉ.

बस्वेश्वरः—आजी दरबारांतू जांवच्या कार्यक्रमाबद्दल प्रजांक कस्लॅं दिस्सुक फाव आस्स अश्शी आमका येदोळूथाई दिस्ताॅं, जाल्यारी आत्तं रामचंद्रय्याॅं सांगिलॅं आयकतची, आनी तांतूई ताॅं कट्टेरी दिलेलॅं आश्वासन आयकतची, नारायणपय्याक महामंत्रीपद दिंवच्या आमगेल्या निश्चयाक प्रजांगेली पूर्ण अनुमती आस्स हॅं कोळणू आमकां संतोष जाल्लॉ! नगराधिपती म्होणू आम्मी अधिकार चलयताती खरॅं, जाल्यारी खरॅं जावनू हॅं राज्य प्रजांगेलॅं, आनी आम्मी तांगेलॅं केवळ मत्तेसर जावनू आस्सती. प्रजांगेलॅं सूख हॅंची आमगेलॅं सुख; आनी तांगेलॅं दुःख हॅंची आमगेलॅं दुःख. माक्षी कालांतू क्षत्रिय रायाक राजकारणांतू सहाय्यू कोरुक एक महाज्ञानी ब्राम्हणू आस्तालॉ. प्रभू रामचंद्रागेल्या दरबारांतू वश्विष्ठमूनी, धृतराष्ट्रागेल्या दरबारांतू द्रोण विभूती, आनी शिवाजीगेल्या राज्यांतू रामदास स्वामी अशीची आनी कितलकी उदाहरण आस्सती, तशीची आमगेल्या दरबारांतू महाज्ञानी सारस्वत ब्राम्हणू नारायणपय्या आस्स. हॅं सर्व साधारण दरबाराचॅं जाल्लॅं. नगर संस्थाचॅं संस्थापक स्वर्गवासी शिवप्प नाईक हान्नी घालनू दिल्लेली परंपरा आनी रुढाचारू म्हळ्यारी नगर संस्थानाच्या महामंत्रीपदारी एकू ज्ञानी ब्राम्हणूची आस्काज; आनी त्या रुढाचाराक आनी परंपरेक सम जावनू नगर संस्थानाच्या महामंत्रीपदाक नारायणपय्या असलॉ सारस्वत ब्राम्हणूची योग्यू अश्शी आमकां दिशिल्यामितीची आम्मी आयचॉ कार्यक्रमू निश्चित कॅल्ला, आनी आमगेल्या ह्या निश्चयाक कॉणागेलॉ व्यक्तीशः आक्षेपू आसल्यारी तान्नी आत्तं सांगका अश्शी आमगॅली सूचना आस्स.

नंजुंडाः—अन्नदातांगेल्या निश्चयाक कॉणागेलॉ व्यक्तिशः आक्षेपू आसल्यारी सांगकाज अश्शी अन्नदातांगेली अप्पण जाल्या. हावॅं आतं सांगचॅं आयकूनू मगेलॅं तॉंड सान जाल्यारी हावॅं घॅवचॉ घासू होड्ड अशी

कॉणाकई दिस्सुक फाव आस्स, जाल्यारी हांवँ आत्तं सांगचॉ आक्षेपू प्रजेगेलॉ ....

बस्वेश्वरः—प्रजेगेलॉ आक्षेपू!

नंजुंडाः—होई महाप्रभो! प्रजेंतुल्या सान्न हॉडांथाई सारस्वतांबद्दल पुज्य-बुध्दी आस्स इतलेंची न्हई, ह्या सारस्वतांनी आमगेल्या नगरसंस्थानाच्चेरी हॉड्डु उपकारू कॅल्ला अश्शी लॅकतलेई मस्त आस्सती.

बस्वेश्वरः—तरी आक्षेपू म्हळेलॉ कस्लॉ आनी?

मुकण्णाः— अन्नदाता, महामंत्रीपद अॅका ज्ञानी ब्राम्हणाकची मेळचँ ही ह्या नगर संस्थानाची परंपरा नी रुढाचार, आनी अॅका सारस्वताक तँ महामंत्रीपद दिल्लेलमिती त्या परंपरेक बाधू यॅत्ता अशी प्रजा म्हणतां, अन्नदाता!

रामचंद्रय्याः—म्हळयारी हॅं सारस्वत ब्राम्हण न्हई म्होणचँ वॅ तुवँ?

मुकण्णाः—हांव कस्लेंई म्हणणा, रामचंद्रय्या! प्रजेगेलॉ अभिप्रायू माका सम सांगू कळ्ळॅं इतकी. अर्थाचॉ अनर्थ जांवनय्यँ इतलीची मगेली प्रार्थना. प्रजांगेलँ सुखदुःख तँची अन्नदतांगेलँ सुखदुःख, अश्शी आत्तं मात्र महाप्रभोनीं जाहीर कॅल्लँ, तावळी प्रजांगेली मनोभावना दुकोवनू खंचेई विपरीत कॅल्यारी, राज्यांतू गलाटॉ सुरु जायद म्हळेल्या भय्येनँ ही खबरी सांगचँ धैर्य कॅल्लँ, महाप्रभो.

बस्वेश्वरः—अश्शी जरी आशिलपक्षाक ह्या खबरीचॉ योग्य विचार कोरच्च अवश्य आस्स. नारायणपय्या, ह्या विषयांतू आत्तं तुवेंची आमकां मार्गदर्शक जांवका.

नारायणपय्याः—महाप्रभो, हॉ अकल्पित आनी निराधार आरोपू आयकुनू आमगेल्या सारस्वतांगेल्या मात्यारी आकाशूची कोसोळणू पळेल म्हणके जाल्यां. आम्मी सारस्वत ब्राम्हण न्हई अश्शी आमचेरी अप्रत्यक्ष आरोपू कोरच्यातू आयला. हाजॉ स्पष्ठ अर्थू अश्शी जात्ता की अब्राम्हण

आस्सुनूई इतलीं वर्से आम्मी ब्राम्हण म्होणू असत्य उलोंवनू अन्नदातांगेल्या आनी अन्नदातांगेल्या उदार प्रजांगेल्या दोळ्यांतू धूळी घालचँ नीच कृत्य आम्मी सारस्वतांनी कॅलँ. अन्नदाता, आरोपू सौम्य आसॉ अथवा नीचू आस्सॉ, तॉ सिध्द कोरूक भरपूर पुराव्या जरूरी आस्ता. तावळी आम्मी ब्राम्हण न्हई हाका पुरावॉ कसलॉ प्रजांगेलॉ?

बस्वेश्वरः—मुक्कण्णा, नारायणपय्यागेलँ म्हणणँ आत्तं तुवेंची आयकल्यां! तावळी तांगेलॉ आक्षेपू वैमनस्या परिणामू न्हई म्होणूक प्रजांगेलॉ आधारू कस्लॉ!

मुक्कण्णाः—अन्नदाता, प्रतिएक जातीक आनी तांतूई ब्राम्हण वर्गाक नेमस्त धर्मगुरू आस्काजची अश्शी धर्माज्ञा आस्स. हॅ सारस्वत आजी पन्नास वर्से ह्या नगरांतू आस्सती, जाल्यारी तांगेलॉ गुरू कॉण आनी खंई आस्सती, मठू खंई आनी कश्शी आस्स, हँ तांगेलॅ तॉंडांतुल्यानँ अजुनिकेई कॉणेई आयकनँ आनी भगीरथ प्रयत्न कोर्नूई अजुनिके कॉणाकई समर्पक खबरी मॅळनॅ. त्यामिर्ती हॅ सारस्वत धर्मगुरू विहीन अश्शी प्रजेक दिसता, अन्नदाता.

नारायणपय्याः—महाप्रभो, आम्मी सारस्वत धर्मगुरु विहीन नाती. आद्य श्री शंकराचार्यांगेल्या आज्ञेनुसार श्रीमत् सुरेश्वराचार्यां नंतरचॅ चारी गुरु सारस्वतचीशिलॅ, आनी आद्य श्री शंकराचार्यांगेली पिठीका चोलोंवचॉ अधिकारू ब्राम्हण जावनू आशिल्या उच्च वर्णियाविना दुसऱ्या कॉणाकई ना हँ विसोरनू चलशना. आमगेलॅ गुरु आस्सती, जाल्यारी इतलेंची, आम्मी सारस्वत मूळ काश्मीरांतथावनू अनेक थरांच्या संकटांक तॉंड दित्तची अनंत वर्सां मार्क्षीं गॉयेंतू आयिलॅ, आनी गॉयँयावनू हांगा येवनूची आजी पन्नास वर्से जाल्लीं, त्यामितींची आमगेलॅ धर्मगुरु अमकेकडे आस्सती अश्शी वॉट दाकोवनू सांगचँ आमचेमितीं साध्य ना.

बस्वेश्वरः—जाल्यारी आद्य शंकराचार्यांगेल्या कालांतुलॅ सारस्वत आनी आजी नगरांतु आशिल्लॅ सारस्वत एक्कची हाज्जो पुरावॉ आस्स वॅ?

नारायणपय्याः—महाप्रभो, तांगेलॅं आचार-विचार तॅंची आमगेलेई आचार-विचार, तांगेलॅं नित्यकर्म तॅंची आमगेलॅंई नित्यकर्म, तांगेलॅं संध्यासंस्कार तॅंची आमगेलेई संध्यासंस्कार आनी तांच्या म्हणकेची आमगेलॅंई वेदविद्येंतू प्राविण्य हाज्याकई होडू पुरावॉ खंचॉ मॅळतलॉ?

बस्वेश्वरः—रामचंद्रय्या, ह्या विषयाचेरी तुगेलॉ कसलॉ अभिप्रायू?

रामचंद्रय्याः—अन्नदाता, ह्या नाजूक विषयाचेरी कस्लॉ अभिप्रायू दिंवका हॅंची माका कळनाशॅं जाल्या. हॉ सारस्वतांचेरी न्हई, प्रत्यक्ष मगेल्या मात्यारीची वज्राघात जालेलम्हणकॅं जाल्यां माका. हॅं सारस्वत खरॅं ब्राम्हण आनी त्याखात्तीरची तांका गुरु आस्काती अश्शी मगेलॅं मन माका साक्षी दित्ता. ॲक दिकानॅं सारस्वतांगेळी योग्यता, आनेक दिकानॅं सर्वसाधारण प्रजांगेलॅं समाधान कोरचॅं ह्या आडकात्रेंतू सध्याक हांव शिरकलां. खंचेई ॲका नाजूक वादांतू आमकां खंचेई "न्हई" म्होणू सिध्द कोरचॅं आसल्यारी "तॅं न्हई" ह्या तत्त्वाचेरी आम्मी वादू कोर्नू, ताजेरी आम्मींची प्रतिवादू कॅल्यारी खरॅं आशिल्लॅं नाका म्हळ्यारी भायर पडता, आनी ह्याखात्तीरची "सारस्वतांक धर्मगुरु नाती आनी त्यामितींची तॅं ब्राम्हण न्हई" अश्शी गृहीत धोर्नू हांव चर्चा करतां, आनी मगेलॅं सारस्वत बंधू ह्याविषयांतू माका उदार अंतःकरणानॅं क्षमा करतलॅं अश्शी माका खात्री आस्स. आद्य श्री शंकराचार्यांगेल्या कालांतुल्या सारस्वतांक गुरु आशिल्ल हॅं ऐतिहासिक सत्यची, तावळी त्या कालांतुलॅं सारस्वत आनी आयचॅं नगरांतुलॅं सारस्वत एकची अश्शी सिध्द कोरुक तांगेलॅं आचार विचार, नित्यकर्म, संध्यासंस्कार आनी वेदविद्येंतू प्राविण्य हॅं एकची हॉ पुरावॉ नारायणपय्यानॅं दरबारामुखारी दवरला. हाजेरी—अन्नदाता चर्चेपुरतॅं—मगेलॉ वादू अश्शी,—कोकीळ पक्षी काळॉ आसता म्होणू काळॉ आशिलॉ कायळोई कोकीळ पक्षी ठरना, तशीची हंस धंवॉ आसता म्होणू सगळॅं धंवॅं पक्षी हंसची अशी गृहीत धोरू जायना, "पुष्पाणां अणुषंगेण सूत्रो शिरसि धार्यतेः" फुलांसांगाती वायुइ मात्यांतू माळणू

घॅत्ताती, ईतलेखात्तीर वाय्याक फुल्लां महत्त्व दिंवचैं अयोग्य टरद.

नारायणय्या:—महाप्रभो, ज्या उद्देशानँ रामचंद्रय्यानँ आत्तं वादू सुरू कॅल्ला; त्या उद्देशाखात्तीर सारस्वतांचेरी तान्नँ होड्ड उपकारू कॅल्ला, अश्शी हांव समजतां. वादू कोरूक रामचंद्रय्यानँ कोकीळ, कायळॅ आनी हंस अश्शी पक्षांगेली उदाहरणं अन्नदातांमुखारी हाळ्यांती. जाल्यारी ताक्काई मगेलँ उत्तर आस्स! महाप्रभो, आत्तं ह्या दरबारांतू जो वादू चलला तॉ आमकां सारस्वतांक दार्कोवच्याक धर्मगुरु नातिलमिती आम्मी ब्राम्हण होई की न्हई हाजेरी, म्हळ्यारी ब्राम्हणत्वा असल्या पवित्र विषयाचेरी. तावळी ह्या पवित्र विषयाची चर्चा कर्तना अपवित्र कायळ्यागेलँ उदाहरण दिंवच्यापेक्षां, ह्या वादांतू भगवद्‌गीते असल्या पवित्र ग्रंथाचॉ आधारू दिल्यारीची ह्या चर्चेक गंभीर स्वरूप यॅद अश्शी माक्का दिसता.

बस्वेश्वरः—गीतेंतू आधारू कस्लॉ दिल्ला?

नारायणपय्या:—महाप्रभो, श्रीकृष्णानँ गीतेंतू सांगल्या कीं "चातुर्वर्ण्यं मयासृष्टयं गुणकर्म विभागशः" म्हळ्यारी ब्राम्हण, क्षत्रिय, वैश्य आनी क्षूद्र अशी चारी जात्यॉ निर्माण कोर्नू प्रत्येक जातीक तॅ तॅ गुणकर्म वांटुनू दिल्याती आनी तॅ गुणकर्म खंचॅ हॅं हांवँ विस्तार कोर्नू सांगकाजची अश्शी रामचंद्रय्या चर्चेपुरतँ सुदांई म्हणशना अशी माक्का खात्री आस्स. आजी नगरांतू आशिल्लॅ सारस्वत जल्माने मात्र न्हई गुणकर्मानेई ब्राम्हणची. तावळी आद्य श्री शंकराचार्यागेल्या कालाचॅ आनी आयचँ नगरांतुलॅ सारस्वत एक्कची हाक्का आनी कस्लोई चड पुरावॉ जांवका अश्शी माक्का दिस्सना.

रामचंद्रय्याः—अन्नदाता, नारायणपय्या असल्या पंडीतानँ दिल्लेलॉ गीतेंतुलॉ आधार चुक्कीचॉ म्होणचँ कॉणाकई धैर्य जायशना. चारी जात्यॉ निर्माण कोर्नू तॅ तॅ गुणकर्म वांटुनू दिल्याती अश्शी नारायणपय्या आत्तंची म्हणालॉ. जाल्यारी आद्य श्री शंकराचार्यागेल्या कालाच्या

सारस्वतांगेलॅ, तशीची बाकी सर्व ब्राम्हणांगेलॅ गुणकर्म म्हळ्यारी संध्यासंस्कार नी वेदविद्येचें पालन कोर्नू सनातन धर्माचॅं संरक्षण कोरचॅं. तावळी तॅ गुणकर्म सोणणू नगरांतुलॅ आयचॅं सारस्वत राजकारणांतू इत्या रिगलॅ हॅं नारायणपय्यानॅं सांगल्यारी ह्या वादाचॉ थॉड्याभित्तरी निकालू लाग्गद अश्शी माक्का दिसता.

मंजुनाथय्या :—अन्नदाता, हॉ प्रश्न विचारतनां महाभारतांतुलॅं द्रोणाचार्यांगेलॅं उदाहरण रामचंद्रय्या विसरनॅं अश्शी माक्का खात्री आस्स. द्रोणाचार्यांगेलॉ जल्मू ब्राम्हण कुळांतू जाल्लॉ, जाल्यारी मुखारी तान्नॅं क्षत्रियवृत्ती धारण कोर्नू कौरवांगेलॅं सेनापतीत्व स्विकारलॅं. क्षत्रियवृत्ती स्विकारली म्होणू द्रोणाचार्यानॅं ब्राम्हणांगेलॅ गुणकर्म सॉणणेती तशीची राजकारणांतू रिगलॅ म्होणू आमगेलॅ गुणकर्म आम्मी सॉणणेती. क्षत्रियवृत्ती स्विकारली म्होणू द्रोणाचार्याक ब्राम्हण न्हई म्होणचॅं कितलॅं अन्यायाचॅं जायद तितलेंची राजकारणांतू रिगलॅ म्होणू अमकां ब्राम्हण न्हई म्होणचॅं अन्यायाचें जायद, आनी आजी प्रजेक दाकोंवच्याक आमगेलॅ गुरू खंई आस्सती हें गोत्तु नातिल्या आमगेल्या अज्ञानामिती सारस्वतांगेली जाती गुरूविहीन म्होणचॅं ताज्याकई अन्यायाचॅं जायद.

बस्वेश्वरः—नारायणपय्या, तुम्मी दिल्लॉ आधारू आमगेल्या अंतःकरणाक पटता, जाल्यारी आजी मुख्य प्रश्न म्हळ्यारी तुमकां सारस्वतांक गुरू आस्सती हाज्जी प्रजेक खात्री कोरनूं दिंवची, आनी तांगेलॅं समाधान जावचॅं. तावळी, नारायणपय्या, तुमकां गुरू आस्सती म्हळ्ळेल्याक प्रत्यक्ष पुरावॉ दिंवकां पडतलॉ.

नारायणपय्याः—अन्नदातांनी सांगिल्लॉ पुरावॉ दिंवच्याक आमगेली पूर्ण तयारी आस्स.

बस्वेश्वरः—नारायणपय्या, आम्मी आत्तं कस्लॅं सांगचॅं आस्स की, ताजॉ अर्थू सारस्वतांगेलॅ मॉल आम्मी कम्मी करताती अश्शी न्हई. नगर संस्थानाच्या परंपरेखात्तीर, प्रजांगेल्या समाधानाखात्तीर आनी तुमगेल्याची बरेपणाखात्तीर आजी धोर्नू तीनी म्हईन्याभित्तरी तुम्मी तुमगेल्या गुरुंक

हांगा नगरांतू हाणणू आमकां दर्शन दिवोंवका. तेदोळवरेके तुमगेल्या सारस्वतांगेल्या हातांतू आत्तं कितलॅं अधिकार आस्सती तॅं पुराई काणणू घेंवच्यांतू यॅतलॅं.

अनंतः— —आनी तीन म्हईन्याभित्तरी आम्मी आमगेल्या गुरुंक हांगा हाणणू दर्शन दिवयल्यारी मूखारी कस्लॅं, अन्नदाता?

बस्वेश्वरः—तावळी तुमगेलॅं पुर्व अधिकार वापस तुमकांची दिवच्यांतू यॅतलॅं, आनी महामंत्रीपदई तुक्काचि मॅळतलॅं [उटायता]

भालदारः—न्यायापालक कॅळदीकुलदीपक धर्मरक्षक कर्नाटक कंठीरव बस्वेश्वर महाराज. [वत्ताती, ताज्यामाक्षीची बस्वेश्वर वत्ता.]

रामचंद्रय्याः—नारायणपय्या, महाप्रभोंगेली इच्छा, ताक्का कॉण इत्तॅं करतलॅं? [वत्ता. ताज्या सांगाती मुक्रणा नी नंजुंडा वत्ताती

मंजुनाथः—महाप्रभोंगेली इच्छा? [वोंचूक कोर्नू] दाकईता, कॉणागेली इच्छा म्होणू.

नारायणपय्याः—[मंजुनाथाक आड्डावनू] राव, मंजुनाथय्या, मात्तॅं तापोवनूं घेंवचॉ हॉ वेळ न्हई! ॲका तासाभित्तरी हेदीकाचॉ सुर्यू तेदिकानॅं जाल्ला. तीन म्हइन्याखात्तीरपुणी आम्मी सारस्वत ह्या नगरांतू कवडीमॉल जाल्याती. तॉंड आस्सुनू उलोंवचॅं ना, दॉळॅ आस्सुनू पोळोंवचॅं ना आनी कान आस्सुनू आयकुंवचॅं ना हॅं तत्त्व मनांतू घट्टी धोरका, आनी शांत चित्तानॅं मुखवेलॉ विचार कोरका? [मंजुनाथय्याक घेवनूं वत्ता]

अनंतः— मानव जातीक क्षणांतु हासूक आनी क्षणांतु रोडूक लायतल्या प्रालब्धा, तूं खंच्या तत्वाचेरी चलता हॅं कॉणामितीं सांगू जायशना.

[रागः—जोगीया तालः—आधा धुमाळी]

शरणा विधीलेखा दैवा
अगम्य तव कृती मानवां ॥ घृ ॥

नकळत ज्ञानां तव चंचलता
न्यायनिवाडा मूढची ठरता
अगम्य तव कृती मानवां ॥१॥

[पडदॉ पडता]

प्रवेशु चवथॉ

स्थळः—रस्तॉ

रामचंद्रय्याः—पाय्याक खोंबिलॉ कांटॉ अश्शी काडकां! हात्तानँ ताणणू यॅना जाल्यारी कांट्यानँ, आनी कांटॉ उपयोगाक पणणा जाल्यारी सुवेनँ!

नंजुंडाः—"शक्तिनँ जँ कांई असाध्य तँ युक्तिनँ जात्ता साध्य" अश्शी म्हणतांती तँ कांई फट्टि न्हई!

रामचंद्रय्याः—आत्त पळयाती त्या सारस्वतांक ह्या राज्यांतूथावनू कश्शी भायर घालता म्होणू! ब्राम्हण म्हळेल्या जॉराचेरी आडारापेक्षां बिडार घट्टी कोरूक पळयतालॅ. आत्तं तीन म्हईन्याभित्तरी दर्शन दिवोती तांगेल्या गुरूक हाणणूं!

मुक्कण्णाः—गुरु आसल्यारी न्हई वॅ हाणणू दर्शन दिवयतलॅ?

नंजुंडाः—बाकी, रामचंद्रय्या, तुक्का मात्र खरॅंची शिपारशी दिवका. आम्मी सर्व कोरचँ कोरनूई त्या पाप प्रजेक पाड नावां भद्र ठरयलँ!

रामचंद्रय्याः—आमगेल्या भॉळ्या रायापुरतँ तश्शी कॅल्लँ खरँ, जाल्यारी नारायणपय्या कांई भॉळॉ न्हई! हँ कपटकारस्थान आमगेलेंची हँ तॉ लेकिलविना राबशना.

नंजुंडाः—तॉ नारायणपय्या कस्लँ लॅकता हँ घेवनू आमकां कस्लँ कोरचँ आस्स? तॉ आत्तं कस्लॅ करता हँ मात्र पोळोंवचें बाकी वरल्यां.

रामचंद्रय्याः—नारायणपय्या कस्लँ करता हँ पोळोंवच्या ॲकळाक आम्मी कस्लँ कोरका हँ ॲकळाक पोळोंवचँ जरूर आस्स. रायागेलँ मन

कलुषीत कोरूक गुरुविहीन सारस्वतां हातांत् अधिकार दिलेलमिती प्रजा असंतुष्ट आस्स अश्शी सांगुनू वेळ मारनू व्हेल्लॉ खरँ, जाल्यारी सारस्वतां-बद्दल प्रजा खरेंची असंतुष्ट आस्स हँ प्रत्यक्षांत् दिसनातल्यारी रायागेलॉ आमचेरी आत्त बशिल्लॉ विश्वासू कायमचॉ उडुद!

नंजुंडा:—आनी तश्शी जाल्यारी मात्र ह्या सारस्वतांगेली आमकां अखंड गुलामगिरी कोरका पडतली. हाजेरी आत्तंची कांईपुणी उपायू सोद्दुनू काडका.

मुक्कण्णा:—तांत् कस्लँ भारी हॉड? सर्व साधारण प्रजेंत् खंचाई सत्कार्या प्रचारू कोरूक वेळ लागता आनी प्रयासई तशी पडताती, जाल्यारी कॉणाच्याई विरूध्द असमाधाना प्रचार कोरूक कांई वेळ लागना आनी विशेष प्रयासई कोरका पणाती.

रामचंद्रय्या:—मुक्कणा, दिवाळी दसऱ्याक तुगेल्या तौंडातथावनू खंई पुणी एकएक शब्दू भायर पडता, जाल्यारी दिवाळी दसऱ्या इतलेंची ताजँ महत्व आसता. शाबास! हँ सारस्वत ब्राम्हण न्हई हँची घट्टी कोरनू रायाम्हणकेची प्रजांगेलँ मन कलुषीत कोरका.

नंजुंडा:—आनी तँ इतलँ जांवका कीं सारस्वतांक हांगा राबचँ सुदांई असाध्य कोरका.

रामचंद्रय्या:—ताक्का एकूची उपायू आस्स. सारस्वतांक कॉणेई रीगि दिवनयँ, तांच्यांदिक्कानँ कॉणेई पोळोंवनयँ इतलँ जांवका. म्हळ्यारी तांचेरी सर्व थरांनी कडक बहिष्कार घालका. नंजुंडा, हँ इतलँ सगळँ कोरूक वेळ चड ना, तावळी आम्मी कामं वांटुनू घेंवकाती. प्रजांगेलँ मन कलुषीत कोरचँ काम तुवँ आंगारी घेंवका. आनी तांगेलँ मन कलुषीत जात्तची ताजॉ फायदॉ घेवनू रायागेलँ मन आनी चड कलुषीत कोरचँ काम हांव आंगारी घँत्तां. आनी, मुक्कण्णा, तूं.........! राब, तुकां आत्तंची कस्लेंई काम सांगना. अनपेक्षीत कस्लेंई इद्रारी आयल्यारी तुजअसलॉ ॲकळॉ रित्तॉ आस्काज.

नंजुंडा:—जाल्यारी इतलँ सगळँ कोरूक मगेल्या तंडाच्यांक हावँ सांगताक घेंवका पडतलँ!

रामचंद्रय्या:—तुगेल्या तंडाक सांगाती घॅ, आनी तितलींच जरूरी पळयारी गांवतुल्या पुंडांक नी गुंडांकई सांगाती घॅ; आनी ह्या सारस्वतां-विरुद्ध चळवळी सुरू करी. सारस्वतांगेली जाती विधर्मी, परदेशी, कपटी, कुतंत्री, ह्या कर्नाटकांतू नालायक, एक नी दोनी! हजारों नांव घालनू जारीनँ प्रचारू कोरूक सांग. केरींतू वोचून सांगाती, चौकमार्गारी उबोवनू डांगोरू पिट्याती, किल्यारी चोणणू बॉब मान्याती की ह्या सारस्वतांक गुरु ना, ह्या सारस्वतांक मठू ना. इतलँ आस्सुनूई हँ स्वतःक उच्चवर्णाचँ म्होणोवनू दरबारा अपमानू करताती, प्रजेगेल्या दॉळ्यांतू माती घालताती, दॅवंळमंदीरांतू भ्रष्टाकारू चलयला आनीं अनादि कालाथोनूं चलत आईल्या आमगेल्या पवित्र सनातन धर्माचँ खंडन करताती.

नंजुंडा:—रामचंद्रय्या, ह्या विषयांतु तूं निश्चित राब. तुगेल्या तालमींतू वाडिल्लॉ हॉ नंजुंडा मॅलेल्या आवसूगेलँ दूद पीनँ.

रामचंद्रय्या:—शाबास! इतलँ जाल्यारी नारायणपय्याक दिलेल्या तीन म्हईन्या वायद्याभित्तरी सारस्वत म्हळ्ळेलॅ बॉट दाकोंच्याक थायि वरश नाति-वच, वेळु घालोच्नाका.

[रामचंद्रय्या आनि नंजुंडा वत्ताति. मुकण्णा दुसऱ्या दिक्काने थान्तु वत्ना, रवळु येत्ता.]

मुकण्णा:—ओहो! रवळय्या, खंयिरॅ!

रवळु:—हांगाचि.

मुकण्णा:—इत्याक?

रवळु:—म्हळ्यारि?

मुकण्णा:—इत्याक भायर सलों म्हळ्ळँ?

रवळु:—भित्तरि सरूक जायना म्होणु. आनी कस्लेंयि विचाचँ आरसवॅ? सांगता. खंयिं म्हळ्यारि, माम्माथंयिं. इत्याकी म्हळ्यारि जॅवणाक. कस्लँ जॅवण म्हळ्यारि

श्राद्धा जॅवण. कॉणागेलँ श्राद्ध म्हळ्यारि तागेल्या आन्नागेलँ. तागेलॉ आनु कोणु म्हळ्यारि मगेलॉ आजॉ. जालॅवँ समाधान ? आनी विचार्नाक्का.

मुक्कण्णा :—आवो ! भारि बुद्‌वंत बाल्लॉमरॅ !

रवळु :—भारि कांइ ना. तकमट्टाक.

मुक्कण्णा :—रवळनाथय्या, मगेलँ एक काम कोर्का पळॅ तुवँ ! महत्वाचँ. तुज्जानंता जायना तँ.

रवळु :— वा ! वा ! मगेलँ महत्व तुक्का मात्र कळ्ळँ पळॅ. हावँ लग्न जाव्नु आट वर्से जाल्लि. जाल्यारि मगेल्या बायलेक अजुनीकयि मगेलँ महत्व कळने पळॅ.

मुक्कण्णा :— आरेरॅ ! पाप !!

रवळु :— अश्शी पाप न्हयि. भोऽ पाप. हांवं तिगेलॉ बाग्मूणु, म्होणूचि घारा आस्सं. साळगीं खुंट्याक बांदिल्लि सुंवा दोरीशि. हांवं तिक्का प्रीति कर्ता म्होणु, एकु दिवसु चुकनु सुदांइ ती मजलागि समाधानारि उल्लैंनॅ. तिगेलॉ अभ्राट सुरु जाल्लो की, हांवं, हांतुळा कवळ्या म्हणकें गुडलि जाव्नु पडतां. तरी ती माक्का सॉण्णा. दक्षिणा हाडि, तांदूळु हाडि, दाळि हाडि, म्होणु धांवडाय्ता.

मुक्कण्णा :— तूं धांवता म्होणु ती धांवडाय्ता. व्हयिरॅ रवळु, तूंवँ तिक्का गोमटायेरि तुगेलि स्थिति सांगका.

रवळु :—सांग्लँ एकु दिवसु ! हे मगेल्या बायले, हांवं तुगेलॉ एकळॉचि बाग्मूणु. माक्का उल्लोंनाक्का. तूं मगेलि अर्धांगि, आनी हांवं तुगेलॉ पूर्णांगु. म्होणु मोग्गानॅ सांग्लँ.

मुक्कण्णा :—तरी गप्प जायने ?

रवळु :—पयलँ गप्प जाय्ने. जाल्यारि माग्गिर गप्प राबली.

मुक्कण्णा :—तँ करिशि ?

रवळु :—एकु दिवसु, तिगेलॅ कर्कर आय्कलॅ, आयकलॅ, माग्गीरि माक्का कोपु आय्लॉ. तिज्जेरि न्हयि, देवाचेरि. देवाक सांग्लँ, हे देवा, मुखावेल्या जल्मांतु पुणी माक्का बायल करि, आनी हिक्का मगेलॉ बाग्मूणु करि. तित्लँ म्होणचँ भित्तरि ती माक्का उमती पांय पळिळ.

मुक्कण्णा :— म्हळ्यारि ?

खलु :— म्हळ्यारि कस्लें ? तिन्नें माका पांय पोडूक सुरु केल्लॉ. आनी हांवें तिक्का पांय पोडचें त्या दिवसु धोर्नु राब्लें.

मुक्कण्णा :— आस्सॉ. तुगेलॉ अनुभवु कोणेयि घेंव्चोसारखॉ आस्स. वरॅं म्हगेलें काम केदना कर्ता तें ?

खलु :— कस्लें काम तें !

मुक्कण्णा :— बॉंब मार्चें !

खलु :— आं ! आत्तं होळी पुन्नवे ?

मुक्कण्णा :— न्हयि. सारस्वतांगेलो सर्वनाशु कोरूक, केरींतुं वचूनु, किल्ल्यारि चोण्णु बॉंब मार्का, की सारस्वतांक गुरु ना, मठु ना, तें ब्राह्मण न्हयि अशि. तश्शीचि तांका बहिष्कारु घाल्का म्होणु.

खलु :— तित्लेंचिमरे ? अशिशऽ निचोळनु बॉंब मार्तो की तोंडावेलॅ नऽर वाळी देंटशें दिस्काति.

मुक्कण्णा :— तित्लें निचोळ्नाक्का ! पंचाय्ति जाय्द.

खलु :— जाय्द. केद्नाधोर्नु बॉंब मार्का, सांग. सुरु कोरुंवे !

मुक्कण्णा :— हांगा नाक्का. फायि सकाळि धोर्नु सुरु कोर्येद.

खलु :— तशि जाल्यारि, आन्नेक फंतां तूंवें माका दरबाराक व्हर्का.

मुक्कण्णा :— आजि सकाळि दरबाराक येव्नु कस्लें केल्लें ?

खलु :— रायाक पळैत बस्लॉं.


मुक्कण्णा :— रमणु येत्तचि आस्स पळ. हांवं वत्तां. फायि मेळूक विस्सोर्नाका. [वत्ता.]

रमणु :— (भित्तरि थाव्नु) खलु, ए खलु. [भाषयितचि येत्ता.]

खलु :— ओ रमणु.

रमणु :— खळय्या !

खलु :— ओ रमणय्या.



रमणु :—घातु जाल्लो!

रवळु :—अय्यम्मा! (धांवच्याक कर्ता.)

रमणु :—तुका न्हयिरे. राब. आमगेलो सारस्वतांगेलो घातु जाल्लो.

रवळु :—केद्दा? खंयिं?

रमणु :—दरबारांतुं.

रवळु :—आरे, आम्मि थंयींचि आरिशल्लेंमरे?

रमणु :—भर्तायेक. राजकारण आम्कां खंयिं कळता? सांग. अनंतय्या म्हणालॅ, सारस्वतांगेल्या हात्तांतुलॅ अधिकार काण्णु घेत्लॅ खंयिरॅ!

रवळु :—हात्तांतुलॅ अधिकार म्हळ्यारि?

रमणु :—अधिकार म्हळयारि तॅं...की?

रवळु :—तॅं न्हयिरॅ हॅं--हात्तांतुलॅ अधिकार म्हळ्यारि एकु वस्तु आस्का. आनी तॉ वस्तु काण्णु घॅत्लॉ.

रमणु :—आस्सूक फाव आस्स. पट्टिखाऊ, पापडखारु, अश्शी कांयितरी आस्का.

रवळु :—अगदी बरोबरि. हात्तांथाऽनु, तॉ अधिकारु काण्णु घॅत्लॉ म्हळ्यारि, खंच्या हात्तांतु धर्लेलॉ आस्का?

रमणु :—दाव्या हात्तांतु आस्का. काडूक ससार.

रवळु :—ह्या विषयांतुं, आम्मि बरीचि चौकशि कोर्का. आत्तं आम्मि दरबारांतु वच्यां. थंयिं खंयीं पळ्ळेलॉ आसल्यारि काण्णु घेव्यां, यॉ.

रमणु :—जाय्द. [दोग्गयि वत्ताति.]

प्रवेशु पांचवॉ

स्थळः—नारायणपय्यागेलॅं घर.

अनंतः—मंजनाथय्या, ह्या संकटांतथावनू भायर पॅडूक तूं पुणी कांई उपायू सोद्दुनू काडा.

मंजुनाथः—उपायू? उपायू सोद्दुनू काडचॅं मगेल्या शक्तीभायर गॅल्या,

दॉळॅ बांदुनू भयंकर अरण्यांतू होरनू सॉळेलम्हणके जाल्यां माक्का. शिव शिव! सकांळी उटायतची कितल्या हुरुपारी ईश्वरा दॅवळांतू वोचुगॅलेलॅ? आनी कितल्या उमेदीरी दॅवळा-सुतवाचॉ शृंगार करतालॅ? ईश्वरी इच्छा मानवी निर्धाराआड यॅत्ता हॅंची सत्य! सकांळी आम्मी तयारी कॅलेली कस्ली आनी दॉनफारांभितरी अनपेक्षित संकट आयलॅं कस्लॅं? हर हर!

अनंतः—मंजनाथय्या, मनुष्यां म्हणकेची दॅवागेल्या घरांतूसुदांई अन्यायू जात्ता अशी तूं माक्का सकांळीची सांगतालॉ, ताज्री सत्यता माक्का आत्तं पटलीं!

नारायणपय्याः—अनंता, दॅवानॅं कोरच्या कृत्यांक न्यायू-अन्यायू म्होणचॅं अथवा ठरॉवचॅं मनुष्यांगेल्या योग्यते भायर आस्स. अन्यायाक नी असत्याक दॅवागेल्या घरांतू जागोची ना.

मंजुनाथः—नारायणपय्या, तूं मज्याकई म्हालगडॉ आनी अनुभवी, तावळी तुजलागी वादू कोरची मगेली पात्रता ना, जाल्यारी माक्का इतलेंची सांग, की न्यायारि नी सत्यारि दिवस काडतल्या आमकां सारस्वतांक, अश्शी कष्ट नी दुःख फाट्टांक लांवचॅं हाक्का कॉणेई दॅवागेल्या घरचॉ न्यायू म्होणू म्हणद की?

नारायणपय्याः—मंजुनाथय्या, आजी सकांळींची हांवॅं तुमकां कस्लॅं सांगिलॅं? हरीश्चंद्राम्हणकेची आमगेल्या सारस्वतांगेली सत्वपरीक्षा देवू पळयतालॉ हॅंचीं न्हंई वॅ हांवॅं म्हळेलॅं? त्या सत्वपरिक्षेंतू उतीर्ण जांवच्याक हॉ एकू विषय वर्लेलॉ, आनीं त्या विषयांतू देवू आत्तं आमगेलीं परिक्षा घॅतची आस्स. आत्तं इतलेंची, दॅवानॅं विचारल्या प्रश्नाक उत्तर सोट्टुनू काडचॅं आस्स आम्मी.

मंजुनाथः—उत्तरपुणी कश्शी सोट्टुनू काडचॅं? दरबारांतू आमचेरी कॅलेलॉ फट्टी आरोपू रायागेल्या मनांतू इतलॉ घट्टी बयसुनू गॅल्ला, की वल्या वणतीरि फात्तोरू मारल्याम्हणकॅ जाल्यां इतलेंची न्हंई ताज्याकई मुखारी गॅल्यां.

वल्या वणतीरि फात्तोरू मारल्यारी तॉ वणतीकची खिन्चुनू बसता, जाल्यारी हांगा तॉ पोटजाळांनी मार्लेलॉ फात्तोरु वणति भेत्तुनू भित्तरी रिगला आनी आमगेल्या मात्याकची येवनू आदळ्ळा.

नारायणपय्याः—फात्तोरु मात्याक आदळ्ळा म्होणू मात्तँ तापोवनू घॅवच्यांतू काई फायदॉ ना! मात्तँ थंड दवोर्नु विचार कर्नातल्यारी तँ फुटीलँ मात्तँची आमगेल्या सारस्वतांगेल्या नाशाक कारण जायद! मंजनाथय्या, अनंता, घारा आयिल्यांक वच म्होणू सांगचँ हीं कांई गृहस्थवाळीक न्हई! जाल्यारी प्रत्येक नॅमाक अपवादू हॉ आस्ताची. तावळी हॉ अपवादू लेकुनू हांव तुमकां विनंती करतां कीं आत्तं तुम्मी वचाती. ह्या संकटांतू थावनू भायर पोड्डूक माक्का शांत मनानँ विचार कोरुक फुरसती दिय्याती. प्रजांगेलँ नांव मुखारी घालनू दरबारांतू कॅलेल्या आरोपाक रामचंद्रय्या आनी नंजुंडाची कारण हँ कळणाजांवच्या तितलॉ भॉळॉ न्हई हांव. दुसरँ कॉणेई आसल्यारी तांका तॉंड दिवचँ कष्ट न्हई, जाल्यारी रामचंद्रय्या नी नंजुंडा असलॅ वारँ नी उब्जो अॅकडॅ मॅळयारी मात्र कठीण, आनी मुकण्णा असलँ तॅल नी कापूरू सांगताक मॅळयारी तँ कर्म ताज्याकई कठीण! तावळी आत्तं वचाती आनी तांगेली आनी कस्ली कपटकारस्थानं चलताती हाजॉ तपासू काण्णू माक्का कळयाती. [मंजुनाथ आनी अनंत वत्ताती] दॅवा भगवंता, उभ्जत लॅगनँ असल्या संकटांक तॉंड दिवचँ मगेल्या हाड नी मासांतू मुरल्यां, जाल्यारी असल्या संकटांच्या सांवलॅंतूसुदांई उब्रोवनू अभ्यास नातिल्यां सारस्वतांगेल्या आयच्या पिढीक कसल्याक तुवँ ह्या संकटांतू घालँ.

लक्ष्मीः—[प्रवेशू कोर्नू] इतँ? हांगा चिक्कं पोळोंवचँ!

नारायणपय्याः—आं? कस्लँ म्हणाली?

लक्ष्मीः—माक्का वाईट दिस्सद म्होणू मन घट्टी कोर्नू वट्टारी हासॉ हाडयलॉ? सकांळी देवस्थानांतुथावनू भायर पडतची घारा यॅवच्याक फुरसती ना म्होणू जॅवनास्तनाची दरबाराक वोचचँ जालँ, तरी आत्तं

थॉडें दूद नी कॅळीपुणी हाडचॅं वॅ.

नारायणपय्या:—नाक्का, कस्लेंई घॅवकाशॅं दिस्सना!

लक्ष्मी:—इत्या दिस्सना म्हळेलॅं?

नारायणपय्या:—इत्या दिस्सना म्हळेलॅं? लक्ष्मी, तुक्का कस्लॅं, कश्शी आनी खंच्या तॉंडानॅं सांगचॅं? तुगेली स्थीतीई मज्या म्हणकेची जायद ह्या भय्येनॅं तुक्का कस्लॅंई सांगू नय्यॅं म्होणू दिसता, जाल्यारी सांगिल्याविना उपाय नातीं.

लक्ष्मी:—नाक्काती तॅं कष्ट! माक्का पुरा कळळ्यां?

नारायणपय्या:—आनी तुक्का कॉणॅं सांगलॅं?

लक्ष्मी:—दंदा चेड्डू आत्तां मात्र येवनू वोचुगेली! ती म्हणाली......!

नारायणपय्या:—कस्लॅं? दॉळयां पात्यॉ हालोंवच्या तितल्याभित्तरी हॅं सगळॅं जगजाहीर जाल्लॅं?

लक्ष्मी:—वाईट खबऱ्यॉ कॅर्नाई तुफानाकई जॉरानॅं वतातो.

नारायणपय्या:—लक्ष्मी लक्ष्मी,–म्हालगडपणाची जबाबदारी लेकुनू मनांतू दाटुनू दवरलली मगेली ताळवीक आत्तां खचेली. त्या दॉग्गा गेल्या मनाक धैर्य दिवच्याक मगेलॅंची मन मारनू तांका समाधान सांगतना, मगेल्या अंतःकरणाचॉ उज्जॉ दाटूनू दवरलॉ खरॅं, जाल्यारी आत्तां तश्शी कोरचॅं मगेल्या शक्तीभायर गॅल्या. ना, ना, आत्तां आनी सहन कोरूक जायना. लक्षुमी, लक्षुमी, आमगेल्या सारस्वतांगेलॉ सर्वनाशू जाल्लॉ. ह्या नगर संस्थानांतृ उदयाक आयिलॉ सारस्वतागेलॉ सूर्यू आर्जा अस्ताक पावलॉ, ताक्का कायमचॅं ग्रहण लागलॅं! ज्या नगरसंस्थानांतु अधिकार गाजोवनृ मानाचेरी दिवस काळ्ळॅ, त्याची नगरसंस्थानांतु सारस्वतागेल्या मॉल्लाचॉ गोब्बोरू जाल्लॉ! आत्तां मुखारी कस्लॅं? अपमानृ नी तुच्छता! तुच्छता--धिःकारू! ना. ना, लक्षुमी, लक्षुमी, हॅं सहन कोरूक जायना,

लक्ष्मीः—अश्शी बॅजार पावतची बसल्यारीं आयिल्या संकटांतू थावनू पायवाट मेळचीं आस्स वॅ! मात्तँ तापोवनू फायदॉ ना अश्शी तावळी मंजनाथय्याक सांगचँ जात्तालँ! कश्शी मात्त तापोवनू फायदॉ ना, तश्शीची मना बॅजार पावनूंई फायदॉ ना. मात्तँ नी मन दोन्नी थंड दोवोनू कॉणागेलॉ सहायू घॅवच्या जात्ता हाज्जॉ विचार कोरचॉ.

नारायणपय्याः—ह्यावॅळारी सहायू कर्तलँ कॉण आनी वोचँ कॉणालागी? रामचंद्रय्यागेल्या कपटकारस्थानाक नंबूनू रायानँ विचार कर्नास्तना आमकां आज्ञा केली, आरोपू शाबीत जांवच्याफुडेची आमगेल्या हातांतुलॅ अधिकार पुरा काण्णू घॅतलॅ! रक्षकानेची भक्षक जालेलनंतर सहायू कोरूक मुखारीं यॅतलॉपुणी कोणू?

लक्ष्मीः—तरी हांव एक सांगू वॅ?

नारायणपय्याः—आम्मी रातीदीस ह्या व्यापांतू घॉळतलॅ, आमगेली विचारशक्तीची इतली निर्बल जाल्या, तावळी तुजअसली यःकश्चीत बायलमनुष्य कसलँ सांगतली?

लक्ष्मीः—आमकां बायलांक इतलँ अप्रबुद्ध लेकचँ जात्ता हांगाथावनूं?

नारायणपय्याः—हांतू मुख्य प्रश्नू बुद्धीचॉ अथवा अप्रबुद्धीचॉ न्हई, अनुभवाचॉ नी ज्ञानाचॉ!

लक्ष्मीः—आमकां बायलांक शिक्षण ना म्होणू अनुभव नी ज्ञान आस्सना अश्शी कांई ना. दारल्यां इतलींची इतिहासू आनी पुराणं बायलांगेल्याई गुर्तांचीं आस्सती. दारल्यांम्हणकेची आमकां बायलांकई दॅवानँ हाड मांस दिल्यां, अंतःकरण दिल्यां, विवेकबुद्धी दिल्या, विचार कोरूक अक्कल दिल्या आनी वादू कोरूक तॉंड नी जीब दिल्यांती. हांगथावनू आमकां बायलांक अनुभव नी ज्ञान ना म्होणचँ जात्ता, जाल्यारी गोब्राम्हणं प्रतिपालक म्होणू कांई नातिलॅकडॅ स्वराज्य स्थापन कोरनू हिंदू धर्मा रक्षण

करतलॉ शिवाजी दारलोची शिल्लॉ, जाल्यारी ताक्का उबजत लागायत स्वतंत्रतेचॅं शिक्षण दिलेली तागेली आवसू जिजाबाई बायलमनुष्यची शिल्ली. भारतकालांतू वनवासू नी अज्ञातवासू मात्र न्हई, अनेक थरांचॅं कष्ट भोगिल्या पांडवांक तातवळी धैर्य दिवनूं, कष्टेरीथाई तांका सहायू कर्तली तांगेली बायल द्रौपदी, हीवई बायलमनुष्यचीशिली. देशू, धर्मू आनी समाजू ह्या तिनीचीं वृद्धी कर्तलॅं आजथाई कितलॅं दारलॅं जालॅंकी, त्या सर्वांक णवू म्हयनॅं पॉट्टांतू व्हावनू जल्मू दितल्यॉ आम्मी बायलॉची-शिल्यॉ, तांनी उबजतलगेनॅं तांका न्यायू, सत्य आनी धर्मू हाज्यॅं शिक्षण दितल्यॉई आम्मी बायलोचीशिल्यॉ. घर नी चेलडवं पोळोवनू राबचॅं आमगेल्या बायलांगेलॅं कर्तव्य खरॅं, जाल्यारी बामणानॅं संकटांतू आस्तनां ताक्का योग्य धैर्य नी सुचना दीनातल्यारी, तागेल्या सुखदुःखाचॉ अर्द वांटॉ घेंवच्याक मजअसल्यॉ बायलॉ ह्या जगांतू नालायक ठरतीद.

नारायणपय्याः—लक्ष्मी, क्षमा करी. ह्या अनपेक्षीत संकटांमिती मगेली जीब मगेल्या ताब्यांत वरनॅं आसका. सांग तुक्का कस्लॅं सांगचॅं तॅं.

लक्ष्मीः—आम्मी सारस्वत मूळ काश्मीरांतथावनू आयिलॅं, तावळी आमगेलॅं गुरु थईंची उत्तर हिंदुस्थांनांतू आस्सुक फाव आस्काती हाज्जेरी विचार कर्लॉ!

नारायणपय्याः—काश्मीराची कसली खबरी सांगता तूं? आम्मी काश्मीर सोण्णू कीतलीं वर्स जाल्ली हॅं पुणी कॉणाक गोत्तू? भाषासंबंधु चुकला, देशसंबंधु चुकला, आहारसंबंधु चुकला! स्नेह ना, गुर्तू ना नी परीचयू ना! असल्या परिस्थीतींतू खंई सोदचॅं, कश्शी सोदचॅं आनी कॉणाक विचारचॅं? असाध्य, असाध्य, लक्ष्मी, असाध्य!

लक्ष्मीः—बरॅं तॅं साध्य ना म्होणू जाल्लॅं. शृंगेरी मठांची मूळ पिठीका आद्यशंकराचार्यांगेली तावळी.........

नारायणपय्याः—ताज्जॉ विचार कोर्नूई उपयोगु ना. मगेल्या मनांतू तॅं कॅर्नाची येवनूं गॅल्यां. आम्मी सारस्वत ब्राम्हणचीं हॅं ह्या नगरांतुल्या

संगळयांगेल्या अंतःकरणाक गोत्त् आस्स! आमकां सारस्वतांक नामशेष कोरूक पॉटजाळांनी हॉ आरोपू आमचेरी कॅल्ला! आनी त्यामितींचीं तीन म्हईन्याचॉ असाध्य वायदॉ दिल्ला आनी आमगेल्या गुरुंक हांगा हाणणू दर्शन दींवोंची ताज्याकई असाध्य जबाबदारी आमचेरी घाल्या. आम्मी तश्शी कर्नातल्यारी, लक्षूमी, मुखारी कस्लँ जात्तलँ हाज्जॉ विचार करी. आमच्या विषयांतू घालेल्यॉ अबध्द खबऱ्यॉ प्रजांक होई म्होणू दिस्तल्यॉ. आम्मी सारस्वत म्हळेलँ असत्याचरण कर्तलॅ म्होणू प्रजा आमच्याविरुध्द जातली, आमकां देक्कूनू नांक कवळतलॅ, उणेपण लॅकतलॅ, धिःकार कर्तलॅ, आजीथाई राजदरबारांतु अतीश्रेष्ठ, महाज्ञानी, महापंडीत म्होणोवनूं घेवनूं फाल्या सामान्य जनांकोरोवनूं हिणसुनूं घेंवका पडतलँ! आम्मी दॉग्गानी सांगाती भायर वोचुगॅलेल तावळी लक्षूमी-नारायणा हॉर आयलँ म्होणू आमच्यासुत्तू ॲकडॅ जातलीं जानं आमकां तांगेल्या आंगणा सुतवांतू सुदांई येंवच्या दीशनाती आनी....आनी.........

अनंत—[प्रवेश करतची] आनी जांवचँ सगळँ जाल्लँ!

नारायणय्या:—कोणू अनंतू?

अनंतः—होई! तुवँ वच्च म्होणू सांगिलँ आस्तना लाचार जावनू वापस आयलां. नारायणय्या, आमगेल्या सारस्वतांगेलॉ सर्वनाशू जाल्लॉ!

नारायणय्या:—दँवा भगवंता, आनी कस्लँ जाल्लँ?

अनंतः—रामचंद्रय्यागेल्या तंडातुंल्या लोकांनी सारस्वतांविरुध्द चळवळी सुरू केल्या. गांवतुल्या सर्वांनी आमचेरी बहिष्कार घाल्ला, आनी मुखारी आमकां अन्नवस्त्र मॅळनाशी कोर्नू घालल्यां, इतलेंची न्हई आमगेलीं घरं लास्सुनू राब्बुक घरंसुदांई नाती ईतलँ कोरूक सुरू कॅल्ला.

नारायणय्या:—पळयलँ, पळयलँ लक्षूमी, हांवँ म्हळेलँ तश्शीची जाल्लँ! लोकांनी हिणसुंवच्याक आस्तची सुरू कॅलॅ, फाल्यांचँ संकट आजीची दत्त म्होणू दॉळयांइदूर उबरलँ!

लक्ष्मीः—हँ माक्का गोत्तू आशिलेंची!

नारायणपय्याः—तँ कश्शी?

लक्ष्मीः—आयदानं घासचीं, कैर काडचीं नी असलीं कामं ब्राम्हणा-शिवाय दुसऱ्या खंचाई घरांतू कर्नाती म्होणणू दंदा चेट्टू खरकटीं आयदानं तश्शीची सोणणू गेली!

नारायणपय्याः—जाल्ली—जाल्ली! इतल्या वर्साची आमगेली पुण्याई आत्तं मातयेसमान जाल्ली. राबच्याक घर ना, खांवच्याक अन्न ना, मना समाधान कोरूक कॉणागेली सहानूभूती ना. दॅवा, दॅवा, तुगेल्या दरबारांतू खंचॉ हीन अपराधू कॅल्ला म्होणू मनुष्यांम्हणकॅ न्यायारी नी सत्यारी चोलनूई सूण्याकई आम्मी पाष्ट ठोरका!

अनंतः—नारायणपय्या, "अत्रणे पतितो वन्हि स्वयंमेव उपशाम्यते" तण नातिल्कडे पळेलॅ उज्या इंगळे स्वतः जोळनूं भस्म जात्ताती. तशीची कांई नातिल्कडे आमचेरी फट्टी आरोपू कॅलेल्याचॅ दुष्परिणाम आमगेल्या वैऱ्यांकची भोगका पडतलॅ. देवू आमकां कॅर्नाकई सोणणू दीशना.

नारायणपय्याः—ना, ना, अनंता, माक्का धैर्य दिंवच्याक तुवँ कितलोई उपदेशू कॅलॉ म्होणु ताजॉ कांई उपयोगू जायशना. दॅवा, दॅवा, हॅ सगळँ पोळोंवच्यापेंक्षा मरण इत्या पावयनँ?

लक्ष्मीः—हँ कस्लँ! हांगाथावनूची अश्शी पुरा आशा सोण्णू बसल्यारी मंजनाथय्या नी अनंतय्याचि न्हई, ह्या नगरांतुल्या इतर सारस्वतांनी कस्लँ कोरचँ! असल्यावॅळारी योग्यांगेली ताळवीक नी सैनिकांगेलँ धैर्य धॅनातल्यारी मात्र सारस्वत समूळ नष्ट जालेल्याविना राबशनाती. ज्यावरेके आमगेलँ अंतःकरण नी आचरण पवित्र आस्स, त्यावरेके आमगेलॉ सर्वनाशू कोरची ताकत प्रत्यक्ष दॅवांतथाई ना. हांगाच्या इतर ब्राम्हणांगादी भूंईभाट चलोवनू नी सावकारी कोर्नूं, रातीदीस घॉळतल्यां गरीब मजुरांगेल्या अंतःकरणांतू थावनू भायर पोडच्या उज्याचेरी आम्मी रोट्टी भाजनँ अथवा रावळारं बांदीनेती. हांच्याम्हणके आम्मी ब्राम्हण

म्होणू कॉणाचेरी वर्चस्व करनँ एकेई आम्मी शिक्षणा जॉराचेरी निरक्षर दुर्बळयांक वाट्टेरी घालनँ. खंच्याई गांवांतु वोचुगेल्यारी आमकां मानु दित्ताती तॉ आमगेल्या सज्जनपणाक, मर्याद दित्ताती ती आमगेल्या विवेक आनी तारीफ करताती तँ आमगेल्या बुद्वंतपणाक, दंभाचासक न्हंई! आत्तं हांगाचँ जानं आमगेलॉ अपमानू कर्तलॅ—कॉरोती, हीन लॅकतलॅ— लॅक्तोती, धिःकार करतलॅ कॉरोती, ताज्यामिती कस्लँ जांवचँ आस्स? काबूल कंदहारच्या यवनांक सारस्वतांगेलॉ नाश कोरू जायनँ, गोंयच्या पोर्तुगीजांक तेमें आमगेलँ धर्मांतर कोरचँ असाध्य जाल्लँ. तावळी हांगाची अविचारी प्रजा आमगेल्या पवित्र शाश्वतीक समाधी दितली, ही काळजी कस्ल्याक कोरका, अथवा तांगेल्या अत्याचाराक भिवनूं पौरूष्य कस्ल्याक घालोंवका?

नारायणपय्याः—उल्लई, उल्लई, लक्ष्मी, अश्शीची उल्लई! तुगेल्या जिबेवेली रसवंती मगेल्या गॅलेल्या धैर्याक वापस हाडूक लागल्या, मनाक घट्टी कोरू लागल्या, मंद पळेल्या विचारशक्तीक तेज दिंवच्याक लागल्या. ती रसवंती अशीची चालू दवरी—त्या रसवंतींतुल्यानेची खंचोई उपायू भायर पोड्डू फाव आस्स! राबोवनका—तो रसवंती राबोंवनका.

लक्ष्मीः—ना! राबयना! मगेली जीब नी जिबेवेली रसवंती चालूची दवरतां, जाल्यारी त्या रसवंतीतू नवँ असलँ कस्लेंई आंयकुंवच्या लायना. आजीवरेके सारस्वतांगेल्या संमेलनांतू नी समारंभांतू हांगाथावनू कस्लँ सांगचँ जात्तालँ तँची सांगतां. न्यायारी नी सत्यारी चल्तल्यांक असाध्य अश्शी कांई ना, अपजय तांगेल्या सावळे उब्रना. दॅवाचेरी भारू दवर्तल्यांक देवू कॅर्नाई सोणणू दीना. प्रयत्न कॅल्यारी परमेश्वरूथाई मॅळता, तावळी परमेश्वरागेलँ घर दाकयतालॉ गुरू इत्या मॅळशना? सद्‌गति मेळोंवच्याखात्तीर सारस्वतांक सद्‌गुरुंगेली जरूरी आस्सची! आनी आम्मी सद्‌गुरु मेळोंवका म्हळेल खात्तीरची दॅवानँ हांगा लोकां-कोरोवनू आमंचेरी फट्टी आरोपू कॅल्ला. कष्ठ काण्गा जाल्यारि

अन्नसुदांई मॅळना तावळी गुरूपुणी कश्शी मॅळतलॅ? कष्ट काणणू प्रयत्न कॅल्यारी गोकर्ण महाबळेश्वरूची आमकां मार्गू दाकयतालॉ.

नारायणपय्याः—गोकर्ण महाबळेश्वरूची आमकां मार्गू दाकयतालॉ?

लक्ष्मीः—होई! गोकर्ण महाबळेश्वरूची आमकां मार्गू दाकयतालॉ आनी गोकर्णातुलॅ धा जाणची आमकां उपायू सांगतलॅ!

नारायणपय्याः—गोकर्णातुलॅ धा जाणं आमकां उपाय सांगतलॅ? लक्ष्मी, बायलांक अनूभवू नी ज्ञान आस्सना अश्शी हांव तावळी अविचारानँ म्हळ्ळँ ताजीं माक्का क्षमा करी. गोकर्णांतुलॅ धा जाण? गोकर्णीतू हाज्याविषयांतू गोत्तू आस्सू फाव आशिल्लॅ............

अनंतः—म्हळ्यारी पोरनी घराणींची आस्काती.

नारायणपय्याः—राव! पॉरन्या घराण्यापैकी हरटे अनंतय्या—म्हळ्यारी हरटेकार, दुसरॅ मिरजानकार......

लक्ष्मीः—आनी चिक्रमनेकारई आस्सती!

नारायणपय्याः—बरोबरी! 'शुभस्य शीघ्रं'! अनंता, वच, गोकर्ण प्रयाणाखात्तीर बैलगाड्या तयारी करी......

अनंत—जाल्यारी बैलगाड्यॉ आंबुड्डक कॉणेई येत्तिद की म्होणू!

नारायणपय्याः—ताजी पर्वा ना माक्का! सारस्वतांगेल्या मालकीच्यों मस्त गाड्यॉ आस्सती! आमचीगेलॅ पांच-स तरने जानं मज्यासांगाती आदिशलतरके पुरॉ! [अनंतु वत्ता.]

लक्ष्मी, फळारपुणी करी म्होणू तावळी तूं सांगताली. सकांळीचँ रांदप तश्शीची आसल्यारी वाडी. आम्मी दॉगई जेवयां! रात्ती भित्तरी प्रयाणा तयारी कोर्नूं गुरुशोधनाखात्तीर हैं लक्ष्मीनारायणागेलँ हॉर भायर सोरयां.

[पडदॉ पडता]

[पद]

संपली सत्ता सुखाची।
अंतरीं भर्ल्या व्यथा।
शंकरा जगदीश्वरा। उद्धारी तूं सारस्वता॥
भाग्यरवि अस्ताक पावलॉ।
दुःखछाया पसरली।
भेदुनि अंधारपटला
शीघ्र दी गुरुमाऊली।
दाकई दिव्यप्रकाशु। अमर जावॉ सत्यता॥

—अंकु पयलॉ समाप्त—

अंकु दुसरॉ

प्रवेशु पयलॉ

स्थळः—शंभूभट्टागेलँ घर

[उंबळलीं आंगवाली आनी कळसॉ घेवनूं प्रवेश करता.]

[पद]

कुंकडाने दिल्ली बांग। निवली नक्षत्राची रांग।
कुंकुमाच्या रंगांथावनू। आयलॉ रविदेवू उदयाक॥
उट्टा शंकरा ईश्वरा। शुभंकरा गिरिजावरा॥ धृ॥

उठा शीघ्र वेळू जाल्लॉ। भक्तांच्या उद्धाराक।
पूर्व पर्वतां पेलतडी। सात घॉड्यांची गाडी।
बैसूनू येंवची तागेली रूढी। आयलॉ रविदेवू पूर्वेंक ॥ १ ॥
कमलांचीं तीं कोमल सुमनं। कोटीतीर्थां कोर्नू स्नान।
अरुण किरण लघुस्पर्शाने। सरोवरांतू विकास पावलीं ॥ २ ॥

काव्रूः—आप्पू! आप्पू! आत्त इत्तँ कोरका ह्या करटेकुडक्याक? दॅवळांतू व्होरूक चारी वॉवळं नी वेलपत्र्यॉं हाडूक अॅक्कः संकाळी वोचुगेलेलॉ चल्लॉ! [घॉरेतची निदलल्या शंभूभट्टाक पोळोवनू] हरी! शिवा! आत्त कस्लँ नांक धाडांवचँ! हावँ वतना जागोवनूं वॉचुगॅलेल्याक एक तास जावनू गॅलॉ, — अजुनिके घॉरेतची निदोवचें! कस्लॉपुणी मगेल्या संसारा खेळू चलला. अॅकडॅ पॉट्टांतू उबजललँ हँ रत्न आनी अॅकडॅ हॉ कुंभकर्णागेलॉ अवतारू! संसार नाक्का जावनू गॅल्ला! घॉरेंवचँ! आनीकई हॉङ्गानँ घॉरेतची निदोंवचँ! माक्का इत्तँ? हांवई थंड निद्दतां! माक्कापुणी कस्ल्याक जांवकां हँ घर नी संसारू? इत्तँ! उटांवचँ आत्त!

शंभूः—नारायण — नारायण — नारायण!

काव्रूः—इत्तँ? आयकलँ वँ!

शंभूः—आयकलँ!

काव्रूः—हांव पूरा उलयनँ आनी कस्लँ आयकलँ म्हळेलँ कपाल मज्जँ!

शंभूः—तूं आयकलँ कीं म्हणाली तँ आयकलँ!

काव्रूः—आत्त कस्लँ नांक धाडांवचँ हांवँ! उटांवच्याक सांगल्यारी मात्यारी मुस्कटँ ताणू घेवनू निदोवचँ! दॅवा, महाबळेश्वरा तुक्काची लाज आत्तां! उटांवचँ म्हळँ!

शंभू:—तुवँ म्होणू जाल्लँ न्हई वॅ! आत्तां तुवेंई थंड पड, नी माकाई थंड पोडूं दी.

कावू:—दॅवा, दॅवा, दॅवा! आत्तां तेमें हदाहाळीतचीं मिरुनू गेल्ली! हांवई पळयतां आत्तं कश्शी उटांवचँ जायना म्होणू! [कळशांतुलँ उद्दाक शंभूभट्टागेल्या तोंडारी उंतुवच्याक लागता]

आप्पू:— राव, राव, आम्मा, कस्लँ करतां तूं!

कावू:—आत्तं हाळेलँ उद्दाक माल्यारी घालनू अभिषेकू करतां! नांकां-तोंडांतू उद्दाक वत्तचीपुणी उटांवचँ जात्ता की ना पळयतां!

आप्पू:—अशी अभिषेकू कॅल्यारी सैत्य नी खांकी जायद म गॉ!

कावू:—अशी ना! सैत्य नी खांकी जाल्यारी सुंठी-कषायु कोर्नू दित्तां हांव!

आप्पू:—होई गॉ आम्मा, सुंठी-कषायु कोर्नू दितली तूं, जाल्यारी सुंठी हाडूक धडपडॅवका हांवेंची न्हई वॅ?

कावू:—सॉडल्या, सूंटी हाडूक धडपडॅवका म्हळेल्याक हांगा इतली काळजी तुका? दॅवळांतू होरूक वॉवळं हाडूक ॲका संकाळी निवाळसुनू वोचुगॅलॅलॉ तूं, हांळ्ळीं वॉवळं?

आप्पू:—आतं घेवनू यॅत्तां!

कावू:—लाज दिस्सना आत्तं घेवनू यॅत्तां म्होणूक?

आप्पू:—आम्मा, कोप्पू नका! हावँ सांगिल्लँ ॲकळाक आयक! तूं माका कॅर्नाई सांगता की शॅजावसारच्यांगेल्या उपयोगाक पोडका नी पुण्य जोडका म्होणू! आत्तं हांवँ तँ दोन्नी कॅल्लँ!

कावू:—कश्शी तँ!

आप्पू:—तुवँ सांगिलँ तश्शी वॉवळं हाडूक म्होणू भायर पळ्ळों! हांव कट्टयालागीं पावतां म्हणतना बुड्योघरचॉ बाब्बू धांवत यॅतना पळ्ळॉ.......

कावू:—धांवत यॅतना पळ्ळॉ?

आप्पू:—पळ्ळॉ म्हळ्यारी ऽ ऽ होई! पळ्ळोची! तानँ धांवच्या वाटेरी एक पान पळेलँ. ती कँळ्यासाली म्होणू लेकुनू तँ बाजुक कोरूक हांवँ अश्शी पाय मुखारी कॅल्लॉ. ताक्का वांचोंच्याक गॅलॉ तँ कस्लँ कीं जालँ! मगेल्या पायाक आदोळनूं तॉ घुमसालयॉ खंई! उमती ऽ ऽ पळ्ळॉ.

कावू:—कुंयकतनांनी ताक्का पाडोवनू वयरी तॉ पळ्ळॉ म्हणता!

आप्पू:—जाल्यारी पळ्ळॉ म्हळेलँ न्हई न्हई वॅ? आत्तं तागेल्या नांकांतू-थावनू रगत व्हांवतना ताक्का थंई सोणणू कश्शी वॉच्चँ? तावळी ताक्का घारा पावोनू दिल्लॉ! ताक्का घारा पावोनू भायर पडतां म्हणतना हॉडु घरची होडेम्मा, मेळ्ळी. "आप्पू, सुव्वेक एक सूत घालनू दीरॅ बाळा, दॉळयां दिस्सना" म्हणाली. सूत घालनू दिवनू भायर पडतां म्हणतनां "बाळा आप्पू, रुक्कारी चोणणू चारी बिंबलं काणणू दीरॅ" म्होणू रगळ्या-घरची राधक्का म्हणाली.

कावू:—मागीरी काळ्ळीं बिंबलं?

आप्पू:—होई बा!

कावू:—जाल्यारी चारी बिंबलं घारा हाडची कांई बुद्धी जायनँ तुक्का?

आप्पू:—राधक्काखात्तीर काळ्ळेलीं बिंबलं घारा कश्शी हाडचीं, आम्मा? तावळी तिक्का बिंबलं काणणू दिवनू मूखारीं वत्तां म्हणतना चौकांतुल्या चंदक्कानँ माक्का वेठीक धरलँ. "फात्तोरू मारनू चिटणेक चार आंबल्यॉ पाडई रॅ बाळा" म्हणाली. जाल्लँ? आत्तं ना कश्शी म्होणचँ? फात्तोरू घॅतलॉ आनी रुक्काक विंदलॉ! विंदीलॉ फात्तोरु आंबलेक आपणास्तना इद्रारी बशिल्या दोंण्याघरच्या दत्ताक मॅळ्ळॉ! फात्तोरू आदोळच्या तितलभित्तरी हांव जोरू धांवतां कीं तॉ जोरू धांवता पोळोंवच्याक तॉ मज्या फाटीमाक्षी लागलॉ, आनी कोणू जॉरानँ धांवता पोळोवच्याक दॅवळा तीनी प्रदक्षणा काणणू पुण्य जॉळ्ळँ आनी थॉडँ पुण्य जोडूक चवथी प्रदक्षणा काडतां

म्हणतनां फटमामागेरची पावतू मेळ्ळी. तू उंबळेलीं आंगवालीं नी उदाक घेवनू आत्तं मात्र आयली नी माक्का आपयता म्हणाली म्होणू धांवत आयलौं.

कावू—आ हा हा हा हा हा हा! चेलडू म्हळ्यारी चेलडू! कस्लैं सांगचैं? गॅलेल्या जल्मांतू कॉणागेली गाई मारली की ह्या जल्मांतू अस्लैं चेलडूं उबजल्यां! मगेल्या तौंडांतु एक नी दोनी यैना!

आप्पू—एक दोनी पूरा सोणणू कडेरचैंची म्हणणां इत्या? ॲकळाचैं पूरा पाठ आस्स माक्का.

कावू—गाढवा! कुंयकतनं कोर्नू वयरी आनी माक्का चॅष्टा करता!

आप्पू—अयोमा—अयोमा—

शंभू—अंऽऽ! जालैं वॅ सुरू? एक घडी थंड निदोवयां म्हळ्यारी ना हीज्या तौंडांतू! फाल्लैं जांवच्याक कस्ल्याक मारू लागल्या तूं ताक्का!

कावू—हांवैं मारलैं? ताक्काची विचारचैं!

शंभू—मारलैं रॅ हिनैं?

आप्पू—ना बा!

शंभू—आं! मागीरी भौं कोरनू वद्रलॉ इत्या?

आप्पू—तां मारीद म्होणू ॲकळाकची वद्रूच्यांक सुरू कॅल्लॉ।

कावू—सॉडल्या, आतां वत्ता वोवळं हाडूक कीं तापिलॉ कायलातों हाण्णू जिवेरी दोवोरूं?

आप्पू—वत्तां गो सायबीणी; तू मारनका। [धावनू वत्ता]

शंभू—गेली प्रीडा

कावू—दॅवा, भगवंता, आम्मी निदोंवचैं। आत्तं आनी निदोंवच्या नज्ज। हं। आत्तं उटांवचैं।

शंभूः—शॅ! कस्लँ हँ? कस्ल्याक मज्यामाक्षी साडेसातीशी लागल्या तूं?

कावूः—हांव साडेसातीशी लागल्यां? मुंडॉ न्यायूची! सगळॅजाणं संकाळींचीं उटावनू महाबळेश्वरा दॅवळांतू गुरुप्रातीखातीर धरणँ धोरूक वोचुगेल्याती, आनी हांगा अजुनीकेई उटांवच्याक फुरसती ना? शॅजारच्या बायलांक तोंड दार्कोवच्याकथाई लाज दिसता.

शंभूः—शॅजारच्यांक तोंड दार्कोवच्याक लाज दिसता म्होणू मजेरी तोंड सॉळ्यां आत्तं?

कावूः—आनी कस्लँ कोरूं: हांगा पायमुळांतू जीव दिंवू!

शंभूः—अययययय! आत्तं तुवें म्होणचँ कस्लँ?

कावूः— फाल्लँ जायत लागायत वज्रतं आस्स तँ आयकनँ?

शंभूः—आं? म्हळ्यारी येदोळथाई तूं खरेंची उलयताली? कर्म! हांवँ लॅकलँ हँ सद्दांम्हणके तूं निद्दांतूची उलयताली म्होणू.

कावूः—आत्तं मात्र मेल्लीं हांव! हांव आत्तं जाग्रतातूंची उलयता हँ कळ्ळँ न्हई वॅ हांगा?

शंभूः—व्हई!

कावूः—तरी सगळँ सांगू वॅ आनी एक पेटी?

शंभूः—हांवँ ना म्हळ्यारी तू इत्तँ सोडची आस्स वॅ!

कावूः—हावँ आत्त कस्लेंई सांगल्यारी तँ निद्दांतू म्होणू समजूंवचँ जायना न्हई वॅ?

शंभूः—ना!

कावूः—हं! नगरांतू थावनू नारायणपय्या थॉडॅ लोकांक घेवनू ह्या गोकर्णांतू आयला गोत्तू आस्स न्हई वॅ?

शंभूः—आयकल्यां!

कावूः—आयकल्यां? गोकर्णांतुलँ सगळॅजाणं ताक्का मेळणू आयलँ आनी

हांगथावनू "आयकल्यां"? बरें! तॉ आत्तां हांगा कस्ल्याक आयला हॅंवई आयकल्यां की?

शंभूः—कान्नारी आयल्यां मगेल्या चिकेची.

कावूः—कान्नारी आयल्यां आनी तॅंवई चिकेची? बरें, कान्नारिपुणी कस्लॅं आयल्यां?

शंभूः—की नारायणपय्या नी आमगेल्या जातीचॅं सगळे आजीधोर्नूं गुरुप्राप्ती-जावोक्रेक उपास काणणू महाबळेश्वरालागी धरणॅं धोर्नूं बोसचॅं आस्सती म्होणू.

कावूः—मागीरी हांगाथावनू कसलॅं कोरचॅं जात्ता आत्तां?

शंभूः—गांवतुलॅं इतलॅं गॅडॅ थंई आस्तना मजअसल्या पामरागेली कसली जरूरी गॉ थंई? आं? हॅं कस्लॅं करता तूं?

कावूः—कस्लॅं करता सांगता? उटांवचॅं! हं! उटांवचॅं म्हळ्ळॅं न्हंई वॅ!

शंभूः—म्हळ्यारी थंड पोडूक सोणणा तूं?

कावूः—ना! हं! आत्तां तॉंड धुवनूं न्हावनू येंवचॅं!

शंभूः—न्हावनूं! म्हळ्यारी फळराक कांई ना की पळयतां?

कावूः—मनाची नी जनांची दोन्नीं लाज पूरा सोळल्या की पळयता हांगाथावनू! सगळॅजाणं निर्जळी उपासू काणणू दॅवालाग्गी धरणॅं धोर्नूं बोसचॅं आस्सती, आनी हांगाथावनू फळारू कोरचॅं जात्ता? प्रति सॉमारा महाबळेश्वरा देवळांतू किर्तना करतना निरुपणेतूं बोधू सांगचॉ जात्ता, तांतुलॉ थॉडॉपुणी बोधू स्वतः घॅवच्याक जायना? मांई सांगता सुन्नेक बुद्धी आनी आप्पण खात्ता कस्लॅं की म्हणताती न्हंई? माक्क तॉंडाक एक आनी दोनी येना!

शंभूः—गांवतुलॅं सगळॅ उपासू करताती म्होणू मज्यामिती उपासू काडूक जायना! माक्का फळाराक हाणणू दी! फळारू करतां नी पॉट तंपू जात्तची न्हावनू धरणॅं धोरूं बसतां!

कावू:—फळारू कोर्नू न्हावनू धरणँ धोरूक वोसन्न जात्ता? जायद! फळाराक् हाडतां. [वत्ता]

शंभू:—[स्वगत] आजी हो अशी चाळवल्या इत्या हँची कळणा! हिगेलॉ हॉ चंडीके अवतारू कांई माका नवॉ न्हई, जाल्यारी सकांळी हांवँ उटावनू फळारू कोरोवरेके कोपुनू उलोवचँ ना, हो हिगेलॉ नेमू आजी इत्या चुकलॉ? खरेंची हांवँ कोरचँ चुकना मं!

कावू:—[वाळ्ळेलँ वाट्टँ घेवनू प्रवेशू करता] हं! जेंवचँ! फळार कॅल्यारी हॉडपणांतू कम्मीपण यॅद म्होणू जॅवणाकची हाळयां. हांगा नावां अॅकळाक कीर्तनप्रवीण हरीभक्त परायण लावनू घेवनूं उपासा दिवसू फळारू कॅल्यारी पापांराशी पुरा भोर्नूं येशना म्होणू शीत, आनी तॅवई काली रात्तींचँ शॅळँ शीत हाळ्यां. इत्या? आत्तं इत्या नोळेत बोसचँ! शीत मात्र हाळ्यां नी पोळी हाणणें म्होणू? हांगथावनूंई उपासू कोरचँ जातलँ म्होणू हांवँ पिशेनँ सकांळी धोर्नूं रांदणी सुदांई पेटयनँ! खरेंची मगेली चुकी जाल्लो! आत्तं धइंशीत जेवनूं फुरसतो मॅळ्यारी न्हावनूं येंवचँ, तेदोवरेकॅ हाव पोळी कोर्नू·दवरता, हं! खंची पोळी कोरची? शेवयॉ नी रसू कोरचॉ की जिवरूत्यॉ कोरच्यॉ? नाक्का, खॉट्टॅ नी मडगणेंची करतां. इत्या? तॉड इत्या घुंवडायलँ! हं सुरू कोरचँ! गांवतुल्यांनी हासल्यारी ताज्जी लाज माक्का न्हई वॅ?

शंभू:—कावू.......

कावू:—इत्या! लॉणचँ नी पाप्पोड्ड हाडचॉ वॅ?

शंभू:—कावू, माक्का लाजोंवच्याक तूं उलयता खरँ, जाल्यारी इत्तँ कोरचँ? पॉट रित्तँ आसल्यारी मगेलँ हातपायची चलनातो. बुद्धोची मंद पडता. हावँ इत्तँ कोरचँ?

कावू:—सान्न चेल्डवाम्हणके सांगूक लाजई दिस्सना? आजी गांवतुलॅ जातीचॅ खुशालेक उपासू काडताती की हांव बॅजाराक उपासू कोरूक सांगतां? कस्लोई पापपुण्याचॉ विचारुचि हांगा नावे! जानं कस्लँ

म्हणतीद हाज्जोई विचारू ना! पैरच्या सॉमाराची दैवस्थानांतू किर्तना कर्तना गुरुविनाह दॅवागेली प्राती जायना म्होणू निरूपण सांगुनू ध्रूवागेल्या आख्यानाचेरी किर्तना केल्ली कसल्या कर्माक?

शंभूः—कावू–कावू–नाक्का, उलोंवनका! तूं मगेली बायल जालेलरतकेई हांव तुक्का हातू जोणणू सांगतां आनी उलोंवनका.

कावूः—इत्या उलोंवनका म्हळेलॅं! उलयतलीं! दॅवा इदूर उबरोनू किर्तना कर्तना दॅवाविषयांतू आदरू नी पुराणाविषयांतू अभिमानू जिब्वेरी जिवंत खॅळता, जाल्यारी तस्लॉची वेळ यॅनाफुडॅ निर्जीव इत्या जात्ता? देशाखात्तीर नी धर्माखात्तीर देह दवरल्यारी पुण्य मॅळता म्हणताती! देशाभिमानू दार्कोवच्याक धर्माभिमानू जांवका पडता; धर्माभिमानाक जाती अभिमानू जांवका पडता आनीं जाती अभिमानू आस्सुक ॲक्कळाक "आप्पण" म्हळ्ळेलॉ अभिमानू आस्का पडता; जाल्यारी हांगा नींदभुके-सुखारी "आप्पण" म्हळ्ळेलॉची अभिमानू ना तावळी जाती अभिमानू कश्शी आस्तलॉ? आंमगेलॅ गुरु आमच्यालागी नाती ह्या ॲक्का कारणा-खात्तीर आजी अती उच्च शिखराक पाविलीं आमगेली जाती फाल्या कालवॉ नी सान्याफोंड्डू साफ कोरू लागतली हाज्जॉ विचारू पुणी मनांतू कश्शी यॅतलॉ? आजी उच्च शिखरारी आदिशली आमगेली जाती यावश्चंद्रदिवाकरो उच्च शिखरारीची आस्का हॅं हांगा मनांतू चुकुनू सुदांई यॅना!

शंभूः—पुरॉ, कावू. आनी तुवॅं उलोंवची जरूरीं ना. मगेल्या दॉळ्यांतु तुवॅं झणझणीं अंजन घाल्लॅं: तुगेल्या ह्या वागबाणांनीं मगेलॉ जाती अभिमानू जिवंत जाल्लॉ, देवधर्माविषयांतू निदलली आदरभक्ती जागृत जाल्ली आनी मंद पळेल्या जिब्वे रसवंतीक तेज आयलॅं. उब्बारी तॅं वाटॅं, तांतुलॅं अन्न गोरबांक घाली आनी मगेलीं न्हांवची तयारी करी. [कावू वाटॅं घेवनू वत्ता.]. (शंभूभट्टू स्वगत) मगेली किर्तना आयकूनु जानं म्हणताती की धर्मशून्याक देवभॉळॉ जांवका म्होणू दिसता आनी दांभिकांक

साधूसंत जांवका अशशी दिसता म्होणू. इतलेंची न्हंई गर्भगुडींतुल्या दॅवाक्-सुद्दांई आपणागेलॅ मूर्तीरूप सोणणू प्रत्यक्ष मज्याइद्रारी येवनू उत्रोंवकाशॅ दिसता म्होणू. तावळी ह्या सर्वांची आजी परीक्षा पळयतां. स्नान-संध्यावंदन कोर्नू दॅवळांतूं वत्तां, गुरुप्राप्ती प्रयत्नांतू पुढाकारु घॅतां आनी देवधर्माची मगेली भक्ती इतली बाज्वल्य कोर्नू दाकयतां की आजी धोर्नू तीनी दिसभित्तरी ह्या गोकर्ण महाबळेश्वरानॅ एकेंई आमकां गुरुप्राप्ती कोर्नू दिंवका, न्हंई वॅ ह्या जगांतू देवूची ना हॅं तान्नॅ जगाक दाकोंवका. आनी हॅं इतलॅं मज्यामिती कोरूक जायना जाल्यारी कीर्तनप्रवीण हरीभक्तपरायण ह्या मानाक हांव नालायक ठरन.

[पद]

[रागः—सिंदभैरवी तालः त्रिवट.]

मनुजा श्वाना समाना
जरी ना त्या स्वामिमाना ॥ध्रु॥

करता आर्त धावा
आकर्शितां देवा
सोडी ना त्या दिव्य चरणां
गुरु प्राप्तीविना. ॥१॥

प्रवेशु दुसरॉ

स्थळ : रस्तो (गोकर्ण गांव)

[रमणु—खलु प्रवेश कर्तातित.]

रमणु :—खलु, तुका आन्नेक फंता सांगतां, चड बुदवंतपण विकोनाक्का. मस्त जाल्लॅ! प्रश्नाक तक जबाब दिंवका नंता, सॉब्रारि उल्लोनयॅ. आम्मि परगांवांतु आयल्याति हॅं विस्सोर्नाका.

खलु :—जायद. उल्लैना. जरूरि दिसल्यारी मात्र सूचना दित्ता.

[library stamp]

रमणु :—ह्या भट्टा पोराल्यागि थोडी खब्बरि घेंव्यां. [आप्पु प्रवेश कर्ता.] बाळा, हांगा यॉमां. तुगॅल्या तॉंडांतु साखर पॉडॉ.

खलु :—आरॅ रमणु, आत्तं साखर हाडूक खंयिं वचॅर ? कांइपुणी–

रमणु :—चूप् खलु ! मद्देगति उल्लोंनाक्का.

आप्पु :—माक्का कांइ नाक्का. सद्गुरूंगेलॅं दर्शनानंता, उद्दाक थाइ, घेन्नयॅ, अदिश हांगाच्या सारस्वतांनि निर्धार कॅल्ला.

खलु :—उदका बदलाका आनी कस्लॅं मॅळता हांगा ? शिंय्याळिं, कलिंगड...

रमणु :—खलु, नोळेत राबॅर ! शिंय्याळिं, कलिंगडा पशि हॉड आस्स तुगेलॅं बॉड ! कलिंगडा रस्सु पियळय्या ! बाळा, तुगेलॅं नांव कस्लॅं ?

आप्पु :—मगेलॅं नांव तुमकां गोत्तुना म्हळ्यारि तुम्मि ह्या गांवचॅ न्हइ दिस्ता ! बॅरॅ तुमगेलॉ गांवुं खंचॉ ?

खलु :—मगेलॉ की हागेलॉ ?

रमणु :—खलूऽऽ ! तुगेलॅं नांवं एकळाक सांग बाळा...

आप्पु :—हांवं कीर्तन कंठिरव...

रमणु :—तूं कीर्तन कंठिरवु ?

खलु :—कंठिरवु ! रमणु, तूं माक्का, खळनाथय्याचॅं खलु म्हणता, तदिश 'खू' म्होणु म्होणु मॉग्गार्न हाक्का आप्पैताति आस्का. आनी खंइ कंठि घालनु घेत्ता म्होणु 'कंठिरवु' म्हणताति आस्का, कश्शी ?

रमणु :—अगदी बरोबरि ! तदिश तुक्का चिके मात्तं आस्सॅर खलु ! माक्का सुदाइं सुचनॅ पळे—यॅद्दॅ सान्नाक कंठिरवु म्होणु कदिश आप्पैतलॅ ?

आप्पु :—हांवॅं सांगचॅं पूरा आय्कया. हांवं कीर्तन कंठिरव हरि भक्त परायण...

खलु :—राब, पारायण म्हणालॉ. हरिभक्त विजयाचॅवॅ ? हांवॅं वाचल्यां.

रमणु :—आरॅ थयथय्या, पूरा सांगॉ तॉ ! हं, सांग बाळा.

आप्पु :—हांवं, कीर्तन कंठिरव, हरिभक्त परायण शंभुशास्त्रीगेलॉ प्रथम पुत्रु गजाननु म्होणु. जाल्यारि माक्का आप्पु म्होणु मॉग्गार्न आप्पैताति.

रमणु :—आम्मीइ तुका आप्पूऽ म्हणताति जाय्दवें ?

आप्पु :—नाका. गजानन म्होणु आप्पया.

रमणु :—बाय्द गजाननशास्त्री.

रवळु :—शास्त्री न्हयिरे, शर्मा.

रमणु :—शर्मा न्हयि कर्मा ! नोळेत राब. बाळा, तुगेलें घर खंयिं ?

आप्पु :—मगेलें नांवं, घर, हें सर्व निमगितलें तुम्मि कॉण ? खंइथाव्नु आयल्याति, हें सुवेंक सांगा.

रमणु :—आम्मि त्या कट्टयारि येद्दोळु बदिशल्लें. थंयिंथाव्नु उटाव्नु हांगा आय्लें...

रवळु :—तदिश न्हयि रमणु. खंच्या देशांथाव्नु आयल्याति आम्मि म्होणु विचार्ता तॉ.

रमणु :—ओहो ! अशिश ! आम्मि नगर संस्थानाचें.

आप्पु :—तुम्मि नगर संस्थानाचें ? तरि तुमचें पैकि नारायणपय्या कोणु ?

रमणु :—आमचे पैकि ? रवळु, आमचे पैकि कोणु नारायणपय्या जाय्द ?

रवळु :—रावॅर ! हांवं कांइ नारायणपय्या न्हइ, आनी तूं रमणु ! तावळि, आमचे पैकि नारायणपय्या कोणइ नाति.

आप्पु :—तरि खंइ आस्स तॉ ?

रमणु :—तरि आत्तं जाल्यारि होडि पंचायतिका जालि. नारायणपय्या खंवि आस्स म्होणु सांगका जाल्यारि आमकां तॅं गोत्तु आस्का जाल्लें, आनी आमकां तॅं गोत्तु ना. तावळि जबाब कस्लि दिवंची ?

रवळु :—आत्तं हांगा ना म्हळ्ळेलें पुणी गोत्तु आस्स न्हयिवें ?

रमणु :—तित्लें माका कळनावें ?

रवळु :—तरि तीच्चि जबाब.

आप्पु :—माका नारायणय्यांगेलें दर्शन कोर्नु दिल्यारि हांव तुमकां जांबळं हाण्णु दित्तां.

रवळु :—आत्तं जांबळं कसल्याक ?

रमणु :—मात्त्याक थाप्पूनु घेंवचाक !

रवळु :—फायदॅा कस्लॉ ?

रमणु :—कॅस यॅनाति.

रवळु :—तरि कापणि काडोव्नु घेंवचॅं वलें. बाळा, सुवेंक जांबळं हाण्णु दी ताज्जे उपरांत्ते नारायणपय्या लाग्गि व्हर्तो.

आप्पु :—छॅ! छॅ!! तॅं जाय्शना. आजि कस्लेंयि खाव्नयॅ. आजि सर्वांक उपासु. आजि महाबलेश्वर देवळांतु मस्त जानं एकडे जाल्यांति. सद्गुरु दिंवका म्होणु, दॅवालाग्गि मागूनु घेत्ताति. नारायणपय्या थंयिं येत्ता खंइं.

रमणु :—व्हविवॅ? तरि आम्मि दॅवळांतु वचका. जाल्यारि दॅवळ खंयिं आस्स, सांगशीवॅ?

आप्पु :—अशि वचुगेल्लेकीना, उजव्याक घुंवचॅं. थंचार्न आनी उजव्याक. उपरांते दाव्याक वचूनु, सीदा वचाति. म्हळ्यारि दॅवळ मॅळता. चॅं, माम्मा येत्तां.
[वत्ता.]

रवळु :—जाय्द भाच्या! रमणु, आत्तं दॅवळांतु वचे व्हयि. थंयिं कस्लॅं कोचॅं सांग.

रमणु :—उपवासु!

रवळु :—उपवासु? अड्डिना प्रती एकादशीक उपवासु कोर्नु माका अभ्यासु आस्स.

रमणु :—कस्लॉ अभ्यासु?

रवळु :—उपवासु कोर्चो. म्हळ्यारि फळारु मात्र कोर्चो. स रोव्यो, चारि शिजयिलिं कणगं, तीनी-चारी रसबाळिं केळिं, थोडॉ ताका फोवु, आनी एकि गिंडिभरि दूध नावे ताक.

रमणु :—तरि हांवयि उपवासु कोर्नु सोडतां.

रवळु :—वच्चां तरि दॅवळाक.

रमणु :—हॅ पळॅ रवळु, आम्मि नगरांथाव्नु आय्लॅ ह्या हळयेंतुं. आमगेलॅा भोमु काण्णु घेंवचाक नज्ज. जाल्लेॅ तित्लॅं बुदवंतिकेरि उल्लोंवका न्हइं जाल्यारि माका

गॉद्दॉ रमगु आनी तुक्का बॉद्दॉ खलु म्हणतलॅ.

खलु:—व्हयिब्रा! यॉ वच्यां. [वचाति]

प्रवेशु तिसरॉ


स्थळः—गोकर्ण महाबळेश्वर दॅवळाचॅं सभामंडप

[नारायणपय्या आनी इतर सारस्वत जपू करतची आस्सती]

सर्वः—शिव ॐ! शिव ॐ! शिव ॐ! शिव ॐ! शिव ॐ!..........

शंभूः—[प्रवेशू करतची]

शिव ॐ! शिव ॐ! शिव ॐ! शिव ॐ!
पूर्ण ब्रम्ह ॐ नमः शिवाय।
जय पर ब्रम्ह जय हे मंगल।
पूर्ण ब्रम्ह ॐ नमः शिवाय ॥ १ ॥ शिव ॐ......
वृषभा रूढी जय शिव हर हर।
व्याघ्र चर्म अलंकृत सुंदर॥
त्रिशूल डमरू परशू कर धर।
चंद्रकांत हे महाबळेश्वर॥
पूर्ण ब्रम्ह ॐ नमः शिवाय ॥ २ ॥ शिव ॐ......



भुजंग हार विभूषित सुंदर।
भस्मो ध्दुलीत काया शुचितर॥
शिश शिखरसे सुतसरी उद्गम।
शशी शेखर हे महाबळेश्वर॥
पूर्ण ब्रम्ह ॐ नमः शिवाय ॥ ३ ॥ शिव ॐ.........

महाबळेश्वरा भोळानाथा ॐकारस्वरूप कैलासनाथा, तू सर्वसाक्षी सर्वव्यापी आनी सर्वज्ञानी. घोर अरण्यांतू वाट चुक्किलीं चेलडवं तांगेल्या आवसु-

बापसूंक सोद्दच्यांतू कितलॅ असहाय्य जात्तात्ती, ताज्याकई चड आम्मी आमगेल्या गुरुशोधनांतू असहाय्य जाल्यांती, हॅं कांई तुक्का सांगका म्होणूं ना.

[पद]

त्रिनेत्री शंकर विश्वव्यापका । कृपा करी श्री भोलानाथा ।
गुरूप्राप्तिच्या यत्नां दी यश । राक लाज हे त्रिपुरारी ॥ धृ ॥
वद्‌तां शिवहर अर्पि बिल्वदल । चेष्टेने पारधी ।
जावनू जागरण कीर्तन श्रवणीं । उपोषण तया मृगा अभावीं ।
मंगल शिवरात्रीं शंकरा । उद्धरिलॉ पातकी ।
अगाध महिमा शिवलीलेची । त्रिभुवनांतूं व्यापित जाली ।
गुरू प्राप्तिच्या यत्नां दी यश । राक लाज हे त्रिपुरारी ॥

विघ्ननाशका विश्वंभरा, आमगेलॅ गुरु आमकां दी म्होणू तुक्का प्रार्थना कोर्नूं सांगलॅं, लालेवनूं सांगलॅं, रोणणू सांगलॅं. आवसुबापसूंनीं मनोरथ पूर्ण कर्नातल्यारी चेलडवं कश्शी उपाशी राबताती, तश्शी "माता भवानी पिता शंकर" हीचीं भावना अंतःकरणांतू घट्टी धोर्नूं उपाससुदांई काळॅं, जाल्यारी [illegible] सागर दयेचॅं आगर, करतां हगूर, भक्तांच्यॉ भूमार" ह्या सिध्दांताक साथे आशिल्या तुगेल्या अंतःकरणाचेरी ताज्जॉ कांई परिणामू जायनॅं.

[पद]

आचरिता व्रंत तुगेलॅं जाल्लॉ । मार्कंडेयु शतायुषी ॥ धृ ॥
मरण पाविलॉ पति परतलॉ । धन्य सुवासिनी सीमंतिनी ।
महानंदा पावली सतिपदा । पुण्याई शिवभक्तिची ॥

"दक्षजामात दारिद्य हरा, देवाधी देवा दुःसह दूरा" तुक्का प्रसन्न कोरचॅं आमगेलॅ सगळॅ उपाय हरलॅ, आसं हटं धोर्नूं बोसचॉ एकूची उपायू वरला. आमगेली सत्वपरिक्षा पोळोंवचॉ तूंवॅं निर्धार कॅल्ला हॅं

निर्विवाद जाल्यारी प्रतीॲकाक हदद्दाळीत ही आस्ताची. तूंवँ कोरची सत्त्वपरिक्षा आनी गुरुप्राप्तीची आमगेली महत्वाकांक्षा ह्या दोन्नीचँ आत्तं शर्त लागल्यां. क्षमा, दया आनी दान ह्या तुगेल्या ब्रीदाचॉ तुक्का विसरु पळ्ळेलॉ तरके आमकां ताज्जॉ अभिमानू आस्स. तूंवँ आमगेलॅ गुरु आमकां दीवोवरेके.

[पद]

महाबळेश्वर श्रीगौरीरमणा। प्रसन्न जायना तरी।
कर्तलॅ अर्पण सारस्वतजन। प्राणांची आहुती।
धरणॅ धोर्नू निराहारी। परी मुखांतूं पंचाक्षरी।
ॐ नमः शिवाय। नमः शिवाय॥

शिवाय नमः ॐ नमः शिवाय। शिवाय नमः ॐ नमः शिवाय
शिवाय नमः ॐ नमः शिवाय। शिवाय नमः ॐ नमः शिवाय

[सर्व शिवनामा गजरू करताती]

[हळु हळु देवस्थानांतुली एक एक वाद्य वाजय्याक लागताती. गजरांचॉ ध्वनी तीव्रतेक पावता—वीजे म्हणके जॉरानँ आवाज जात्ता. शिवनामा गजर एकाएकी रावता आनी गडगडाटा आवाजांतू आकाशवाणी जात्ता.......]

आकाशवाणी:—

प्रिय सारस्वत भक्तवत्सला। संतोषूनी तव भक्तीबळा॥
उद्धारा ज्ञाती अखिला। दिंसां तव गुरु फेला॥१॥
समीप स्थान कोटीतीर्थ। प्रातःकाली दर्शवीन योगी समर्थ॥
शरणां तयांसी गुरु प्रित्यर्थ। तव ज्ञाती जातली कृतार्थ॥१॥

[वापस गडगडाटू जात्ता—गुडीं...... गर्भगुडींतुल्या तांबडॉ प्रकाशू नाची जात्ता आनी देवस्थानांतू वापस प्रकाश यॅत्ता.]

शंभू:—फाल्या सकांळी आमकां गुरुप्राप्ती जातली? आ हा हा हा! दीन दयाळा करुणासागरा महाबळेश्वरा, आमगेल्या प्रार्थनेक पावलॉ! म्हणा......

सर्व:—पार्वतीपते: हर हर हर हर महादेव.

शंभू:— [रागु:—मिश्रकाफी ताल:—एकताल]

आजी पावलॉ शंभो शंकरा
दीन दयाळा सिंधू सागरा ॥ धृ॥
ब्रीदा जागलॉ भोळानाथा
उद्धारूनी तूं ह्या दीना अनाथा
दिधला श्री सद्गुरू आसरा. ॥ १ ॥

[सगळॆ जानं पांय पडताती.]

[पडदॉ पडता]

—अंकु दुसरॉ समाप्त—

अंकु तिसरॉ

प्रवेशू पयलॉ

स्थळः—रस्तॉ

रामचंद्रय्याः—ताज्याकई स्पष्ट अशीची म्हणा इत्या की आम्मी आत्तंची कॉणाकई तॉंड दाकयनास्तना हें नगर सोंणणू वोचका म्होणू!

मुकण्णाः—आम्मी हें नगर सोणणू वोच्चीतितली पाळी आयिलीपक्षाक ह्या नगरांतू थेंवचें धैर्य कर्तशिलॉं वॅ हांव?

रामचंद्रय्याः—जाल्यारी, मुकण्णा, थंई जालेलें एक आनी तुवें सांगिलें विंगडचीं अश्शी जायनें मं!

मुकण्णाः—रामचंद्रय्या, हांव विचारतां हाज्जी क्षमा करी. पळयलें एक आना सांगचें विंगडचीं अश्शी कोरच्यांतू मगेलॉ उद्देशू कसलॉ?

रामचंद्रय्या—मुकण्णा, माक्का क्षमा करी. हांवें तें वाईट अर्थानें म्हण्णेशिलें दॅवानें प्रसन्न जांवचें अथवा आकाशवाणीनें कॉणागेलेंई मनोरथ पूर्ण कोरचें ह्या सगळया खबऱ्यांक पुराणकाळांतूची समाधी मेळेली म्होणू लेकिलें हांवें; जाल्यारी हॉ अद्‌भूत प्रकारू आयकुनू बुद्धीमानचीं नष्ट जालें आनी त्यामितींची हांवें तश्शी प्रश्न विचारनू भास्काज.

मुकण्णाः—हांवें त्या चमत्काराचॉ प्रत्यक्ष अनुभवू घॅनातिलपक्षाक हांव तांक्का जादुगारागेली हातचलाखी म्हणतशिलॉं. दॅवळांतू आकाशवाणी जायनाफुडॅ माक्का अजप जालें, जाल्यारी थॉडॉ विचार कर्तची संशयानें त्या आश्चर्याक दूर कॅलें, आनी कोटीतीर्थारी वत्तची तॉ संशयसुदांई दूर जालॉ.

रामचंद्रय्याः—आकाशवाणींतू सांगिल्या प्रकार कोटीतीर्थारी ह्या सारस्वतांक ॅ योगी मॅळ्ळॅ हें एकचो कारण जालॅं न्हईवॅ वॅ तुगेलॉ संशयू

दूर कोरूक?

मुकण्णाः—योग्यांक पोळोवनूची भुलव्यातितलॉ भॉळॉ न्हई हांव.

रामचंद्रय्याः—मागीरी संशयू दूर कोरूक कारण कसलँ जाल्लँ?

मुकण्णाः—वेशांतरांतू राबुनू नारायणपय्याचेरी नजर दवोरूक तुवँ माका गोकर्णाक पेटय्यलॉ हँ कॉणाकई गोत्तु आशिल्लँ वॅ?

रामचंद्रय्याः—गोत्तु आस्सुक कारणची ना!

मुकण्णाः—तावळी नारायणपय्याक अभय नी आशिर्वाद दितना "तुमगेल्या पॉटजाळी वैऱ्यांगेली नजर तुमचेरी आनी थॉडे दिवस वर्तली, इतलेंची न्हइ ह्या क्षणाकई तुमगेलॉ अॅकळॉ वैरी तुमच्या फाटीमाक्षीची आस्स" अश्शी त्या योग्यांनी इत्या सांगका?

रामचंद्रय्याः—अंदाजानँ म्हळेलँ खरँ जाल्लँ म्होणू तुवँ तुगेल्या मनाची खात्री कोर्नू घेंवचँ कांई बुदवंतपण जायना.

मुकण्णाः—आस्सुक फाव आस्स, जाल्यारी रामचंद्रय्या, प्रत्यक्ष दॉळ्यांनी पोळोंवनू कान्नांनी आयकतची सुदांई मनाक फटोंवचँ म्हळ्यारी बस्वेश्वर रायाक फटोंवचँ तितलँ ससार न्हई!

रामचंद्रय्याः—बस्वेश्वराक फटोंवचँ एकपेट्टी साध्य जाल्लँ म्होणू तँ अनंतकाळथाई साध्य जायना.

मुकण्णाः—प्रयत्न कॅल्यारी सगळँ जात्तां, जाल्यारी ताका निश्चया बल जांवका!

रामचंद्रय्याः—निश्चयाचँ बल आशिलविनाह्ा ह्या सारस्वतांक ह्या नगरांतू सुण्या-माजराकइ पाष्ट कोर्नू दवर्नेंतो. सांग, कस्लँ कोरका सांग! ह्या सारस्वतांक नष्ट कोर्नू आमगेलँ वर्चस्व ह्या नगरांतु स्थापन कोरूक नर्कूथाई भोगुक तयार आस्स हांव.

मुकण्णाः—सांगतां, जाल्यारी नंजुंडागेल्या तंडाक अॅरुळाक मेळका पडतलँ आनी त्या तंडानँ तयार जाल्यारी कइँरी सांगतां तुका कस्लँ कोरचँ तँ.

रामचंद्रय्याः—तरी आत्तंची त्या कामाक लागयां. नांकालागी कापुसू धोरची पाळी आयल्या, तावळी वेळ घालोंवच्यांतु अर्थू ना. [दॉग्गई वत्तातो]

प्रवेशु दुसरॉ

स्थळः—बस्वेश्वरागेली बाग.

सेवकू :—[प्रवेश कोर्नु] महाप्रभोंगेलॉ घॉडॉ तयार आस्स.

बस्वेश्वरः—आजी ताज्जी कांई जरूरीं ना! वच, अश्वपालाक सांग की आजी धोर्नू ह्या नगरांतु सर्वत्र शांतता पसोरोवरेके आम्मी ह्या राजवाड्या-भायर पावूल दवोरचँ ना अश्शी निश्चय कॅल्ला म्होणू. [सेवकू वत्ता] [स्वगत] राजवाड्यांतू सुखाची आनी ऐषआरामाची सर्व साधनं आस्तनां, घॉड्यारी विराजमान जावनू गांवची भोवंडी कोरचँ कस्लँखात्तीर? की चौवीस तास दॉळ्यांइदूर आस्तलँ चिकेची आड जांवका आनी राज्य-कारभारा विवंचना करत आशिल्या मनाक प्रसन्नता मेळका म्होणू! मनाक प्रसन्नता? ह्या बस्वेश्वरागेल्या आयुष्यांतु ह्या मुखारी तागेल्या मनाक खंच्या थरेची प्रसन्नता मेळची आस्स? ह्या आमगेल्या नगरसंस्थानाक्क भरभराटीक पावयतल्या ह्या सारस्वतांक, आजी तांगेलँ घरदार सोण्णू अन्नउदकाविनाह नगराभायर रानांतु राबका पळ्यां! आनी हँ इत्या? मूर्ख प्रजेनँ पॉटजाळांनीं निर्माण कॅलेल्या संशयाचॉ परिणामू म्होणू. अन्यायानॅ चलतल्या प्रजेक शासन करतल्या आग्मीची असल्या अन्यायाक उत्तेजन दिंवका? कितलँ लांच्छन हँ आमकां? [रामचंद्रय्या प्रवेशु करता.] रामचंद्रय्या, ह्या वॅळारी आमगेली भॅट घेंवची इत्या इच्छा केल्ली?

रामचंद्रय्याः—घॉड्यारी सहली कोरचॉ महाप्रभूंगेलॉ नित्यनेमू आजी चुकलॉ, तावळी आंगांतू बरँ ना इतकी ह्या विवंचनेनँ चौकशी कोरूक आयिलॉं!

बस्वेश्वरः—तितलैं खंई आस्स आमगेलैं भाग्य, रामचद्रय्या? देहस्वास्थ्य नष्ट जावनू ह्यावॆळारी मरण आयल्यारी उत्तम जात्तशिलैं अश्शी दिस्सू लागल्यां आमकां.

रामचंद्रय्याः—असली अपवित्र वाणी महाप्रभोंनी इत्या उच्चारली?

बस्वेश्वरः—सध्याक ह्या नगरांतु सर्वत्र अपवित्रचीं चलल्यां, तावळी आमगेल्या वाणींतू पुणी पावित्र्य खंचॆं यॆतलैं?

रामचंद्रय्याः—अश्शी ईत्या दिसता महाप्रभोंक?

बस्वेश्वरः—इत्या दिसुनयँ? रामचंद्रय्या, अड्रेच म्हयिन्या माक्षी ह्या नगराची कसली स्थितिशिली आनी आजी कस्ली स्थीति आस्स? गावांतु वोचुगॅल्यारी, तांतुई विशेषतः सारस्वतांगल्या केरींतू वोचुगॅल्यारीं दुष्काळांतू पाड्डु पळेलॉ गांवसॉ दिसता. तँ चुकोंवच्याक नगराभायर खंई वोच्या म्हळ्यारी, गांवतुल्यांगेल्या जुलमानँ निराधार जावनू रान्नांतु येवनूं राबिलॉ सारस्वतांगेलॉ तड्डू देक्कूक पडता. नारायणपय्या तांगेल्या गुरुंक घेवनू बेगी येतलॉ म्होणू उत्सुकतेनँ दाट पळयत आशिलँ तॅ दारलॅ,, बासुणू वॅजारारी आस्स म्होणू काळजी कर्तल्यॉ तांगेल्यॉ त्यॉ बायलॉ आनी पॉट्टापॉटभरी खांवच्या नातिलमितीं निस्तेज जालेलीं तांगेली ती चेल्डवं ....ना, ना, रामचंद्रय्या, हँ सगळँ आमच्यामिती आनी पोळोंवच्या जायना.

रामचंद्रय्या :—ताक्का उपाय नाति महाप्रभो! ईश्वरी इच्छा बलीयसी अशी म्होणचँ आनी आयिल्या प्रसंगाक धैर्यानँ तॉड दिंवचँ इतलेंची आमगेल्या आधीन आस्स.

बस्वेश्वरः—जाल्यारी त्या धैर्याक हदद्दाळीत आस्स की ना! आनी कितलॅ दीस ह्या सारस्वतांनी कष्ट भोगचँ आनी खंईवरेके आम्मी तँ पळयत बोसचँ?

रामचंद्रय्याः—अन्नदातांनी नारायणपय्याक दिलेल्या तीनी म्हईन्या

वायद्यानंतर तँ पोळोंवची पाळी येशना अशी माक्का दिसता.

बस्वेश्वरः—खंच्यावेल्यानँ?

रामचंद्रय्याः—नारायणपय्याक तांगेलॅ गुरु मॅळ्याती अशी वर्तमान मगेल्याची न्हंई सर्व प्रजांगेल्या कान्नारी आयल्यां.

बस्वेश्वरः—खरॅंची? रामचंद्रय्या, आमगेल्या समाधाना खातीर तूं हँ सांगना मं!

रामचंद्रय्याः—महाप्रभोंइद्रारि ह्या रामचंद्रय्यागेल्या जिब्बेनँ असत्य कॅर्नाई उच्चारल्यां वॅ?

बस्वेश्वरः—खंई आनी कश्शी मॅळ्ळॅ?

रामचंद्रय्याः—गोकर्ण महाबळेश्वरागेल्या कृपेनँ कोटीतीर्थारी मॅळ्ळॅ, आनी परीवारासमेत तांगेलँ आगमन ह्या नगरांतू आनी आट धा दिसां भित्तरी जातलँ अश्शी वर्तमानई मगेल्या कान्नारी आयल्यां!

बस्वेश्वरः—तरी मागीरी सारस्वतांगेलँ कष्ट आनी आट धा दिसांपुरतँ आस्सती अश्शी म्होणूक अड्डी ना!

रामचंद्रय्याः—तँ मात्र कॉणॅ सांगका, महाप्रभो!

बस्वेश्वरः—इश्या!

रामचंद्रय्या :—प्रजेगेल्या मत्सराचॉ नमुनॉ आनी मुखारि विंगड थरेंनॅ जांवच्याक फाव आस्स अश्शी दिसता.

बस्वेश्वरः—म्हळ्यारी?

रामचंद्रय्याः—प्रजेनँ म्होणचँ ईतलेंची की सारस्वतांगेलॅ गुरु आद्य शंकराचार्यांगेली पिठीका चोलोंवच्याक योग्य आस्सती अश्शी शृंगेरी मठाच्या जगद्गुरूंनी लेखी मान्य कोरका म्होणू

बस्वेश्वरः—कस्लँ? साधूसत्पुरुषांगेली अवमर्याद कोरची तितली हदहाळीत मिरुयली ह्या नगरवासीयांगेली? ना! रामचंद्रय्या, प्रजेगेल्या

शब्दांक एकपेटी मान दिवनू सज्जनांगेलॉ छळवादू कॅल्लॉ, जाल्यारी आत्तं तांगेल्या स्वरातक नांचतची सत्पुरुषांगेलॉ अनादरू कोर्नू पूर्ण अधोगतीक पांवची आमगेली इच्छा ना!

रामचंद्रय्या :—प्रजेगेलँ म्हणणँ आयकुनू, महाप्रभो म्हणकेची मगेल्या मनांतु तॉची विचारू आयिलॉ, जाल्यारी थोडॉ विचार कर्तची तें घातक जायद अश्शी माक्काची दिस्लँ!

बस्वेश्वरः—घातक?

रामचंद्रय्याः—होई, महाप्रभो! मत्सरानँ आस्सॉ एकेंयि प्रामाणिक संशयानँ आस्सॉ, प्रजेगेल्या कृत्यांचें दुष्परिणाम आत्तंवरेके सारस्वतांक मात्र भोगका पळ्ळॅ, जाल्यारी आत्तं प्रजेगेल्या शब्दांक मान दीनातल्यारि ताज्जं दुष्परिणाम तांगेल्या गुरुंकथाई भोगका पडतीद की म्होणू भय्य दिसता.

बस्वेश्वरः—जाल्यारी शृंगेरीच्या जगद्गुरूंनी मान्यता दिंवका म्होणचँ म्हळयारी सारस्वतांगेल्या गुरुंचेरी अविश्वासू दाकयल्या म्हणकॅ जायना?

रामचंद्रय्याः— मान्य, जात्ता! जाल्यारी अन्नदाता कांई तँ स्वार्थाखात्तीर सांगनाती! तांगेल्याची पंथाच्या बरेंपणाखात्तीर आनी तांगेली योग्यता जगाक कोळका म्हळेलखात्तीरची सांगताती!

बस्वेश्वरः—जाल्यारी तॅ आनंदानँ तयार जातीद वॅ?

रामचंद्रय्याः—ईत्या जायशनाती म्हळेलँ? शृंगेरीच्या शारदांबेगेल्या दर्शनाचॉं सुयोगू आयतोची आयल्यारी खंचॉं सत्पुरूषू ना म्हणद? त्यानंता सारस्वतांगेलँ गुरु जरी खरेंची जगद्गुरूपदाक योग्य आस्सती, तरी तॅ महाज्ञानी आस्काती - अंतर्ज्ञानी आस्काती म्हळेलतरके अश्शी ना.

बस्वेश्वरः—म्हळयारी!

रामचंद्रय्या—हावँ म्होणच्या अर्थू इतलोची की नगराची प्रजा मुखारी संशयू घेंवच्या फाव आस्स हँ तांका अंतर्ज्ञानानँ कोळका आनी नगरा येंवच्या ॲकळाकची सारस्वतांगेल्या गुरुंनी शृंगेरीक वोचका!........

नारायणपय्या :—[प्रवेश करतची]आनी तशीची जाल्यां आम्गेल्या गुरुंनीं शृंगेरीकची प्रयाण कॅल्यां.

बस्वेश्वर:—नारायणपय्या, तू नगरांतू वापस कॅर्ना आयलॉ!

नारायणपय्याः—आत्तं आयलाँ मात्र, अन्नदाता! हांगा येंवका जाल्यारी रीतीरिवाजाक सम जावनृं अन्नदातांगेल्या आज्ञेची वाट पळयनँ त्याखातीर क्षमा आस्काब!

बस्वेश्वर :—आस्सो! चिंता ना.जाल्यारी तुमगेलॅ गुरुशृंगेरीक वोचुगॅल्याती म्हणालॉ?

नारायणपय्या :—होई महाप्रभो! आमगेलॅ गुरु शृंगेरीक वोचुगेल्याति.

रामचंद्रय्याः—[स्वगत] शृंगेरीक वोचुगॅल्याती?...शृंगेरीक......... शृंगेरीक!

बस्वेश्वर :—जाल्यारी शृंगेरीक शीदा वोच्चँ कारण?

नारायणपय्याः—तँ मात्र श्रीमत् परिज्ञानाश्रमांनीं सोडोवनू सांगनँ आमकां!

बस्वेश्वरः—हॅ श्रीमत् परिज्ञानाश्रम कॉण?

नारायणपय्याः—सारस्वतांगेलॅ गुरु!

बस्वेश्वरः—मागीरी तूं इत्या वचनँ तांच्यासांगाती!

नारायणपय्याः—सद्गुरुंगेली आज्ञा! नगरांत येंवच्या अँकळाक शृंगेरी मठांतू एक महत्वा कार्य आस्स, तावळी आप्पण थंई वत्ताती, आनी नगराच्या प्रजेंगेल्या समाधानाखात्तीर अन्नदातांगेली आनी कसली अप्पण आसल्यारी तो विचारनू घेवनू शृंगेरीक येंवका अशी माक्का अप्पण जाल्या.

बस्वेश्वरः—रामचंद्रय्या, नारायणपय्यानँ सांगिल्लँ आयकलँ! सारस्वतांगेलॅ गुरु श्रीमत् परिज्ञानाश्रम स्वामी ज्ञानीं मात्र न्हई. अंतर्ज्ञानीई आस्सती

अशी दिस्सना तुका?

रामचंद्रय्याः—महाप्रभो, अर्थाचॉ अनर्थू जांवनयें! तावळी हावँ सांगिलॉ प्रजेगेलॉ अभिप्रायू—मगेलॉ संशयू न्हई!

बस्वेश्वरः—तरी मागिरी श्रीमत् परिज्ञानाश्रम स्वामी आद्य शंकराचार्यागेली पिठीका चोर्लोवच्याक योग्य आस्सती अशी शृंगेरीच्या जगद्गुरुंनी लेखी मान्य कोंरचँ अवश्य आस्स अशी तुका आत्तंई दिसता?

रामचंद्रय्याः—प्रजेक तश्शी दिसता, जाल्यारी मुखारी महाप्रभोंगेली इच्छा!

बस्वेश्वरः—तरी आमगेली इच्छा आम्मी आत्तंची जाहीर करताती! प्रजांगेल्या इच्छेक एकपेटी मान दिवनू अन्याया पातक मस्तकारी घेतलँ, आत्तं तश्शी कोर्ची आमगेली इच्छा ना!

नारायणपय्याः—अन्नदातांगेल्या इच्छेविरुद्ध वत्तां हाज्जी माका क्षमा कोरका. आमगेल्या सद्गुरुंविषयांतू कॉणागेल्याई मनांतू संशयू वोरका अशी आमगेली इच्छा ना आनी आमगेल्या गुरुंगेलीई इच्छा ना! शृंगेरीच्या जगद्गुरुंगेली लेखी मान्यता जांवका अशी प्रजा म्हणता, तरी तांगेल्या शब्दांक मान दिवच्याक हांव तयार आस्स. अन्नदातांगेल्या आज्ञेविना हांव शृंगेरीक प्रयाण करतां हाज्जी क्षमा आस्काज. [वत्ता.]

बस्वेश्वरः—रामचंद्रय्या, सारस्वतांविषयांतू पूर्ण सहानुभूतीचँ आत्तंवरेकँ तूँवं भायल्या मट्टाक प्रदर्शन केल्लें, जाल्यारी अंतःकरणांतुलँ पाप आपांपी भायर पळ्ळँ!

रामचंद्रय्याः—मजअसल्या प्रामाणिक सेवकाचेरी संशयू इत्या आयलॉ महाप्रभोंक?

बस्वेश्वरः—सारस्वतांक तांगेल्या गुरुंगेलॉ लाभू जाल्लॉ म्होणू तुगेल्या तोंडारी समाधान नी आनंदू दिसच्या बदलाक चिंतेंची कळा इत्या आयली?

रामचंद्रय्याः—अन्नदाता.........

ब्रस्वेश्वरः—ह्याविषयारी चर्चा कोरची आमगेली इच्छा ना! [वत्ता]

रामचंद्रय्या :—(स्वगत) हांव कोरुक गॅल्लॉं कस्लॅं आनी जाल्लॅं कस्लॅं!

[पडदॉ पडता]

प्रवेश तिसरॉ

स्थळः—शृंगेरीलाग्गीचॉ एक रस्तॉ

[शंभूभट्ट आनी मंजुनाथ प्रवेश करतातीं]

मंजुनाथः—[प्रवेश करतचीं] शृंगेरी मठा असल्या धर्म केंद्रातू इतलॉ अविचारू नी अत्याचारू? प्रत्यक्ष परिज्ञानांश्रमांगेलॉ अनादरू! एकुणू रामचंद्रय्यागेल्या पंगडानॅं शृंगेरींतूथाई कपटकारस्थानाचॅं बलॅं जब्बर पसरयल्यां!

शंभूः—मंजुनाथय्या, आत्तं कस्लॅं जाल्यां हाजॅं वर्णन सांगुनू कसलॉ फायदॉ! मुखारी इत्तॅं?

मंजुनाथः—मुखारी इत्तॅं म्हॊणू सांगतलॅं कॉण? सद्गुरू इदूर वोचची कॉणामितीई धैर्य जायना तावळी उलोंवचॅं पुणी कॉणॅं! भटो......

शंभू :—हॅं पळॅ, मंजुनाथय्या, तूं पुणी माका शंभू म्हॊणू आरई! आत्तं सांग कस्लॅं सांगचॅं आस्स तॅं!

मंजुनाथः—सांगतां! नगराक वोचची तयारी आस्स वॅ तुगेली!

शंभूः—अश्शी उपास काणणू?

मंजुनाथः—शंभू, गोकर्ण महावळेश्वरा दॅवळांतू धरणॅं धोर्नू बस्तना तीनी दिवस आम्मी उपास काळ्ळॅ, आनी आत्तं.........

शंभूः—हैं पळे, मंजुनाथप्प्या, हांवें तावळी उपासू कॅल्लॉ खरें, जाल्यारी तावळी करतली नी करयतली मगेली बायलशिल्ली, जाल्यारी आत्तं करतलीं आनी क्करयतलीं हांवची जाल्ला! तावळी ऽऽ

मंजुनाथः—हैं पळे, शंभू, सुत्तू कस्लें चलल्यां हें कांई हांवें तुक्का सांगका म्होणू ना! हांगा लोकांनी आमचेरी बहिष्कार घालनू आमकां अन्नउद्दाक मॅळणाशी कोर्नू घाल्यां!

शंभूः—तें हांव न्हंई म्हणतां वॅ? तावळी कस्लें जाल्लें हांवें तुक्का सांगल्या न्हंई वॅ? त्या म्हांतान्येनें सगळीं फळं सान्याफाँडांत् उडयली जाल्यारी आमकां पॉळोंवच्याक सुदांई दिनेती.

मंजुनाथः—होई न्हंई वॅ! तावळी सर्वांगेलें वळवळे चुकोंवच्याक दॉगतॅग्गजणांनीं चड वांट कांडचें योग्य म्होणू तुक्का दिस्सना?

शंभूः—तावळी हांव एक विचारतां, कोप्पू नाक्का! तूंची इत्या वचना!

मंजुनाथः—हांगा तूं आत्तांची आयला त्यामिती तुक्का कळशना तें! सारस्वतांगेलॉ सर्वनाशू कोरू पळयतलें हांगाचें लोक कस्लें करतीद हाज्जॉ कस्लोई नेम ना. काली शारदांबेगेल्या दर्शनाक वोचुगॅलेल्या श्रींगेलॉ तान्नी अनादरू कॅल्लॉ, तावळी आजी फाल्या ताज्याकई मुखारी वचशनाती हें खंच्यावेल्यानें? तावळी असल्या परिस्थीतींत् ह्या गांवांतु नवें आशिल्या तुमच्या स्वाधीन श्रींक सोण्णू करशी वोचें तूंचीं सांग!

शंभूः...जाल्यारी हांव नगराक वोचुनू कर्तलॉपुणी कस्लें?

मंजुनाथः—चड कस्लें कोरचें नाक्का! नारायणपप्यागेल्या कान्नारी हांगा जालेलें सगळें घाली!

[इतल्या घड्यांत् वीज झगझगता शंभू चारी दिकांक पळयता]

शंभूः—आं! सकांळी धोर्नू ह्या मॉडांमिती सूर्य दर्शन जायनें, आसं वीज झगझगच्याक लागली!

मंजुनाथः—जाल्यारी हांव सांगिल्या जवाब दी ॲकळाक!

शंभूः—जबाब दिंवच्याक...... [वीज झगझगता–गडगडाटू जात्ता] अय्योमा! पळॅ, मंजुनाथय्या, आत्तं पावसू येवनूं दुष्काळांतू तॅरावॉ म्हइनॉ जातूलॉ, तावळी.......[वीज आनी गडगडाटू] मंजुनाथय्या–मंजुनाथय्या .... आत्तं पावसू यॅत्ता खंडीत! ॲकळाक सद्गुरुंखात्तीर सुरक्षीत जागॉ पोळोंवयां—

मंजुनाथः—सुरक्षीत जागॅ आस्सती मस्त जाल्यारी दितूलॅ कॉण?

अनंतय्याः—[प्रवेशू कोर्नूं] कॉणेइ दिंवच्याक तयार नाती! आमकां तांगेल्या सावळॅतू उर्वोवच्याक सुदांइ दीनाती! मंजुनाथय्या, अन्नासाधन मेळोंवच्यॅ आमगेलॅ उपाय निष्फल जाल्लॅ! खंइ वच थंइ "आयिल्या वाट्टेनँ परत वचाती" अशीची जबाब मेळ्ळी! आनी ताज्यावयरी... [वीज आनी गडगडाटू]

शंभूः—मंजुनाथय्या, आत्तं आनी विचार कोरच्यांतू अर्थू ना, श्रींनी आशिलकडॅ वोच्यां बेग्गीं!

[वीज आनी गडगडाटू जात्त आस्ता]

मंजुनाथः—आरेरे! आम्मी कोरू गॅलॅ कस्लँ आनी जालँ कस्लँ! आमगेल्या जात्ती उध्दाराक गुरू मेळइलॅ खरँ, जाल्यारी तँ गुरुंक कष्टांतू घालच्यापुरतँ जाल्लँ! दॅवा भगवंता, तॅल्ला कायलींतू थावनू आमकां भायर काळ्ळँ तँ असल्या उज्यांतू आमगेलीं आहूती दिंवच्याखात्तीर?

शंभूः—[उजवेदिक्कनँ पोळोवनू] वोच्यां बेग्गी! ऊऽऽऽऽथंइ पळॅ पावसू सुरू जाल्लॉ! [वीज नी गडगडाटू जॉरानँ जात्ता]

मंजुनाथः—[अवाजु जात्त आस्तना] अनंतय्या, वच! आमगेल्या सर्वांक ठाण्यारी वोच्याक सांग! हांव श्रींनी आशिलकडॅ ॲकळाक वत्तां

आनी तश्शींची नारायणपय्याक मळूक नगराक वत्तां!

अनंत—नारायणपय्याक मेळूक नगराक वोच्ची अवश्य-ना! नारायण-पय्याची हांगा आयला!

मंजुनाथः—नारायणपय्या आयला? देवू पावलॉ!

अनंत—देवू पावलॉ की दैत्यू पावलॉ तँची पोळोंवचॅं बाकी वरल्यां! मंजुनाथय्या, हरिश्चंद्राकई आमगेल्या सारस्वतांगेली सत्वपरिक्षा भयंकर कडक आस्स! शृंगेरीच्या जगद्गुरूंगेली मान्यता हाडची अप्पण जाल्या!

मंजुनाथः—नारायणपय्या आयला न्हंई वॅ? तितलेंची पुरॉ माक्का! ज्या देवानँ आमकां गुरू दिल्लॅ तॉची देवू त्या गुरूंगेली मर्याद राकतलॉ! [वीज–गडगडाटू आनी पावसाचॉ अवाजू] वोच्यां . नं! आयलॉ पावसू! धांवा!

[सगळॅ धांवनू वत्ताती]

प्रवेशु चवथॉ

स्थळः—शृंगेरी मठाचँ सभागृह

[विजे गडगडाटासांगाती पावसाचॉ अवाजूई आयकू यॅत्ता]

पारिपत्यगारः—आश्चर्य! ह्या अवॅळारी पावसू खंचॉ? वर्सांतु एक दोनी पेट्टी अवॅळा जोरू पावसू यॅत्ता आनी जॉरानँ वादळइ जात्ता, जाल्यारी हॅं दीस कांई त्या पावसाचॅं नीं तुफानाचॅं न्हंई! तुफानची न्हंई, तुगभद्रेक अनावर ऊवारू आयिल्तावळी चारी दिकांच्या हळयेंतुल्या जानांनीं ज्या शृंगेरी पवित्र मठाच्या आश्रयाक धावनू येंवका, त्याची मठारी असल्या भयंकर तुफानानँ अवकृपा इत्या कोरका! रामाचार, ह्या पवित्र मटांतु कॉणेई भ्रष्टाकारु कर्नें मं?

रामाचारी:—तश्शी जांवच्याक कारणची ना आनी संभवूई ना. असल्या पवित्र स्थानांतू भ्रष्टकारू नी अत्याचारू जायनाशी आम्मी इतली दक्षता घॅत्त आस्तना, पापाचरण कॉरचॅं कॅाणाक धैर्य जायद, शास्त्री?

पारिपत्य:—तरी प्रातःकाला धोर्नू ह्या मठारी असली अवकळा इत्या पसरल्या? फाल्लॅं जांवच्याभत्तरी हॅां पावसू नी वादळ, आनी वेळू जावनूंई अनुष्ठानाक बशिल्या जगद्गुरूनीं अजुनिके उटायना जांवचॅं!

रामाचार—रामाचार, आत्तां जात्तं आशिल्लॅा अनर्थू कांई निसर्गाचॅा खेळू न्हई! काली ह्या मठांतू कस्लेंपुणी अनाहूत जावनू आस्काज. शारदा-मातेक कोपू हार्डोवचॅं तस्लॅं दुष्कृत्य हांगा जालेल्लविना अश्शी जांवच्या फाव ना.

रामाचार:—शास्त्री, ह्या मठांतू कस्लोई अत्याचारू जाल्लेलॅा आशिल-पक्षाक, तॅा ह्या मठांतू आशिल्यांनीं करनॅं, इतलॅा माक्का आत्मविश्वासू आस्स.

पारिपत्य:—मज्यानॅ नी तुज्यानॅ सोडोंवच्या जांवचॅा तसलॅा प्रश्नू न्हई हॅां. जगद्गुरूंनींची आत्तां आमकां मार्गू दाकोंवका. जगद्गुरू अनुष्ठानाक बसल्याती. वच, थंई भायरची राब, आनी तान्नी उटायची माक्का सांग.

रामाचार:—ही ही देवागेली करणी, तांतू जगद्गुरूंक——!

पारिपत्य:—रामाचार, अनमान इत्या करता!

रामाचार:—अनुमान न्हई, जाल्यारीऽऽ...! मगेली चूकी जाल्ली! वत्तां! [वत्ता]

पारिपत्य:—[स्वगत-] आजी खंई दृष्टि फिरांवकां थंई विचित्रची दिस्ता. सांगिल्लीं कामं हुम्मुसु काण्णास्तना कर्तलॅा रामाचारू हॅा सुदांई वळसवळसं कोरू लागलॅा? छॅ! कितल्याक विचार कोरका तितल्याक विचार जास्तीची यॅत्ताती, आनी भायर सुटील्या वादळाम्हणकेची मात्यांतू विचारा वादळ... [जॅारानॅ वीज कडाडता- एक मोण्णु पल्लेन्नो अवाजु येत्ता आनी ताज्यासांगातींची जानांगेली बॅाब आयकता.] जगत् जननी

शारदामाते, हँ कस्लँ आनी!....

रामाचारः—[घाबरेवनू प्रवेश कर्तची] शास्त्री-शास्त्री [आयिलवाटेकडे पळयता]

पारिपत्यः—कस्लँ जाह्लँ?

रामाचारः—शारदांबेची...शारदांबेमूर्ती...

पारिपत्यः—शारदांबे मूर्ती? कस्लँ जाह्लँ मूर्तीक?

रामाचारः—विजेचॉ गडगडाटू जॉरानँ जाह्लॉ...मूर्तीसुत्तू दॉळॅ दिपयतलॉ प्रकाशू जाह्लॉ —हावँ-हावँ...दॉळॅ चिम्मी कॅह्ले...प्रत्यक्ष अग्नीची माह्का पोटोळनु धरता अश्शी भासू जाह्लॉ...मुर्तीसुत्तू आशिलॉ प्रकाशू एकाएकी नाऽऽच्ची जाह्लॉ...कड्डेरी...कड्डेरी...

पारिपत्यः—कड्डेरी? रामाचार-रामाचार, मूर्ती सम आस्सं मं?

रामाचारः—मूर्ती सम आस्स, जाल्यारी—जाल्यारी-

पारिपत्यः—जाल्यारी?

रामाचारः—निस्तेज-निस्तेज जाल्या!

पारिपत्यः—निस्तेज! निस्तेज! शारदांबेगेली मूर्ती निस्तेज जाल्या! रामाचार, खात्रीनँ-खात्रीनँ मठांतू कस्लॉकी अत्याचारु जाह्ला—शारदांबा कॉपल्या. रामाचार—रामाचार...

नंजुंडाः—[प्रवेश करतची] शास्त्री-शास्त्री... अनर्थू अनर्थू जाल्लॉ!

पारिपत्यः—आनी कस्लँ जाल्लँ?

नंजुंडाः—पुर्वेक आशिल्या उग्राणा घरारी वीज पळ्ळी-धान्यापणतं करपूनू गेल्लीं!

पारिपत्यः—आनी पश्चिमेक आशिल्लँ?

नंजुंडः—येदोळ्ळ्याक सुरक्षित आस्स! जाल्यारी वाट वंद जाल्या. वाटेरी आश्शिले रुक सर्व पळ्यांती–कुळटालागीथाई उद्दाक भरल्यां.

पारिपत्यः—ह्या पवित्र मठांतू हॉ अनर्थू?...झाडं कोसोळणू पळ्ळीं, सर्वत्र उद्दाक झाल्यां, उग्राणा घर विजेनँ करपूनू घाल्लँ आनी शारदांबे मूर्ती निस्तेज जाल्ली! जगत्जननी शारदांबे, अश्शी इत्या कॉपल्या आमचेरी! कॉण्या भरांतू तुगेल्या घरांतूची तुवँ इतलॉ अनर्थू कॅल्लॉ, तावळी मठाभायर कस्लँ कोन्नं आस्काज तुवँ? रामाचार, वच, सर्वत्र जलमय जावनू आस्का, घॉडे बैलांचॉ कांई उपयोगू जायशना. मठांतुल्यॉ हस्त्यॉ भायर काडी...गावांतू नशिबांसार कॉणेई वांचुनु वरल्यारी तांकां मठांतू घेवनू यॉ...

मुक्कणाः—[सगळोची तिंबूनु प्रवेश करता] हस्त्यांचॉ कांयिई उपयोगू जायशना, शास्त्री. रवँई दॅक थँई उद्दाक भरल्यां इतलॅची न्हई, तुंगभद्रेक ऊवारु येवनू न्हंई नी भूंई एक जावनू गॅल्यांती.

पारिपत्यः—तुंगभद्रेक ऊवारु येवनूं न्हंई नी भूंई एक जावनूं गॅल्यांती? कलंकी अवतारांतू जलप्रलयू जावनू जग बुडतलँ म्हणताती! कलीनँ नी कलंकीनँ एक जावनू हॉ जलप्रलयू करनँ मं? जलप्रलयू—जलप्रलयू... रामाचार, तॉंड इत्या ग्रुंवडायलँ? कस्लँ जाल्यां सांग. मठांतू अत्याचार जायनँ म्हणतालॉ, जाल्यारी आत्तं तॉंड इत्या चुकइता? आनी हॅ दॉग्गई इत्या तॉंड चुकयताती? रामाचार, मज्यादिकानँ पळॅ! रामाचार, रामाचार, कस्लँ जाल्लँ हांगा!

रामाचारः—कांई ना–कांई ना, शास्त्री?

पारिपत्यः—मागीरी तुमगेल्या तॅग्गांगेलींई तॉंडं दॅवल्यांती इत्या! रामाचार, रामाचार, सांग, तूं जगाक फटयशी, तूं माका फटयशी, जाल्यारी जगद्गुरुंक फटोंवच्याक जायशना–शारदांवेक फटोंवच्याक जायशना...

सांग–सांग कस्लँ जाल्लँ तँ!

रामाचारः—माका गोत्तु ना–माका गोत्तु ना, शास्त्री, खरेंची माका गोत्तु ना. [जघांटेचॉ अवाजू जात्ता] जगद्गुरू!

पारिपत्य—रामाचार, तुवँ कितलोई निपोवनू दवोरचॉ प्रयत्नू कॅलेलतरी जगद्गुरूंगेल्या मुखांतुल्यानँ हें भायर पव्हेलविना रावशना. राव! सद्गुरूंगेली भॅट घेवनू कड्डेरीची तुगेलॉ समाचारू घेत्तां! [भित्तरी वत्ता]

रामाचारः—मुकणा, ह्या सर्व अनर्थाक कारण तुम्मी! करतलॅ तुम्मी आनी आतं भोगका पडता आम्मी.

मुक्कणाः—आम्मी सांगतलॅ चांडाळशिल्लॅ, जाल्यारी आम्मी सांगिलत्तक चलतना तुमगेली अक्कल खंई गेलेली?

रामाचारः—आमकां अक्कल आसल्यारीं तुम्मी सांगिलत्तक कस्ल्याक नांचतशिल्लें? अक्कल ना म्होणूची आमगेलॉ सर्वनाशू–

पारिपत्यः—[कॉप्पानँ प्रवेश कर्तची] सर्वनाशू जांवचोची काळू आयला आत्तं! सांग, आत्तंपुणी खरें सांग! काली दर्शनाक कॉण आयिलें ह्या मठांतू?

रामाचारः—कॉणेई ना!

पारिपत्यःकॉणेंइ ना? तुम्मी अनादर कोर्नू कॉणाकई मठांतथावनू वापस पेटयनँ?

रामाचारः—कॉणेई येनेती आनी कॉणागेलोई अनादरू जायनँ!

पारिपत्यः—कॉणेई येनेती आनी कॉणागेलोई अनादरू करनँ?

रामाचारः—ना—ना—!

पारिपत्यः— चांडाळा! तुगेल्या अविचारामिती इतलॉ अनर्थू जावनूंई खरें सांगची बुद्धी जायना तुका?

रामाचारः—हांवँ अविचार करनँ, शास्त्री, खरेंची हावँ अविचार करनँ!

पारिपत्यः—तरी मागीरी शारदांबा जगद्गुरूं मुखांतरँ फट्टी सांगता? "मगेल्या भक्तागेलॉ ह्या मठांतू अनादरू कॅलॉ म्हळयारी प्रत्यक्ष मगेलोची अनादरू कॅलॉ. हॉ मठू सोणणू हांव मगेल्या भक्तालागी वत्तां" अश्शी शारदांबेनँ जगद्गुरुंक इत्या सांगलँ?

रामाचारः—शारदांवेनँ सांगलँ?

पारिपत्यः—प्रत्यक्ष शारदांवेनँ सांगलँ! चांडाळा, आत्तं पुणी कळ्ळँ शारदांवेगेली मूर्ती निस्तेज इत्या जाल्ली ती? मूर्ती निस्तेज जातना दॉळे दिपयतलॉ तस्लॉ प्रकाशू तुक्का इत्या दिसलॉ हाज्जॉ प्रकाशू आत्तंपुणी तुगेल्या मात्यांतू पळ्ळॉ!

रामाचारः—कॉणागेलॉई अनादरु जालेलॉ आशिलपक्षाक मगेलॉ त्रांतू कस्लोई समंदू ना, शास्त्री!

पारिपत्यः—कोरचँ कोर्नूई वयरी आनी फट्टी उलयता! तुगेलॉ समंदू नातल्यारी मूर्ती निस्तेज जातनां तुगेल्या आंगांतू मात्र उज्जॉ आयलॉ, बाकी कॉणागेल्या आंगांतू उज्जॉ यॅनँ इत्या? [रामाचारू कस्लेंई उलयना-भिवनू कडकडेता] कर्मचांडाळा, तुगेल्या पातकांमितीं तुंगभद्रेक ऊवारू येवनू न्हंई नि भुंई एक जाल्लीं, आत्तं न्हंई नी मठू एक जावच्या ॲकळाकची शारदामातेक शांत कोर्नू आशिल्लँ वांचोवनू घेवयां! सांग, आत्तं पुणी खरँ सांग! काली कॉण आयिल्लँ हांगा?

रामाचारः—नगरचँ सारस्वत!

पारिपत्यः—आनी कॉण आशिल्लँ तांच्यासंगाती?

रामाचारः—तांगेलँ धर्मगुरु!

पारिपत्यः—बाप्पूसु नात्तिलॉ पोरु म्होणू मढानँ तुक्का पॉसलॉ, अज्ञानाचॉ सज्ञानू कोर्नू हात्तांतू अधिकारु दिल्लॉ, जाल्यारी त्या अधिकाराचॉ दुरुपयोगू

कोरच्यांतू तुका बुदवंतपण दिसलँ? प्रत्यक्ष धर्मगुरुंगेलॉ अनादरु कोरची दुर्बुध्दी जाल्ली तुका? अनादरु म्होणू कस्लँ कॅल्लँ तुवँ?

रामाचारः—अब्राम्हणांक ह्या मठांतू जागॉ ना म्होणू वापस पेटयलँ?

पारिपत्यः—अब्राम्हणांक? अब्राम्हणांक! अश्शी! आत्तं कळ्ळँ तुम्मी दॉग्गई नगरांतथावनू शृंगेरीक कस्ल्याक आयिलॅ म्होणू. नंजुंडा, मुक्कण्णा, तुमगेल्या जातो वैमनस्य राजकारणापुरतँ दोवोरयेशिल्लँ, ह्या धर्म केंद्रांतू ताज्जॉ भ्रष्टाकारु कस्ल्याक कॅल्लॉ? सारस्वतांगेली बुद्धिमत्ता तुमकां सहन जायनॅ, तांका मेळचॉ मानसन्मानु तुमचेंमिर्ती पोळोंवच्याक जायनँ! रामाचार... रामाचार...सारस्वत तांगेल्या गुरुंसमवेत आत्तं खंई आस्सती हाज्जी चौकशीपुणी केल्ली तुवँ?

रामाचार:—व्हई! आजी फालफाल्लँथाई तुंगभद्रे तीरारी आशिल्लॅ—

पारिपत्यः—तुंगभद्रे तीरारी! [वीज आनी गडगडाटू जात्ता] तुंगभद्रेक ऊवारु येवनू न्हंई नी भूंई एकी जावनू गेल्यांती...! जगत् जननी शारदा-माते, आत्तंमात्र तुगेल्या भक्तांगेली लाज नो तारण तुगेल्या हात्तांतूची आस्स! [विजेचॉ गडगडाटू जॉरानॅ जात्ता] रामाचार, वचा! मठांतू आशिल्यांक ॲकडॅ कऱ्याती, हस्त्यांरी अंबाऱ्यॉ चडयाती आनी...

नंजुंडाः—तँ असाध्य शास्त्री! वीजेच्या गडगडाटानँ हसत्यॉ सगळ्यॉ भिंवनू गेल्याती, पिश्शाम्हणकॅ कोर्नू कॉणाकई लाग्गी येंवच्या दीनाती.

पारिपत्यः—तरी दोण्यॉ ॲक्कडॅ कराती आनी तुंगभद्रेतीरारी आशिल्या सगळ्या सारस्वतांक मठांतू हाड्याती

मुक्कणाः—जाल्यारी ह्या तुफानांतू भायर पडतलँ कॉण?

पारिपत्यः—शृंगेरी मठाचॉ हॉ पारिपत्यगारुचो ॲकळाक भायर पडता. ज्या मठाचँ अन्न आजीवरेके खॅल्लँ, त्याची मठा मर्याद राकची कॉणाकई सद्बुध्दी जाल्यारी मज्यासांगाती येय्याती. सत्कार्यांक वतल्यांक मारची शक्ति प्रत्यक्ष यमांतु ल्गोनॅ ना, ताव्वळी विजेंतु आनी वादळांतु खंची आस्तली?

चला। [वोचुक करता तितल्याघड्यांत्]

नारायणपय्या :—[भित्तरी थावनू]

शुक्लां ब्रह्मविचार सार परमाराध्याम् जगत्व्यापिनीम्।
वीणा पुस्तक धारिणीम् अभयदां जाड्यांधकारापहाम्॥

हस्ते स्फाटिक मालीका विदधतीम् पद्मासने संस्थितांम्।
वंदे ताम् परमेश्वरीम् भगवतीम् बुध्दीप्रदाम् शारदम्॥ १॥

पारिपत्यः—"शुक्लां ब्रम्हविचार सार परमाराध्याम् जगत् व्यापिनीम्—!" ह्या उग्र वादळांतु शारदामातेगेली स्तुती कर्तलों कोणू?

नारायणपय्या : [प्रवेश कर्तची] वंदे ताम् परमेश्वरीम् भगवतीम् बुद्धी-प्रदाम् शारदम्"

मुक्कण्णा:—नारायणपय्या!

पारिपत्यः—नारायणपय्या? सारस्वतांगेलों पुढारी...

नारायण:—नारायणपय्या!- दुर्दैवी सारस्वतांगेलों दुर्दैवी नारायण-पय्या!—

पारिपत्यः—नारायणपय्या, तूं मात्र आयलों आनी बाकीचे?

नारायणः—न्हंई तीरारी आमगेल्या ठाण्यारी सुखरुप आस्सती. सुत्तु जलमय दिसता, जाल्यारी आमकां पावसाचॉ त्रासू जायनँ, वादळाचो उपद्रव पावनँ, आनी ऊवारा उद्याक आमच्यालागी सुदांइ यॅनँ!

पारिपत्यः—शारदांवेगेली कृपा [नारायणपय्यागेलॅ पाय धरतची] नारायणपय्या, आमकां क्षमा करी! आमगेल्या मठाची मर्याद राकचॅं आत्तं सर्वस्वी तुमगेल्या सद्‌गुरुंचेरी नीतुज्जेरी आस्स.

नारायण :—शास्त्री, हें कसलँ? जगद्‌गुरुंगेली भॅंट घेवनूं अखेरचॉ प्रयत्नू कोरका म्होणू हांव हांगा आयलॉं, जाल्यारी हॅं अनपेक्षित कस्लॅं पळयतां!

पारिपत्यः—नारायणपय्या, तुका आश्चर्य दिसचँ सहजची! काली तुमगेल्या सद्गुरूंगेलॉ ह्या मठांतु अनादरू जाल्लॉ, आमगेली चूकी जाल्ली. हांव तुमकां सर्वथाः शरण आस्स. आमगेली शारदामाता आमकां वास दिय्याती! [नारायणपय्यागेल्या पाय्यारी मात्तँ दवरता.]

[पडदॉ पडता]

प्रवेशु पांचवॉ

स्थळ : रस्तॉ (नगर)

[रमणु आनी अनंतय्या प्रवेश कर्ताति.]

रमणु :—अनंतय्या, आनी एक फंतां तँ पद म्हण. हांवयि पूरा तँ शिकूनु काडतां. गानविशारद म्होणू रायानॅ खुद्द तुगेलि तारीफ केल्लेलि आस्तना, आम्मि तुगेलि कस्लीयि शिफारस कोर्नयेवॅ ?

अनंत :—व्हयिरॅ, तूंवँ शिफारस कोर्का म्होणु, हांवँ रस्त्यारि गायन म्होणकार्य ? निवांत जागॉ जांवका. चारि चौगानि एकडॅ जांवका. तावळि हांवँ म्होणंका.

रमणु :—तदिश म्होणचँ खंवेंयि रागदारि नावँ, शास्त्रीय संगीत. आत्तं हांवँ म्होणूक सांगिल्लँ, नारायणपय्याक स्वागत कर्तना म्होणचँ तँ. आत्तं माक्का शिकयिल्लँ हँ "नररत्ना नारायणा, सुस्वागता."

अनंत :—जायद तरी (दोग्गयि मेळनु म्हणताति.)

[पद]

नररत्न नारायणा सुस्वागता
कुळदीपक सारस्वता. ॥धृ॥
बाळपणां करी भिक्षां देहि रे
तारूण्यां जाती भार घेई रे

सुविचारा आचरीता कपटां ना मानतां
वृध्दपणां उध्दरीता ज्ञाती सारस्वता. ॥१॥

ज्या नगरा आश्रीतपद स्विकारी
त्या नगरा शिरी घेई भूभारी
स्वजनां सम इतर जना कल्पांता धोर्नू मना
उच्च शिखरी पावइता ज्ञाती सारस्वता. ॥२॥

रमणु :—आत्तं जाल्यारि संतोषु जाल्लॉ. आत्तं घारा वचूनु ह्या पदाचॉ अभ्यासु कर्तो.

अनंत :—राव, खळनाथय्या यॅत्तऽ आस्स. पळे.

रमणु :—छॅ! आय्लॅावॅ? हांवॅं खंयि वचुगेल्लेलॅ तरी माक्का सॉण्णा हॉ; **शनि!** ताबलागि उल्लोंवॅचॅं बंद कॅल्ल्यां हांवॅ.

खळु :—[प्रवेश कोर्नु] रमणू! रमणू!! उल्लयिरॅ मित्रा. तूंवॅं उल्लैनॅ जाल्यारि हांवं चऽड दीस वांचना.

रमणु :—खळू, तुक्का सांगल्या न्हयिवॅ, आनी मुखारि तुगेलॉ सहवासु नाक्का.

अनंत :—इत्त्याकॅरॅ? इत्लॅं कोप्पूक, कस्लॅं कॅल्लॅं हान्नॅ?

रमणु :—ताक्काचि विचारि. सांगुवॅ खळू?

खळु :—नाक्का रमणू. मगेली मर्याद काण्गाक्का.

रमणु :—आसल्यारि न्हयिवॅ! अनंतय्या, आम्मि गोकर्ण भायरसलें दिसु धोर्नु, हांगा यॉ वरेक कस्लॅ केल्लॅं गोत्तास्सकी?

अनंत :—कस्लॅं केल्लॅं!

रमणु :—गुरु शोधनेक आम्मि सर्व त्या दिवसु भायरसलें न्हइं? हॉवेइ मज्जा सांगाति यॅत्तां म्हणाल्लॉ. मित्रु म्होणु हांवॅं बाय्द म्हळ्ळॅं. देशाटन कोर्नु मस्त पैसॉ घेव्नु यॅत्तां म्होणु बायलेक फटोव्नु, हॉ गोकर्णाक भायरसल्लों. नोळैत सांगाति येव्येशिलॅं न्हइवॅ? तॅं सोळ्ळॅ. सगळयांतु आपणागेलॅं माचॅं शिर्कायता. सामाना गाडि

कॉण आंबुडता म्हळ्ळैं की ' हांवं ' म्होणू मुखारि आय्लॉ. सै! गाडि आंबुडच्याक हॉ मुखारि आनी हांव माक्षि बस्लॅ. आमचॅं माक्षि सूणिं भोंकतचि भायरसर्लिं. सुमार राति कळुयल्या. वाघांगेलि गर्जना जॉरानॅ आय्कूक आय्लि. गाडि फक्तॅ रावलि. हांवॅ ' खळू ' म्होणु आप्पैलें. खळु ना. सांगाता गाड्यॉ मस्त मुखारि गेल्लेल्यॉ. हांवं हळूचि उटाव्नु पळैतां, खळु एक कौंळिगेंतुं गुड्लि जाव्नु बस्ला. माक्का पळैलॅ की बोट दाक्कोव्नु सांगूक लागलॉ " वाग़ु बसला पळॅ थंयि." हांवॅ पळैलॅं. झगझगी दॉळॅ. धस्स जाल्लें. हांवंइ, आनेक कवळिगेंतुं निण्पूक पळैलॅं, तावळि एक आय्दान गडगडेव्नु धडाल्नॅ तोग्गु पळ्ळैं. त्या अवाजाक भीव्नु आमकां पळैत आशिल्लॉ तॉ वाघु भॉंकलॉ. तावळि कळ्ळैं, ह्या खळूनॅ दाकयिलॅ झगझगी दोळ्यांचॉ वाघु, सूणं म्होणु.

खळु :— अनंतय्या, तूंचि सांग. हावॅं कांइ बाघा दॉळॅ करिशि आस्सति पळैनॅ. तावळिं हांवॅं करलॅं म्होणु सांगचॅं ?

रमणु :— जाल्लें! कश्शी तरी आम्मि गोकर्ण वचूनु पावलॅ. थंयिं गुरु प्रातिखातीर उपासु कोर्नु धरणॅं धोर्नु बोसचॅं म्होणु ठरेयिलॅं. हो खळूयि उपासु कर्तो म्हणालॉ. ताक्का सांगिल्लॉ उपवासु न्हंयिं.

खळु :— मित्रानॅं, उपवासु कर्तना हांवॅ जेंवचॅं करिशि ?

अनंत :— बरोबरि! तोचि खरॉ धर्मु!

रमणु :— तो धर्मपालन कोर्चाक, हांवें दुसरॅ दिसु गळेंयासु घेंव्काशिलॉ. कारण, हो खळु, उपवासु कोर्नु, हेर्गिसु, दॉळयां मंडळ्यॉ घुंवंडाव्नु निठू जाव्नु वर्गला. कर्म! ध्यानस्थ जाव्नु बस्ला म्होणु जानांनि लेक्लॅं.

अनंत :— हां हां! हावॅं तीर्थ काण्णु दॉळयांक मारलॅं तावळि न्हयिंवॅ ?

रमणु :— न्हयि. हाका इत्याक जांव्काशिलॉ उपवासु ?

खळु :— जाल्यारि उपवासु म्होणु, उप्राणांतुलो केळयां घाडायु रित्तॉ कर्नें हांवॅं.

रमणु :— दुसरॅ दिवसु, गुरु दर्शनेक कोटितीर्थारि वचुगेल्लॅ. न्हाव्नु गुरु दर्शन घेंव्का म्होणु संकल्पु कॅल्लॉ. पोंवचाक यॅतल्यानि न्हाव्येद म्हळ्ळेकी, खळूनॅ दिंबिभडरि उदाक आस्तलैं म्होणु लेक्कूनु कोटितीर्थांतु उडकि मार्लि. सुमारु वेळु जाल्लेतरी हॉ दिस्सनॅ. आखेरिक पॉट फुग्गूनु, खळूगेलि ही आड्डावण वयरी आय्लि.

गुरुकृपेनॅ, उद्दाक काळ्ळॅं, आनी हॉ वांच्लॉ.

खलु :—खरेंचि गुरुकृपेनॅ वांचलॉ अनंतय्या. हागेल्या सूचनेप्रमाणॅ केल्यारि समचि जात्लेंशिलॅं. फुग्गिल्या पॅट्टांथाव्नु उद्दाक काडका जाल्यारि, पॉट्टारि फळॅं दवर्नु मस्तित्यारि उद्दाक भायर पडता म्हणालॉ खंयिं, हॉ वैकुंठ पंडितु!

रमणु :—मुखारि सांगतां आयक अनंतय्या. मंगळार्ति जाल्लि. तीर्थ वांटूक कॉण म्होणचॅ भित्तरि, खलु हनुमनाय्कुसो हांव कर्तां म्हणालॉ आनी माक्षि मुखारि पळैनास्तना, दिव्ले मुळांतुं आशिल्लि तॅल्ला उळि घेव्नु वांटूक सुरु केलॉ. तीर्थ म्होणु हात्तांतुं घेचिलॅं, तॉडांतुं घाल्नु घेव्नु, तॉंड कडु कोर्नु घेव्नु बसल्याति. गिळूक जायना. थू कोरूक दॅवळ. तॅं हावॅं पळैलॅं. माक्का सहन कोरूक जायनॅं. खळूक आपयलॅं. आनी तॅं पूरा तीर्थ हाकाचि पिवंचाक लायलॅं. हेदिवसु सकाळिं सांगचॅ कस्लॅं? खळूक आनी चॅंबाक गांटि!

खलु :—तीर्थ गोड म्होणु एकळाकचि हॉ पूरा पीव्नु बशिल्लॉ, तॅं माक्का इत्तॅं गोत्तु?

रमणु :—मागिरी आम्मि शृंगेरीक वचुगेल्लॅ.

अनंत :—शृंगेरीक वचुगेल्लेंॅ, आनी परत नगराक आयिल्लें तॅं पुरा माक्का गोत्तु आस्स. जाल्यारि तुम्मी सानपणीचॅ मित्र मॅरे? तावळी अश्शी एकदुसऱ्यांगेलीं उणेपण काण्णास्तना मित्र म्होणु भरमेरि आसका. व्हइकी न्हइ? चला तरी. झगडनास्तना मुखारि वचा पोळोंक्या.

[तेग्गइंजाणं वत्ताति.]

प्रवेश सटवॉ

स्थळः—वस्वेश्वरागेलॅं दरबार

रामचंद्रः—[मान्यतापत्र वाचत आस्स—]........श्रीमत् परिज्ञानांश्रमां विषयांतू आमगेल्या मनांतू कॅर्नाइ संशयू नाशिलॉ आनी आत्तंई ना, जाल्यारी रीतीरिवाजाक सम्म जावनू तान्नी वादू कोर्नू जयू मेळोंवका अश्शी आम्मी तांक्का विनंती कोरका पळ्ळी. आमगेल्या विनंतीक मानू

दिवनू श्रीमत् परिज्ञानांश्रमांनीं कश्शी जयू मेळयलॉ हाज्जॉ सविस्तार समावेशू ह्या मान्यता पत्रांतु कोरचीं जरूरी आस्स अश्शी आमकां दिस्सना. वादा असल्या कठीण विषयांत् प्रतिस्पर्ध्याक सामान्यांत् सामान्य ठरोंवची कॉणागेली शक्ति, आनी प्रत्यक्ष आद्यशंकराचार्यांनी स्थापन केल्लेली शारदां-वेगेली शक्ती तपोबलानें आकर्षण कोरचॉ कॉणागेलॉ प्रभावू, त्या श्रीमत् परिज्ञानांश्रमांविषयांतु संशयू घेंवचॉ म्हळ्यारी प्रत्यक्ष शारदांवेगेल्या अस्तित्वाविषयांतु संशयू घेंवच्या म्हणकेची.

श्रीमत् परिज्ञानाश्रमां असल्या प्रती सरस्वतीपुत्रांक शॉभतलतस्लॉ मानू दिंवचॅं आमगेलॅं आद्य कर्तव्य जावनू आस्स. आनी त्यामिती आम्मी विरूदू बावली अड्डपलंकी मानू आनी त्या मानाची चिन्हं श्रीमत् परिज्ञाना-श्रमांक आनी तांगेली परंपरा चलयतल्या सद्गुरूंक दित्ताती, आनी अश्शी जाहीर करताती कीं श्रीमत् परिज्ञानांश्रमांगेलॅं अनुयायी जावनूं आशिल्या आद्य ब्राम्हण सारस्वतांक आजी थोनूं ह्या शृंगेरी मठांत् तिर्थ-प्रसादाचॉ पयलॉ मानू मॅळतलॉ. [बसता]

बस्वेश्वर:—शृंगेरीच्या जगद्गुरूंनी दिल्लेलॅं मान्यता-पत्र आमगेल्या आग्रहानॅं रामचंद्रय्यानॅं आत्तं वाचुनू दाकयलॅं तॅं सगळ्यांनी आयकल्यांची. राजरत्न नारायणपय्याक महामंत्रीपद दिंवच्याक आत्तंई कॉणागेलोई व्यक्तिशः आक्षेपू आसल्यारी सांगकाज! [कॉणेई उलयनातीं] रामचंद्रय्या!

रामचंद्र:—ना, महाप्रभो!

बस्वेश्वर:—नंजुंडा?

नंजुंडाः—ना, अन्नदाता!

बस्वेश्वर:—मुक्कण्णा!

मुक्कण्णाः—ना, महाप्रभो.

बस्वेश्वरः—तरी, रामचंद्रय्या, [रामचंद्रय्या बाजूक आशिल्लँ तवक रायालागीं दित्ता] नारायणपय्या, महामंत्रीपद अँका महाज्ञानी ब्राम्हणाकची मेळचँ ही ह्या नगरसंस्थानाची परंपरा नी रुढाचारु, आनी ताक्का सम्म जावनू महामंत्रीपद आजी आम्मी तुक्का दित्तातो. ह्या महामंत्रीपदाच्या चिन्नांचॉ स्विकार कोरनू ज्या भक्तीभावानँ आजीवरेके नगरसंस्थानाची सॅवा केल्ली, ताँची भक्तीभावू ह्यामुखारी मनांतू धोर्नू आमगेलँ संस्थान हाज्याकई भरभराटीक तूं हाडतलॉ अश्शी आमकां पूर्ण भरवसॉ आस्स. [तवक दित्ता]

नारायणपय्या :—[तवक घॅत्तनी] अन्नदातांगेल्या भरवशाचॉ अनादरु करीशना इतलँ हांव आश्वासन दित्तां. [रामचंद्रय्या ताक्का उजव्या वाजूल्या रित्या आसनाचेरी बसयता.]

बस्वेश्वरः—नारायणपय्या, आयच्या दरबाराचँ मुख्य काम जाल्लँ. आसं दुसरँ काम म्हळ्यारी शृंगेरीक वोचुनू श्रीमत् परिज्ञानाश्रमांक नगरांतू आपोवनू हाडचँ. जाल्यारी ताज्या अँकळाक आनी एक काम बाकी आस्स. नारायणपय्या, आनी तीनी म्हईनँ तुमचेरी फट्टी आरोपु घाल्नूं तुमकां कष्ट भोगुक लायिल्या ह्या रामचंद्रय्याक तुवँ योग्य शासन कोरका आनी तँवई आत्तंची कोरका-अश्शी आमगेलॉ आग्रह आस्स.


नारायणः—अन्नदातांगेल्या आग्रहाचॉ हांव अनादर करना, मात्र हावँ आत्तं दिवचँ शासन अन्नदातांनी मान्य कोरका.

बस्वेश्वरः—त्या विषयांतू तुक्का अनुमान नाक्का.

नारायणः—मगेलॉ उजवॉ हात समजूनू नगरसंस्थानाचँ अमात्यपद हांव वापस रामचंद्रय्याकची दित्तां!

बस्वेश्वर.—आनी हे पातकांचँ शासन?

नारायणपय्या :–न्हई! उपकारां फेडी.राम


WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 000166

अन्यायू कॅलॉ अश्शी महाप्रभोंम्हणके माकाई ॲकळाक दिसतालॅं, जाल्यारी आत्तं कर्स्लॅं जाल्लॅं हाज्जॉ विचार कॅल्यारी, त्या अन्याया रूपानॅं तान्नॅं आमचेरी होड्ड उपकारु कॅल्ला अशीची कबूल कोरका पडता. रामचंद्रय्यानॅं आमच्याविरुद्ध इतली चळवळी करनाजाल्यारी आम्मी गुरुप्राप्तीखात्तीर वांट काण्णाशिलॅ, आनी आम्मी गुरुप्राप्तीखातीर वांट काण्णाजाल्यारी आजी आमगेली गुरुपरंपरा निर्माण जायनाशिल्ली.

रामचंद्रय्याः—[नारायणपय्यागेलॅ पाय धरतची] नारायणपय्या, माक्का क्षमा करी! ॲक्का महामंत्रीपदा अभिलाषेनॅं हांवॅं इतलीं नीचपण केल्लीं, जाल्यारी आत्तं माक्का कळ्ळॅं कीं महामंत्री असल्या पवित्र जाग्यारी तुजअसलॅा सत्पुरूषूची योग्य आस्स म्होणू.

नारायणः- रामचंद्रय्या, उट्टा! तुवॅं वाइट लेकुनू घेंवच्याक कारणची ना. करतलॉ आनी करयतलॉ देवूची. महाप्रभो, मगेल्या विनंतीक मानू दिवनू रामचंद्रय्याक अमात्यपद दिंवका अश्शी मगेली प्रार्थना आस्स.

बस्वेश्वरः—सज्जनांगेलॉ अनादरु आम्मी एकफांता कॅल्लॉ, आनी ताज्जी पुनरावृत्ती कोरची आमगेली इच्छा ना. रामचंद्रय्या, यॉ. [नारायणपय्या, रामचंद्रय्याक दाव्या वाजूच्या आसनाचेरी बसयता] नारायणपय्या, असलॅा शुभप्रसंगू आनी कॅनीई यॅत्ता की ना की. तावळी कॉणागेली आनी कसलीई इच्छा आसल्यारी आत्तं सांगका अश्शी आमगेलॉ आग्रह आस्स.

रामचंद्रय्या:—महाप्रभो, जाती उद्धाराक सारस्वतांक तांगेल्या सद्गुरूंगेलॉ लाभू जाल्लॉ, आनी नारायणपय्याक महामंत्रीपद मॅळ्ळॅं; तावळी नारायण-पय्यागेली आनी कस्लीई इच्छा बाकी वरल्या अश्शी माक्का दिस्सना. मगेली मात्र एकी इच्छा आस्स. आजी सारस्वतांगेल्या गुरूपरंपरेक प्रारंभू जाल्लॉ हाक्का हांव कारण अश्शी सांगुनू नारायणपय्यानॅं त्या प्रारंभा पुण्य मगेल्या व्हांटींतू घाल्यां. तावळी त्या पुण्याक पूर्णता यॅवका म्होणू हांव महाप्रभोंक विनंती करतां की शृंगेरीक वोचुनू श्रीमत् परिज्ञानाश्रमांक

सन्मानाचेरी नगरांत आपोवन् हाडचॉ मानू मावका दिवका, आनी तांगेल्या स्वागताखात्तीर हॅं नगर सुशोभीत कोरचॅं कार्य मजेरी वयसुंवका.

वस्वेश्वरः—रामचंद्रय्या, आम्मी त्या दिवसूची सांगल्यां की आनी मुखारी सज्जनांगेलॉ अनादरू कोरची आमगेली इच्छा ना म्होणू, आनी तुज्यांतू जालेल्या परिवर्तनामिती तुगेलोई आजी सज्जनांत् समावेश जाल्ला, तावळी तुगेल्या इच्छेक आम्मी आनंदानॅं मानू दित्ताती. ज्या श्रीमत् परिज्ञानांश्रमांगेल्या परमपुण्यानॅं ह्या नगरांतुल्या सर्व प्रजाजनांतु ऐक्य जाल्लॅं त्याची श्रीमत् परिज्ञानांश्रमांनीं आमचेरी कृपादृष्टी दवोरनू आमकां सर्वांक सद्‌गती दिवका अशी तांगेल्या दिव्य चरणांलागी प्रार्थना कोरयां.

[पद]

दुमदुमली ही धर्म दुंदुभी। नेता दिव्य महान।
परिज्ञानाश्रम गुरू लाभलॅ। सारस्वत अभिमान॥
जय चित्रापुर जय परिज्ञान॥ धृ॥
रविप्रभा तव मुखकमलारी। ज्ञानसिंधु तूं दुरितनिवारी।
पंकज लोचन दुःख विमोचन। पूजित नित विद्वान॥ १॥
अति उज्वल तव गुरुपरंपरा। दीप्तिमान तव कीर्तिगुरुवरा।
आनंदाश्रम गुरुकृपेचॅं। छत्र हॅंचि वरदान॥ २॥
दर्शनमात्रें तव उद्धारक। युगांयुगांचॅं जळता पातक।
वरद हस्त तव सदा उरो। ही इच्छा मोनिंची सान॥ ३॥

ही "चित्रापूर वैभव" नाटकाची समाप्ती,
जाल्यारी चित्रापूर वैभवाचॉ खरॉ प्रारंभू.

—अंकु तिसरॉ समाप्त—

PUBLIC CENTRAL LIBRARY
135

139


134

LIBRARY

WORLD KONKANI CENTRE

Shakthinagar, Mangalore.

No: Acc. No:

Issued on	Borrower's No. And Signature	Returned on

166 / Dr. Dev / SUR

(A)
WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE: चित्रापुर वैभव
Chitrapur Vaibhav
Konkani drama

YEAR: 1987

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ____________

1. Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN